# कोंकण टायम्स

## शिक्षण विशेशांक १९९१

संपादक :
तुकाराम रामा शेट

मोल : २ रु.


मुळावें शिकप कोंकणी भाशेंत — शणैगोंयबाब

कोंकणी शिक्षण : एक चिंतन — सुरेश जयवंत बोरकार

भौजन समाजाचींय भुरगीं फुलूं-परमळूं जाय — रवींद्र नमशीकार

ह्यब्रीड न जावपाखातीर आनी संस्कृतीखातीर कोंकणीतल्यान शिक्षण — डॉ. विली द सिल्व

शास्त्रीय बसका घेवन पाथावळ तयार करूंया — डॉ. तानाजी हळर्णकार

मुळाव्या शिक्षकांक प्रशिक्षणाची गरज — लीला गायतोंडे

मुळाव्या शाळांनी कोंकणी माध्यम — डॉ. फादर मॅथ्यू आल्मेद

विद्याभुवनांतले अणभव — प्रमिला बोरकार

गोंयकारानी आपलें राज्य आनी शिक्षण कोंकणी भाशेतल्यान करूंक जाय — सुरेश ज. बोरकार

शिक्षण संस्थांचो वावर / शिक्षणांत कोंकणीची सुवात — प्रा. कमलाकर म्हाळशी

# कोंकण टायम्स

## शिक्षण विशेशांक १९९१

## गोंयच्या शिक्षणाच्या मळार नव्या युगाक आरंब जाता

डायोसिजन सोसायटी फॉर एज्युकेशन हे संस्थेन आपल्या निश्चीत विचारान, धोरणान, गोंयची संस्कृती राखपाच्या हेतान आनी विद्यार्थ्यांचे हिताचे नदरेन आपल्या शाळांतल्या मुळाव्या वर्गाच्या विद्यार्थ्यांक येत्या जून सावन कोंकणी माध्यमांतल्यान शिकोवपाचो इतिहासीक निर्णय घेतलो, आनी निर्णयाप्रमाण फुडलो वावर चालू केलो. ह्या निर्णयान गोंयच्या शिक्षणाच्या मळार नवीच उमेद आनी वातावरण तयार जालें.

कोंकणी मुळाव्या शिक्षणाखातीर लागपी पुस्तकां आनी हेर साधनां तयार करचे खातीर गोंयच्या शिक्षणीक संस्थांनी पयलीच वावर हातांत घेतलेलो आनी ह्या निर्णयान ह्या वावराक अदीक बळ लाभलें.

कोंकणी मुळाव्या शिक्षणाचेर खोलायेन विचार जावचो आनी मुळाव्या शिक्षणाची पाथावळ तयार करपाच्या वावराक नेट येवचो आनी लोकांमदी जाग जावची ह्या हेतान कोंकण टायम्साच्या अंकावतीन ३१ जानेर १९९१ दिसा कोंकणी चळवळीचे फुडारी भौ उदयबाब भेंब्रे हांच्या अध्यक्षतेखाला परिसंवाद घडोवन हाडलो. डायोसिजन सोसायटी फॉर एज्युकेशनचे अध्यक्ष भौ. फादर निकोलांव पेरेर हाणी परिसंवादाचें दिवली पेटोवन उक्तावण केलें आनी कोंकणी संस्कृती राखपाक उलो माल्लो. नामनेच्या शिक्षणतज्ञानी, बरोवप्यानी आनी वावुरप्यांनी आपले विचार मांडले आनी चर्चा केली. या परिसंवादांतले पेपर तशेच मुळाव्या शिक्षणा संबंदीचे लेख कोंकण टायम्साच्या ह्या खास अंकांत दिल्यात. अंकांत उजवाडायल्या बरपान खूब जाणांचे दुबाव पयस जातले, खूब जाणांक कोंकणीतल्या शिक्षणाचे म्हत्व समजतलें आनी खोल विचार मंथन जातलें अशी आस्त आसा.

कोंकणी मुळाव्या शिक्षणाखातीर कोणेच चळवळ उबाल्ली ना. वयल्यान इंग्लीश माध्यमांतल्या मुळावें शिक्षण दिवपी शाळांक अनुदान दिवचे म्हूण मोर्चाबीन काडले. पूण आतां गोंयच्या शिक्षणाच्या मळार नव्या युगाक आरंब जाला. भुरगी परके भाशेतल्यान शिकताली ती आतां तांचे आवय-भाशेतल्यान शिकतली. परके भाशचे वजें आमच्या गोंयच्या भुरग्यांचेर आसचें ना. ती आतां मेकळेपणान शिकतलीं. अशें शिक्षण आतां शाळा शाळांनी सुरू जातलें. गोंयच्या शिक्षणाच्या मळावयर उदेतल्या या नव्या युगाक आमी येवकार दिवया.

**– संपादक**

○ संपादक :
**तुकाराम शेट**

○ संपादन पालव :
**प्रकाश द. नायक**
**महादेव भोसले**

○ उजवाडावपी :
**हिरा शेट**

○ छापपी :
**रवि मुद्रणालय,**
बेळगांव
फोन : २३०७९

○ **कोंकण टायम्स पब्लिकेशन**
बेती, बार्देश, गोंय ४०३१०१

– लेखांतली मतां त्या त्या लेखकाचीं

Regd. R. N. No. 39874/83

**Sports...** FOR BETTER HEALTH AND RECREATION DO YOU KNOW WHAT THE GOVERNMENT IS DOING FOR THE PROMOTION OF SPORTS ?

- Institution of State Sports & Youth Awards to Outstanding Personalities.
- Development of Sports Complex & Multipurpose Halls.
- Grants Development of Play Grounds at Panchayat and Taluka Level.
- Conduct of Sports Festivals for Primary, Middle, Secondary and Higher Secondary Schools.
- Scholarships to Outstanding Sportsmen.
- Promotion of Literature on Sports.
- Establishment of Vyayamshalas.

Issued by :-

DIRECTORATE OF SPORTS & YOUTH AFFAIRS

**Panaji-Goa**

# मुळावें शिकप कोंकणी भाशेंत

— शणै गोंयबाब

भाग्यवंत कोंकण्यानू–भावांनू आनी भयणीनू– आमी व्हडल्या कुळांतले आनी आमगेली भास वेदांच्या घराण्यांतली. परंत तिचे खातीर आनी आमचे खातीर आमी आजवयर कितें केलां आनी करूंक जाय तें चिके येवजून पळोवंया. आमगेली भास व्हडली खरी. परंत तांतूंत आमचे भितल्ले जायते जाण उलयनात, बरयनात आनी आपणांल्या भुरग्यांक तांतून मुळावें बरपूय शिकयनात, हें आमचे लटके म्हणू नज. आमगेल्या चार पांच वर्सांच्या सुपुल्ल्या भुरग्याक आमी कोंकणी शिकय नासतना; मराठी, कानडी पुर्तुगेज आनी अिंग्रजी शाळांनी घालतात. हे तरेन आमी तांका बरप शिकयनात; तर तांगेलो तरणो मेंदू फातरावरी घट करतात. तांगेली मत भंगयतात तांगेले आयुष्य उणें करतात. हांव तुमकां मराठिचोच अणभव सांगतां. आमगेल्या गोंयां सुमार अडेचशी मराठी शाळो आपल्या खाशेल्या खर्चान थैंचे कोंकणे हिंदू चलयतात खंय. तांतूत सुपुल्ल्या भुरग्याक 'श्री गणेशा' पासून शिकयतात. परंत ती भास तांगेल्या कपलांत सट करून भरना आनी तांका ती सारके रितीत अुलोवंक–बरोवंक येना म्हणपाचो अणभव अेका शिकोवप्याक आयला. हो शिकोवपी मराठणातलो आसून, गोंयां शिकोवपाचें काम करूक लागून सुमार वीस पंचवीस वर्सां जातीत. तो म्हण्टा कि, चौदा पंद्रा वर्सांची जाण्टी भुरगींय 'मला आअी आपवतो आहे' आम्ही खेळावयास जातात 'मी नाही बोलली' 'मी नाही आली होती' 'फाल्या सुटी आहे' 'मला आज कळाव होणार' तो आज येणार नाही कोठे' 'त्यांच्या पोटान जाते' अशे तरेची मराठी उलयतात. अेका शिकोवप्याले बायलेक बरें नासलें खंय. तिका सांसवां जाय जालीं. परंत शिकोवपी हें उतर नकळो आसलो. 'मोहरी' हाडूक सांगली. परंत 'मोहरी' म्हळ्यार कितें तें तो गडो आनी बाजारांतलो अेकलोय कोंकणो पसरकार नेणा आसलो. गडो सगळो बाजार भोंवलो आनी 'मोहरी' खंयच मेळना जावन, माथ्यार हात घेवन घरा आयलो! ह्या पुराव्या वयल्यान, मराठी ही कोंकणी भुरग्यांली आवयभास नासून तें तांगेल्या गळ्यांत बांदिल्लें दात्याचे पेड म्हणूक जाय. जे भाशेंतल्यान उतरांचो समज सट करून पडना आनी जी पाठ करून शिकुनय सारखी बरी उलोवंक–बरोवंक येना, तिका आवयभास कोण म्हणत? हाचे उरफाटे शाळेत केन्ना शिकनासतना, जाणट्यांक तशोच नेण्टयांक जी भास भौ बरी समजता, उलोवंक येता, आनी लिखणी हातांत धल्यार बरोवंकूय येता, तीच तांगेली निजाची आनी खरेली आवयभास. देखून सुपुल्ल्या कोंकणी भुरग्यांलें मुळावें शिकप सदीच कोंकणी भाशेंन जावंक जाय हातूंत निखालूस वाद ना. सांसव हें उतर आयकना फुडें कोणाय कोंकणी भुरग्याला दोळ्यां सामखार ताजे चित्र घसघशीत बरें उबें रावता. ताचो रंग आनो रूप तांगेल्या नाकाक येता आनी रूचूय ताचे जिबेक कळटा. हांचे उरफाटे 'मोहरी' 'mustard वा mostarda' म्हळ्यार, कुडुयान काळोखांत सांसपिल्ल्यावरी गत जाता. ते रानांत पट्टा.

सुपुल्ल्या कोंकणी भुरग्यांक कोंकणी भाशेन शिकल्यार सट करून समज पडून शिकपांत ती बेगीन फुडें सरता म्हणपाचो अणभव मडगांवचे सेवा समितीक आयला. गोमन्तक छापखान्यान उजवाडायल्लें पयलें कोंकणी पुस्तक तांतूत ल्हान चलयांक शिकयतात. १९३६ वर्सापासून या मुंबय शारांत 'गोवा अेमिग्रँट्स फंड' कमिटीन पुर्तुगेज सरकारच्या खर्चान कोंकणी भाशेची शाळा उघडल्या. तांतूंत कोंकणी पंचायत समितीन रचिल्लें आनी रोमी लिपित छापिल्लें कोंकणी पयलें पुस्तक शिकयतात. पांच वर्सांच्या ल्हान भुरग्यांपासून वीस वर्सांचे जाणटेय थंय शिकतात. हे सगळे कोंकणी क्रिस्तांव भुरगे. तांका कोंकणी भास सोपेपणान समजता आनी बरोवंक वाचूंक बेगीन येता म्हणयाचो अणभव आयला. हाचे वयल्यान आमगेल्या भुरग्यांक कोंकणी भास कितली आदावाची आसा तें सांगूक नाका. ही भास सोडून तांकां मराठी, कानडी वा हेर भासो शिकयल्यार तांगेले मोलादीक आयुश्य फुकट वयता. त्या भासांची उतरां घोकून तांचो अर्थ पाठ करपांत ताचो वेळ आनी बळ होगडावता. हें लुस्कान तांगेले कोंकणी आवयभाशेन जायना. कित्याक, कोंकणी उतरांची चित्रां तांगेल्या दोळ्या सामखार नाचतात. ती आनी तांचो अर्थ तांका घोंकचो लागना. देखून, भौ. माधवबाब शानभाग म्हण्टात तें अिल्लेंय लटके न्हय. भास शिकून, नवी आनी आथवी भास शिकपाचें भुरग्याच्या माथ्यावयलें ओजें सकला देंवता. ही ल्हान–समान नफा न्हय.

काशयेच्या हिंदू विद्यापीठाच्या रुपेरी अुत्सवांत, गांधी म्हात्म्यांनी अिंग्रजी भाशेसंबंदान हालीच जे किदें म्हळां तें खासा हिंदूस्तानांतल्या हेर भासांकूय लागू आसा. म्हात्मे म्हणटात कि, आवयभास सोडून हेर भास शिकल्यार भुरग्यांले बुद्दिचें बळगें उणे जाता. दुसरी भास म्हळ्यार भुरग्यांले वांटेतले आडबारेच. १९४० वर्सा म्हात्म्यांनी हिंदुस्थानांत तुर्ताक चड गरज आशिल्ल्या वावराची तेरा कलमां कळीत केली. तांतूतले बारावें कलम आवयभाशेचो मोग (मातृभाशाप्रेम) अशें आसून तें म्हणटांत कि, 'राष्ट्राची सेवा करतल्यांनो लोकांल्या मनांत आपणाले आवय-

भाशेची मोग रुजोवंक हिंदुस्तानातल्या सगळ्या भासांचो तांका आदार आसचो. तांगेली खाशेली आवयभास कसलीय आसली जाल्यार, ते जंय जंय वतले थंय थंयच्या लोकांली आवयभास तांणी शिकून तांगेल्या आवयभाशेचो आदर तांणी चडोवचो.' हाचे वयल्यान हिंदुस्तानांतल्या वेगळ्या लोकाल्यो आवयभासो राखून धरपाचें अगत्य गांधी म्हात्म्यांक कितलें तें घणघणीत दिसता.

निरक्षरी लोकांक अक्षरी करूंक आवय भाशेसारको हेर उपायूच ना. राष्ट्रांतल्या सगळ्या लोकांक बरोवंक वाचूंक आनी हेर हिशेब करूंक येतकूच, ते दोळे आशिल्लें राष्ट्र जाता, ना जाल्यार तें कुडें. राष्ट्राचे शेतकामात आनी वेपार–उद्योग चलोवंक तशेंच आपलें आनी राष्ट्राचे हित सादूंक, जण अेका मनशाक–सादल्याक आनी बायलेक बरप येवकूच जाय. या संबंदान रशियाच्या सोविएत सरकाराची मांडणी देख घेयसारको आसा. रशियांत १६० राष्ट्रां आसून तांतूतल्या भुरग्यालें मुळावे शिकोवप दर अेका राष्ट्राचे आवयभाशेंत जावंक जाय असो थंय कायदो केला. या कायद्याक पाळो मेंळूक आदी जायत्यो नडी आयल्यो. भासो सुमार दोनशी आसून कांय भासांक लिपीच नासली. देखून नव्यो लिपी घडच्यो पडल्यो. आनी मागीर तांतूत शाळेंत शिकोवपाची मुळावी पुस्तकां रचची लागली. हे तरेन आता मेरेन ७४ नव्यो लिपी घडल्यात आनी काय पोरन्यो लिपी निवाळायल्यात. वेगळ्या वेगळ्या भासावें टायपरायटर आनी ल्हव लिपी घडल्यात. मुळाव्या प्रमाण पुस्तकांत दर अेका राष्ट्राचो खाशेलो अितिहास आनी ताची थळाची तशीच आस्पतीभूयवर्णनां शिकोवची मांडणी केल्या. रशियांत आतां आठ-पासून बारा वर्साची भुरगी निरक्षरी मेळनांत. थंय दोंबाव्याक लेगीत तांगेली रोमानी भास शिकोवची जतनाय घेतल्या. हांगेलो आंकडो साप ल्हान म्हळ्यार ६१ हजार आसा. रशियांत तरेकतरा राष्ट्रां, धर्म आनी भासो आसतानाव तांगेलो वेगळेवार राखोन तांतुतसून अेक जाती अेकवार घडिल्लो पळोवन अजाप जाता आनी कौतुक दिसता. तो अेकवार राखोवंक थंयच्या लोकांक आपणाल्या आवयभाशेचे शिकप जातोकूच रशियन भास शिकपी पट्टा. तांगेलें तांळवें शिकप रशियन भाशेंत जाता. ही भास सरकारी आस, देखून जण अेकाक येवकूच जाय तरी आसतना, दर अेका राष्ट्राचो कारभार तांगेच्या आवयभाशेनूच करची मांडणी केल्या. हे रितीन दोंबव्याक लेगीत तांगेले रोमानी भाशेत छापिल्लें सरकारी कायदे, कळीत पत्रां आनी जाळवण्यो वाचूक मेळटात. हे भाशेत थंय अेकलोय मनीस सरकारी कारभारासून वेगळो पडिल्लो दिसना, लोकांक तांगेलो आवयभास शिकोवपाचें कारण, तांकां ते भाशेन समज बेगीन पट्टा. ते बेगीन बरपाक्षरी जातात. आनी गिन्यानाची दारां ताच्या फुडयांत शेकानशेक पासाक लागतात हेंच आसा

मुरग्यां शिकोवपाची खोल येवजणी करतली पंडिता प्रोपासियाबाय अणभवीक उतरांनी जें सांगतात तें जण अेकान ध्यानांत धरूंक जाय. पंडिता बाय म्हणटात, ' भुरग्याचे आयुश्याचे मुस्तायकेंत तागेली आवयभास म्हळ्यार संवसारांतल्यो तागेल्यो जिखो जोडपाचे अेक सगळ्यांत उंच शस्त्र आसा. धाकटुल्याचे आत्मपण घडूंक आनी पूर्ण करूंक तीच अेकली पालव दिता.' आमगेले विद्वान तत्वगिन्यानी पंडित म्हणटात, ' भुरग्यांक जी भास निजाची येना ते भाशेंत तागेल्या बोंगेतल्या आत्म्याक उलोवंक लावचो हें कसाबपण आसून, आमगेले आवयभाशे आड तो अेक गुन्यांव आसा.' देखून, आमी आमगेल्या दर अेका गांवांत कोंकणी शाळो घालून तांतूत आमगेल्या भुरग्यांक शिकोवची मांडणो करूंक जाय. या खातीर आमी मुळावी वाचचीं पुस्तकां, तशींच गणीत, व्याकरण, भूंय–वर्णना, अितिहास बी हेर पुस्तकां भुरग्यांल्या साद्या सोप्या उतरांनी रचून उजवाडावंक जाय.

**– येवकार अध्यक्षांले उलोवप**

हातुंतलो अेक ल्हान वांटो

**कोंकणी परीशद तिसरी बसका १९४२**

(गोमन्तक छापखान्याचो धनी, गिरगांव हांच्या बरेपणान)

–☒–

## शास्त्रीय बसका घेवन पाथावळ तयार करूंया

**– डॉ. तानाजी हळर्णकार**

... आमी पालकांनी भुरग्यांचो फुडार चितूक जाय. आमी सरकाराचेर वा आनिक कोणाचेर पातये नासताना शिक्षणतज्ञांनी जो सिद्धान्त मांडला त्याच सिद्धांताक धरून आमी पालकानी, आमच्या गोंय-कारांनी कोंकणी हे शिक्षणाचे माध्यम हाचे पासून कुशीक सरूंक जायना.

कोंकणीतल्यान मुळावें शिक्षण दिवचे अशी उमेद जाली; आता ते नदरेन आनिक एक जापसालदारी आमचेर येवन पडल्या ती म्हणजे विद्यार्थ्यांच्यो गरजो भागोवपाखातीर आमची किदें तयारी आसा हाचेर विचार करपाक जाय.

... आमची आजून जाय तितली तयारी जावना. जी पाथावळ जाय, जे प्रमाणांत जाय ते प्रमाणांत ती ना. आनी ती शास्त्रीय ना.... कोंकणी माध्यम एक प्रयोग जाल्लो आसा. या माध्यमांत जे पालक आपल्या भुरग्यांक घेवन येतले तांच्या मनांत इल्लो दुबाव आसतलोच तांचे समाधान जावपासारकी आमची तयारी आसपाक जाय.... संशोधन करून, तशेच शास्त्रीय बसका घेवन पायावळ तयार करपाची गरज आसा.

(परिसंवादातल्या उलोवपांतलो एक वांटो)

# कोंकणी शिक्षण : अेक चिंतन

– सुरेश जयवंत बोरका

कोंकणी शिक्षणाचो विचार अेकमुळो करप बरोबर न्हय. तो अेकंदर शिक्षणाच्या संदर्भात जावचो पडटलो.

भोंवतणी नदर घुंवडायली जाल्यार शिक्षणाच्या मळार आमकां दोन दिशा दिसतात : अेक सरकारान घालून दिल्ली. आनी दुसरी जण अेकल्यान आपल्याक बरी अशें समजून घेतिल्ली.

सगळ्यांक शिक्षण मेळूंक जाय म्हणून सरकारान आज गांवां कणकणी आनी वाडयाकणकणी शाळा अुगत्यो केल्यात. जंय वीस भुरगी आसत थंय शाळा दिवप ही सरकारान आपल्याचेर घेतिल्ली लागणूक आसा. ही जाली मुळाव्या शाळांची खबर. माध्यमिक शाळा सरकार खाजगी संस्थांक अुबाम्बंक सांगता. आनी जंय तांकां जमना थंय आपुण उबारता. हीच गजाल अुच्च माध्यमिक शाळांची.

रासवळ मळार शिक्षणाचो विचार सर्वसाधारण मनीस अितल्या पांवडयार करता. कॉलेजिनी जावपी अुरिल्लो युनिव्हर्सिटी शिक्षणाचो विचार तो व्हडलोसो करीना. होय खरें म्हळ्यार विचार करपासारखो विशय आसा हें कळ्ळ्यार बरें.

आतां अुच्च माध्यमिक मेरेन शिक्षणाचो विचार जातना आमकां अेका प्रस्नान सदांच सतायल्यात. हो प्रस्न म्हळ्यार शिक्षणाचें माध्यम. शिक्षण दितलो आनी घेतलो जाल्यार खंयचीय तरी भास अुपकारावची पडटा. ही माध्यमाची भास खंयचीय आसची हाजेर आज गेल्लीं वीस–बावीस वर्सां घोळ जाला आनी अजून अेका घट अशा मतार आमी येवंक नात.

हो प्रस्न आमकां कित्याक सतायता ? आनी जें कितें आज चलता तातूंत आमी धादोशी कित्याक नात ?

माध्यमाचो विचार जातना आमचें काळीज आनी मन निर्मळ आसचें पडटलें. 'शुद्ध बिजापोटीं / फळें रसाळ गोमटी' अशें संतवचन आसा. आनी म्हणून आमचो हे विशीं विचार जातना तो शुद्ध मनान जावचो पडटलो, जावप गरजेचो.

आनी तसो तो जातलो जाल्यार आमकां आमचो फाटलो अितिहास जाणा जावचो पडटलो. तो आमी पायरे पायरेन थोडे भितर पळोवया.

१ डिसेंबर १९६१ त गोंय मुक्त जावन तें स्वतंत्र भारतांत विलीन जातकच १९६२–६३ ह्या शिक्षणिक वर्सांच्यान गोंयांत शिक्षणाक अेक नवी दिशा मेळ्ळी. गोंय मुक्त जावचेपयलीं गोंयांत खाजगी मुळाव्यो शाळा मराठींतल्यान चलताल्यो. मोटया कश्टांनी चलयल्यो ह्यो शाळा सरकारान आपले सुवादीन घेवच्यो आनी हें शिक्षण सरकारी जावचें अशी खर मागणी जाल्या अुपरान्त ह्या शाळा सरकारान घेतल्यो. मुळाव्या शिक्षणाची जापसालदारकी सरकाराची जाल्ल्यान अशें करप सरकाराक प्राप्त जालें आनी तें सरकारान केलें. अितलेच न्हय तर अुपरान्त जशीं जशीं वर्सा वचूंक लागलीं तशो तशो आनिक सरकारी शाळा मराठी माध्यमांतल्या सुरू जाल्यो.

डिसेंबर १९६१ पयलीं सरकारी मुळावें शिक्षण पोर्तुगेज माध्यमांतल्यान जातालें. पोर्तुगेज गेल्या अुपरान्त ती भास अुलोवप लोक जरी आशिल्ले तरीय ते भाशेंतल्यान शिकून फुडार काळ्ळांत बुडटलो अशें स्पश्ट दिशिल्ल्यान त्या तमाम लोकांनी आपल्या भुरग्यांक अिंग्लीश माध्यमांतल्यान शिक्षण मेळचें म्हुण प्रयत्न केले आनी अशें शिक्षण तांकां मेळूंक लागलें.

अशा वेळार गोंयच्या भुरग्यांची **अुलोवपाची भास** कोंकणी जाल्ल्यान हे भाशेंतल्यान तांकां शिक्षण मेळूंक जाय म्हणपाचो विचार फुडें सल्लो आनी हाका लागून घोळ सुरू जालो.

पुण घोळ कित्याक जावचो ? भुरगीं कोंकणी भास अुलयनात अुलयतात. मागीर भुरग्यांचेच भाशेंतल्यान भुरग्यांचें शिक्षण कित्याक नाका ?

परतेय अितिहासांत या.

२. गोंयांत पोर्तुगेज १ १० त आयले. १२ ० त पोर्तुगालांत राजेशाही सोपून प्रजासत्ताक आयलें. हीं अेकंदर चारशें वर्सां म्हळ्यार गोंयची अेक व्हड काळखी रात. पोर्तुगेज गोंयांत आयले तेन्ना तांचे बरोबर धर्मकोल्लूय आयलें. ह्या धर्मकोल्लाक लागून बळफोर्सान बाटाबाटी जाली. ती जातना अत्याचार शिमेभायर जाले. अशा वेळार पोर्तुगेजांनी हाताशिल्ल्या तिसवाडी, साश्ट आनी बार्देश हांगासल्ले जायते हिंदू तो मेरेन पोर्तुगेज पावंक नाशिल्ल्या अशा सौंदेकारांच्या राज्यांत म्हळ्यार अंत्रुजेंत गेले. जायते जाय गोंया भायरे जाले. बाटून किरिस्तांव जाल्ल्या लोकांचेरुय मुखार अत्याचार वाडत गेले तशें जायते मंगळूर प्रांतांत वचून रावले. अशें हें चलतनाच बाटिल्या लोकांतल्या वयल्या थरांवयल्या लोकांचेर पोर्तुगेज अुलोवक जाय आनी वापरूंक जाय म्हणून तरेकवार दडपणां आशिल्यान आनी अत्याचार जाल्यान जायते घराबे घरांत

पोर्तुगेज अुलोवंक लागले. आनी करतां करतां पोर्तुगेज हीच तांची आवयभास जाली. पुण किरिस्तांव भौस कोंकणींतूच आपले व्हेव्हार करूंक लागला.

धर्मकोल्लाक लागून त्रासून चिडून गेल्ल्या हिंदूनी आपलें हिंदुत्व राखपाखातीर मराठी लागी केली. मराठींत संतवाङ्मय आनी धार्मिक ग्रंथ आशिल्यान तेच भाशेन ते सोपेपणान समजल्यान, ही भास शिकलेबगर आपलें हिंदुत्व बाळगूंक मेळचें ना आनी पोर्तुगेजांचे राजवटींत आपलें अशें खाशेलेंपण राखून दवरपाक जड जातलें ह्या म्हत्वाच्या कारणाक लागून हिंदूनी मराठीक आपलेंच आंग कशी करून घेतली. त्या चारशें वर्सांचो अितिहासूच अशे तरेचो घडलो कि हिंदूंक मराठीकडेन नातें जोडून आपली राखण करप हो अेकूच पर्याय अुरिल्लो.

पोर्तुगालांत राजेशाही वचून प्रजासत्ताक यो मेरेन गोंयांत गोंयकार हिंदू हो आसून नासून सारकोच आशिल्लो. ताच्या बऱ्या-वायटाची चिंता पोर्तुगेजांक व्हडलीशी केन्ना जाली ना. तोंमेरेन पोर्तुगेज आनी ते सांगतात तशें वयल्या थरांतले किरिस्तांव गोंयचें राज चलयताले. पुण प्रजासत्ताक जातकच हिंदुंकूय सरकार दरबारांत नोकऱ्यो मेळूंक लागल्यो आनी हाताच्या बोटांर मेजपा अितले लोक अुपरान्त सरकारी खात्यांनी साधारण जाग्यांर पावंक लागले अशे तरेन अेक काळेंकुट्ट भयांकृत अशें काळपर्व सोंपलें. आनी जशीं जशीं वर्सां वचूंक लागलीं. तशीं तशी चड करून १९५४ अुपरान्त अशा हिंदूंचीं संख्या वाडूंक लागली.

पुण हें सगळें घडटना, प्रजासत्ताका पयली आनी अुपरांत शिक्षण कशें कितें चलतालें ?

३. गोंयांत पोर्तुगेज येतकच सगळ्यांत पयली गजाल जाली ती म्हळ्यार जें जें कितें बरयल्लें आशिल्लें तें सगळें लासून अुडयलें. आनी अुपरांत वेगवेगळ्या किरिस्तांव धार्मिक पिठांनी आपल्यो कॉलेजी अुबारल्यो. थंय फकत पाद्रीपणाचें शिक्षण जातालें. अुपरांत वेगळ्या वेगळ्या अिगर्जांक तेंकून शाळा तयार केल्यो. आनी बऱ्याच अुपरान्त सरकारान आपल्यो शाळा केल्यो. हें सगळें शिक्षण पोर्तुगेज माध्यमांतल्यान किरिस्तांवाखातीर जातालें. ह्याच वेळार वयल्या थरांतले हिंदू आपल्या घरांनी शाळा करून भुरग्यांक मराठी शिक्षण दिताले. पोर्तुगेज भाशेतल्यान दिल्लें शिक्षण ळामेरेंन पावना म्हणपाचें अधिकाऱ्याक दिसलें तेन्ना लोकांचे भाशेतल्यान म्हळ्यार कोंकणींतल्यान तें जावचें असो विचार कांय फावट जालो. हिंदु मराठी शिकिल्यान चड प्रमाणांत शिकूंक पावतात म्हणपाचें अधिकाऱ्यांक समजलें तेन्ना कोंकणींतल्यान शिक्षण जावचें म्हणून कांय प्रयत्न जाले. पुण ते फळाक आयलेनात.

अदीं मदीं येवन वचपी ह्या विचाराक गोंयकार हिंदूनी केन्नाच अुखलून धल्लोना. तांकां तो कसो पसंत पडता ? अुज्यांत-ल्यान आयिल्लें लोक जें कितें हाताक मेळ्ळा तेंच सांबाळून दवरतले. ते बदल कसो करतले ? मुखार घातपात जालो जाल्यार ? जे जें कितें पोर्तुगेजांकडल्यान वा गोंयकार किरिस्तांवांकडल्यान तमाम गोंयकारांच्या हिताचें आसतलें, त्या सगळ्याकडेन गोंयकार हिंदू दुभावानूच पळयताले. कोंकणीविशींय तशे ताणीं पळयले जाल्यार अजाप ते कसले ?

म्हणून गोंयकार हिंदू घरांदारांत कोंकणीं अुलयलो तरीय ती आपली भास न्हय, मराठी ही आपली भास आनी कोंकणी ही तिची बोली अशेंच म्हणूंक लागलो, हे ताजे म्हणणेन ताणे आपलें भोंवतणी गडगंज अशें कोट तयार करून आपल्याक राखून दवल्लो. मराठी ही आपली 'मातृभाशा' तो ह्याच खातीर म्हणटा.

आनी जेन्ना १९१० त ताका स्वास घेवपाक अुसंत मेळ्ळी तेन्ना मोटच्या कश्टांनी ताणें संस्था अुबारून तांचे वटयां शाळा अुबारून हिंदू भुरग्यांक मराठी शिक्षण चड प्रमाणांत मेळवें म्हणून तांकत तितले प्रयत्न केले. ते काळेकुट्ट राजवटीतल्या ह्या आत्म-प्रकाशी प्रयत्नांचो अितिहासाक नोंद घेवचीच पडटली. मराठी विशींचें गोंयकार हिंदूचें हें नातें पळोवन पोर्तुगेजान अुपरान्त हाताशिल्या तालुक्यांनी (पोन्न्यो काबिजादी) कांय पोर्तुगेज-मराठी सरकारी शाळा अुकत्यो केल्यो.

अशे तरेन मराठी शिक्षणाचें मुळावण गोंयांत पडलें.

पोर्तुगेज सरकारी शाळांनी शिक्षण जातालें खरें पुण तातूंत शिकून आयिल्या भुरग्यांक, पोर्तुगेज मुळावें शिक्षण घेतल्या अुपरान्त लोक (हिंदू तशेच किरिस्तांव) माध्यमिक शिक्षण अिंग्रेजीतल्यान घेवंक लागले आनीं गोंयाभायर 'अिंग्रजी' अिलाख्यांनी वचून नोकऱ्यो करून आपलें पोट भरूंक लागले.

अशे तरेन अिंग्लीश भाशेच्या शिक्षणाचेंय मुळावण गोंयांत जालें.


तुमच्या भुरग्यांच्या वाढदिसानिमतान
भुरग्यांक भेटयात

बालगीतांच्यो कॅसेटी –

१) **गोंयची बालगीतां,** नाचगीतां, खेळगीतां (भाग–१)

२) **कोंकणी बालगीतां**

कॅसेटीखातीर
बरयात वा भेटात -

**बालगीत निकेतन**
**बेती, बार्देश,**
**गोंय ४०३ १०१**

आतां :

डिसेंबर १९६१ त गोंय मुक्त जातकच गोंयच्या अितिहासाचें अेक नवें पर्व सुरू जालें. १९६१ पयलीचो अितिहास गोंयकारांनी आपणें घडोवंक नासलो. जो अितिहास घडटालो ताजे बरेवायट परिणाम तांकां भोगचे पडटाले.

पुण आतां पयलेच फावट अितिहास घडोवपाचो योग तांकां मेळळा. तो ताणी घडोवप गरजेचें.

अितिहास घडोवप म्हळचार कितें करप ?

गोंय मेकळें जाल्या अुपरान्त तें महाराष्ट्राक दसोवचें ( वयर सांगला. त्या कारणाक लागून ) म्हणपाच्या विचाराचे सरकार सत्तेर आयलें. पुण गोंयकारांच्या बऱ्या नशिबान ह्या विशयाचेर सार्वमत जावन तें दसोवचें न्हय म्हणपाचें जालें आनी आतां तें केंद्रशासित अुल्लां. म्हाजो मुखावयलो पांवडो म्हळचार राज. गोंय महाराष्ट्राक दसयल्लें जाल्यार परतोय अेकदां ताजो अितिहास दुसरेच घडयतलें आशिल्ले. गोंयकार न्हय. पुण आतां तांकां जाय जावं वा नाका जावं तांकांच तो घडोवचो पडटलो.

गोंयकारांचें बरें वायट **गोंयकारांनीच** थारावचें पडटलें. आपलो अितिहास घडोवपाची संद गोंयकारांक अितिहासांत अशी पयलेच फावट मेळटा. आनी म्हाका दिसता तांणी ती होगडायची न्हय.

अितिहास घडोवपाच्या ह्या वावरांत शिक्षण म्हळचार बुन्याद. आनी म्हणून ह्या विशयाकडेन आमी गंभीरपणान पळोवंक जाय. खंयच्याय राज्याक वा राष्ट्राक शिक्षणाकडेन खेळ करप परवडपाचें ना. तशेंच तें गोंयकारांकूय परवडपाचें ना.

आयज आमचें शिक्षण कशें चलता ?

भारतांत कितल्योच भासो अुलोवपी लोक आशिल्ल्यान अेक मध्य साधपाखातीर तीनभाशी पर्याय केंद्र सरकारान मानून घेतला आनी आयज हें तीन भाशी सुत्रांत बांदिल्लें. शिक्षण सगळेकडेन चलता. तशेंच तें गोंयांत चलता.

तीन भाशी सूत्र म्हळचार कितें ?

१. भुरग्याचें शिक्षण ताजे भाशेंतल्यान जावपाखातीर ताजी जी भास ती **पयली भास**–हीच भास शिक्षणाचें माध्यम जाता आनी तातूंतल्यान भुरगें आपलें शिक्षण जोडटा.

२. भुरग्याक राष्ट्रीय भास येवंक जाय म्हणून **हिंदी ही दुसरी भास**

३. भुरग्याक दुसरी खंयचीय देशी भास वा अिंग्लीश येवची म्हणून ही **तिसरी भास** ( तांतून अिंग्लीश भाशेची वचत थंय गरज आशिल्ल्यान तीव तिसरी भास जाल्या.)

हें सूत्र पयली ते बारावी मेरेन लागू जाता. ( मुळाव्या पांवड्यार भुरग्याचीच भास पयलीं दोन वरसां आनी अुरिल्ल्या दोन वर्सांत म्हळचार तिसरी आनी चवथी ह्या वर्सांनी हिंदी ही राष्ट्रीय भासांचो अभ्यास चलता. अुच्च माध्यमिक पांवड्यार माध्यमाची भास आनी दुसरी खंयचीय भास शिकूंक मेळता.

अशें हें सूत्र गोंयांतूय लागू जालें तेन्ना गोंयकारांनी विचार केलो ?

अ) हिंदू : १. आयज मेरेन मुळावें शिक्षण मराठीतल जालां तशेंच तें मुखार जावंक जाय म्हणून मर हीच पयली भास.

२. पुण पोर्तुगेजांचे मुस्तींत चड करून वयल्यो यत्ता शिकल्या अुपरान्त मागीर पोर्तुगेज तीन वरसां आनी / वा अुपरान्त अिंग्लीश पायरे पायरेन शिक्षण चलतालें. म्हणटकच तरेचे शिक्षण आतां मोटच्या हक्कान जाय.

आतां,

पयलीं चार वर्सां **मराठींतल्यान** ( **मराठीं**–पयली भास

अुपरान्तलीं वर्सां **अिंग्लिशींतल्यान** (**अिंग्लिश** पयली भा

आ, किरिस्तांव :

१. आयज मेरेन मुळावें शिक्षण पोर्तुगेजींत जालें.

२. अुपरांत कांय जाणांचें मुखावयलें शिक्षण पो जींतल्यान जालें. कांय जाणांचे अिंग्लिशींतल जालें.

आतां :

पोर्तुगेजींच्या जाग्यार पयलीं चार **अिंग्लिशींतल्या**–अिंग्लिश पयली भास.

अुपरान्तयचींय वरसां **अिंग्लिशींतल्यान**–अिंग्लि पयली भास.

म्हणजेच १–१० मेरेन आनी मुखार **अिंग्लिश** शिक्षणाचें माध्यम जालें.

आयज गोंयांत माध्यमाचो घाट हो असो आसा. कांय आं पळयले जाल्यार ह्या शिक्षणाची कल्पना येवं येता.

| १९७९ पयली | | १९८३ पांचवी | |
|---|---|---|---|
| अिंग्लिश | मराठी | अिंग्लिश | मराठी |
| ५४४६ | २५,२८३ | २७,९ ९ | १,०८७ |



१९८३-८४

| (१-४) | | (५-१०) | |
|---|---|---|---|
| राठी | अिंग्लीश | मराठी | अिंग्लीश |
| २,४० | ४४,०६० | ५,००३ | १,२१,८३२ |




ह्या आंकड्यांवयल्यान तमाम गोंयकारांक अिंग्लिशींतल्यान प्राथमिक शिक्षण जावचें अशें दिसता म्हणपाचे कळटा.

कित्याक अशें दिसचे ?

मराठी माध्यमांतल्यान पयल्यो चार यत्ता शिकिल्लीं भुरगीं अितल्या मोठ्या प्रमाणात आपलें माध्यम **पांचवे** यत्तेपासून कित्याक बदलतात ? मराठीतल्यानूच **धावी** मेरेन ती कित्याक शिकनात ?

आनी आयज जायतेकडेन पयल्यो चार यत्ताय अिंग्लिशींत-ल्यान शिकोवचें अशें हिंन्दू पालकांक कित्याक दिसता.

ह्याय प्रस्नाची जाप मेळपाक आमकां परतोय अितिहास पळोवचो पडटलो.

पोर्तुगेजांच्या खाला आशिल्यान गोंयकारांमुखार फकत अेकूच प्रस्न आसलो : **पोट भरप.** हें पोट भरपाचें काम लोक वेगळे वेगळे व्यवसाय वा नोकऱ्यो करून करताले. **शिकल्याबगर नोकऱ्यो मेळनात तेन्ना नोकऱ्यो मेळूंक जाय म्हणून शिक्षण घेवचें पडटाले.**

**शिक्षणाचें लागीचें ध्येय नोकरी हेंच जालें.**

हेंच ध्येय आयजूय गोंयकारांच्या मुखार आसा.

शिकून नोकरी करप हेच ध्येय आशिल्यान आनी भोंवतणची परिस्थिती पळयत जाल्यार अिंग्लिश शिकिल्ल्यांकूच नोकऱ्यो मेळ-तात अशें दिशिल्ल्यान दर अेक आवय बापूय आपल्या भुरग्याचे शिक्षण अिंग्लिशींतल्यान जावचें म्हणून प्रयत्न करता.

अशा त्या शिक्षणाचें चित्र पळोवया.

| १. | वर्स | यत्ता | भुरग्यांचो आंकडो | गळटी |
|---|---|---|---|---|
| | १९७२ – | पयली | ४४,८७८ | |
| | १९७८ – | सातवी | १७,३२४ | ६१% |
| | १९८१ – | धावी | ९,७५७ | ७८% |
| | १९८३ – | बारावी | ३,४९९ | |
| | | ( परिक्षेक बसली ) | | |
| | | बारावी पास | १,८८२ | |

तंत्रीक कोर्सांक कांय भुरगीं गेलीं जाल्यार बारावी पास जाल्या अुपरान्त कितल्या भुरग्यांक नोकऱ्यो मेळटल्यो हाजो विचार वाचप्यांनी अवश्य करचो.

| २. | वर्स | यत्ता | भुरग्यांचो आंकडो | गळटी |
|---|---|---|---|---|
| | १९७४ | पयली | ३६,२५३ | |
| | १९८३ | धावी | ११,९३४ | ६७% |

पास जावपाचे प्रमाण लक्षांत घेतल्यार १९८५ ह्या वर्सा फकत ९% भुरगीं बारावी पास जातलीं.

म्हणजेच दर १०० भुरग्यां फाटल्यान फकत ९ भुरगी बारावी पास जावं येतात आनी अेकंदर नोकरेंत सामावन घेवपाची लक्षणां पळयत जाल्यार ह्या २% भुरग्यांतल्या कितल्या भुरग्यांक नोकऱ्यो मेळटल्यो ते वाचप्यांनी अवश्य थारावचे.

अ जागो मेळोवपाखातीर कितलीं जाणां खस्ती खातात आनी निमाणेकडेन त्या जाग्यार कितलीं भुरगीं पावतात आनी पावल्यारूय तांका नोकरेची शाश्वती आसा काय किते हाचो अेक अदमास येवचो म्हणून हो ग्राफ दिला. (पान ९ पळयात )

हें अितलेंय विवेचन करपाचे कारण म्हळ्यार **नोकरी मेळपा-खातीर शिक्षण** हें आयजचें ध्येय आनी **नोकरी दिवपाखातीर शिक्षण हो सिद्धांत** हीं दोनूय फट आसात म्हणून कळचें.

ह्या आदीं हांवें सांगलां, पोर्तुगेजांचें मुस्तींत गोंयकारांचो प्रश्न फकत पोट भरपाचो आसलो. आतां गोंयकारांची प्रस्न **फकत पोट भरपाचोच आसूं नजं. पोट भरचेंच पडटलें. पुण तेच बरोबर गोंयचें राज तांकां करचें पडटलें.** ( पोर्तुगेजांचे मुस्तींत हो वावर पोर्तुगेज करताले ) **आनी हें राज करता आसतना सगळ्यांत मोटी जाण आसची पडटली ती म्हळ्यार गोंय फुडल्या पिळग्यांक राखून दवरचें.**




आनी म्हणून गोंयकारांनी गंभीरपणान हाजेर विचार करचो पडटलो.

**गोंय फुडल्या पिळग्यांखातीर राखून कशें दवरप ?**

हाजो दिश्टावो जायत्या वर्सांपयलीं शर्णै गोंयबाब ह्या म्हापुरसाक जालो. पुण गोंयांत ताजी रूजवण खऱ्या अर्थान १९६२ त जाली. गोंयकारांन कोंकणी शिकूंक जाय, तांणी आपले वेव्हार कोंकणीतल्यान करूंक जाय आनी गोंय हो सगळ्या अर्थान कोंकणी प्रदेश जावंक जाय. जाल्यारूच गोंयकारांक गोंयांत गोंयकार म्हणून रावंक मेळटलें. नाजाल्यार वेगळ्या वेगळ्या कामांक लागून गोंयांत आयिल्ल्या लोकांच्या हुंवारांत ते बुडून वतले.

कोंकणी ही दोनूय मुखेल समाजांची भास. तांच्यो संस्कृतायेच्यो वाठाराच्यो दुसरो भासो आसात. ह्या दुसऱ्या भासांची गरज खूब खूब आसली जाल्यारूय आपली अेकचाराची आनी व्हडपणाची भास तांणी घट्ट वेंगावन रावचें पडटलें.

ह्या विचाराचो रुजवण १९६२ त गोंयांत जाली तेन्ना कोंकणी शिक्षण आनी साहित्य ह्या दोनूय मळांवेर काम सुरू जालें. आयज बावीस वरसां अुपरान्त ह्या वाबराचें फळ कित्रं आमकां किं दिसता ?

साहित्य जायत आसा बऱ्या पांवडचावलें जाता. साहित्य अकादमीत कोंकणीक मान्यताय दिल्या. ही भास आयज अेक ऐच्छिक विशय म्हणून शाळांनी शिकयतात आनी ती बी. ए. मेरेन पावल्या. बॉम्बे युनिव्हर्सिटीन तिजेखातीर डिपार्टमेंट अुगडपाचो केला. हे भाशेंत कोश आनी व्याकरण अशी पुस्तकां जाल्यांत आनी जातात आनी शाळांत तिकोवपाखातीर क्रमिक पुस्तकांय बी जातात.

ह्या बावीस वरसांत हें अितलें घडलां. आनी कोंकणीचो अितिहास पळयल्यार हो वावर थोडो न्हय.

पुण पयली भास म्हणून शिक्षणांत तिका सुवात आजून मेळना. ह्या खातीर कोंकणीच्या वावराड्यांक आत्मसंशोधन करचें पडटलें.

कोंकणी, शिक्षणाचें माध्यम म्हणून सुरवातीक कांय जाणांन घेतिल्लें. पुण अुपरान्त कोंकणीकडेन पळोवपाची नदर दुसरे तरेची जाली आनी लोकांनी कोंकणीक सोडून दिली. हाजें कारण कितें ?

हांगा मराठी आनी अिंग्लीश ह्या दोनूय माध्यमांची मुळावर घट्ट कशीं जालीं तें हांवें हे पयलींच सांगलां. कोंकणीचो दिश्टावो जाल्ल्या लोकांक हाजी जाण आसूंक आसली. कोंकणीकडेन पळोवपाची हिंदूंची नदर आनी किरिस्तांवाची नदर समजून घेवन त्याप्रमाण आपली पावलां तांणी अुखलूंक जाय आसलीं. ' मराठीच्या भुरग्यांक शिकयात ' वा ' अिंग्लिशींत शिकयात ' अशें कोणाक सांगचें पडलें ना. पुण ' कोंकणींतल्यान तुमी तुमच्या भुरग्यांक शिकयात ' अशें तांणीं कित्याक सांगलें ? कित्याक सांगचें पडलें ?

आनी अशें सांगपी ते कोण ? अशें सांगपाचो अधिकार तांकां कोणें केन्ना दिलो ? तांणी तो आपल्याकडेन कसो घेतलो ?

हाजेर त्रिके विचार जावप बरो.

तांकां कोंकणीचो जो दिश्टावो जालो तो अुमेदीभरशीं लोकांच्या मेरेन पावोवपाखातीर तशें ते सांगत सुटले. आनी थंयच ते फसले. आपणाक जें कळ्ळां तें लोकांक कळटलेंच ह्या भावार्थान ते रावले. पुण तशें जालें ना.

अितिहासांतल्यो देखी आमकां जायतें सांगतात. तातूंतल्यान आमी शाणे जावंक जाय.

' लोकां सांगे ब्रह्मज्ञान / आपण कोरडे पाषाण ' अशी गत जाली जाल्यार खरें आसुनूय कोण आयकतलो ? आनी आयकलेंय जाल्यार विस्वास कोण दवरतलो ?

' आधिं केलें / मग सांगितलें ' ' बोले तैसा चाले / त्याची वंदिन पाउलें ' अशीं संतवचनां आसात. ह्या संतवचनांचो भावार्थ म्हळ्यार ' पयलीं करप मागीर सांगप.' ' कोंकणींतल्यान शिकात ' म्हणून सांगचे पयलीं अशें शिक्षण तयार करूंक जाय आसलें. आपल्यो शाळा अुगल्यो करून कोंकणी शिक्षण दिवपावें काम जावंक जाय आसलें. हीच गजाल आमचे कडल्यान जाली ना. सरकाराक दोश दिलो म्हणून आपली जापसालदारकी चुकना हें विसरचें न्हय. आपलें पातक दुसऱ्यांवेर थापूंक सोयें. आपल्यावेर घेवंक कठीण.

आमी आमच्यो कोंकणी शाळा कित्याक अुगडल्यो नात ? आमची जाप कितें ? दर अेकल्यान हाजेर जरूर विचार करचो. असो विचार करतना अशो शाळा अुगडपाक आमच्यांतल्या दर अेकल्याक आकांताचो त्याग करचो पडटलो. म्हणपाचें आमकां कळटलें. 'आधीं हाताले चटके. तेव्हा मिळते भाकर' अशें ब्रह्मिणाब्रायन म्हळां. आमकां सगळ्यांक 'भाकर' जाय पुण 'भाकर' मेळूंक 'चटके' घेवचे पडटले. आनी ते सोंसपाची तांक आमच्यांत आमची पडटली. हें आमी विसल्यात. आमची आवय, बायल, धूव भयण कोणूय तरी हे 'चटके' सोंसता म्हणून आमकां 'भाकर' मेळटा. कोंकणीची 'भाकर' मेळची म्हणून कोणे 'चटके' सोंसचे ? असो प्रस्न पडटा तेन्ना ताजी जाप सामकी सरळ दिसता. जाका कोंकणीचो दिश्टावो जाला तांणीच ते सोंसचे पडटले. ना जाल्यार 'बोलाचीच कढी बोलाचाचि भात अशेंच जालें.

येशू ख्रिस्त आपल्या शिश्यांक आपुग देव हाडामासाचे कुडीन आयलां म्हणपाचें सांगतालो. हे ताजे सांगणेर तोमाश नांवाच्या शिश्याचो विस्वास बसनासलो. ताणे येशूक सांगलें, 'म्हाका दुभाव दिसता.' तेन्ना येशून ताका म्हळें 'हांव हो संवसार सोडून वतकत तुका तें दिसतलें आनी तुका दुभाव अुरचो ना.' हातूंतल्या दिसप ह्या अुतराक खूब म्हत्व आसा. 'दिसप' म्हळ्यार 'कळून येवप' ह्या अर्थात न्हय. 'दिसप' म्हळ्यार 'दोळ्यांनी दिसप.' दोळ्यांनी दिसल्याबगर खरें कशें म्हणू येना ?

तेन्ना कोंकणी शिकतत्र भुरग्याचें कितें हें 'दिसून' येवंक जाय. आनी ही गजाल फकत शाळा अुगडूनूत जावं येता. काणयो आनी तत्वज्ञानां सांगून न्हय.

## ह्या मुखार कितें ?

जो मेरेन 'चटके' खावपाची आमची तयारी जायना तों मेरेन 'तुमच्या भुरग्यांक कोंकणी शिकयात' म्हणून सांगपाचें मानगडीत आमी पडचें न्हय. कोंकणी ऐच्छिक विशय म्हणून जें शिक्षण चलता तें आमचे तांकीप्रमाण घट करपाचें काम जावचें. ह्या शिक्षणाक फाव तसली पुस्तकां, आलायत्या वाचनाखातीर पुस्तकां, कोंकणी विशय शिकयतल्यांक वेगळ्या वेगळ्या पांवड्याचेर चर्चासत्रां, शिबिरां, अशें सगळें तयार करचें पडटलें. कोंकणी शिकपी भुरग्याच्या आवय बापांयक मेळप, तांचे विचार समजून घेवप, ज्या शाळांनी ही भास ऐच्छिक म्हणून आजून लावंक ना थंय कसल्यो आडखळी आसात तें जाणा जावन घेवप अशी तोंमरेन जावप गरजचीं.

कोंकणी ही गोंय प्रदेशाची प्रदेशिक भास आनी मराठी, इंग्लिश, पोर्तुगेज ह्यो त्या त्या लोकांच्यो सांस्कृतिक भासो आनी म्हणून गोंय सरकाराचें सगळें काम कोंकणींत जावचें आनी कोंकणी शिकिल्यांकूच गोंयांत सरकारी/बिनसरकारी नोकऱ्यांत पयलो पाट फाव जावचो असो आगरो धरचो. ह्या आगऱ्याक लागून खंयच्याच गोंयकाराचें नुकसान जावचें ना. ह्या आगऱ्यान मुखावयल्या पिळ-ग्यांची राखण जावंक पावतली आनी ह्यो पिळग्यो आमकां अर्गी दितल्यो. नाजाल्यार फुडार पारखंक जमलोना म्हणून ह्यो पिळग्यो आमकां दूषण दितल्यो आनी आपल्याच प्रदेशांत परकी जावंक पाविल्या ह्या पिळग्यांच्या तळतळाटाचे आमी धनी जातले. ह्या पातकांतल्यान आमी आमकां वाटावंक जाय आनी म्हणून जांका कोंकणीचो दिश्टावो जाला तांणी कोंकणी शिक्षण घडून येवचें म्हणून तांकत तितले यत्न करीत रावंक जाय.

मराठीतल्यान चवथीमेरेन शिकल्या अुपरान्त पांचवेक अिंग्लीश माध्यमांतल्यान शिक्षण घेवपाखातीर भुरगीं बतात हें आमी आदीं पळयलांच. चवथी मेरेन मराठी तीं कित्याक शिकतात तेंय आमी पळयलां. कोंकणींत शिक्षण घेतल्यार गोंयकार हिंदूचें हिंदुपण बुडटलें काय कितें हाजो गोंयकार हिंदूनी अुगत्या मनान विचार करपाचो वेळ जरूर आयला. आपलीं धर्मिक पुस्तकां कोंकणींत रचून ह्या धर्माची जाण आपले फुलते पिळगेक आपल्या हातान निर्मिल्ले बुन्यादीचेर घट बरी करून दिवप गरजेचें काय कितें तेंय तांणी येवजुपाचो वेळ आयला. किरिस्तांव गोंयकारानी ह्या आदींच अशीं पुस्तकां कोंकणींत रवल्यांत हाजो विसर पडचो न्हय.

ज्या कारणांक लागून मराठी लागीं केली ती कारणां आतां अुरूंक नात. आतां पुरुषार्थाचो काळ आयला. फुडार पारखुपाचो आनी घडोवपाचो काळ आमलां. निर्मळ, अुकत्या मनान म्हणुनूच विचार करून पावलां वालपाचो वेळ आयला. ज्या काळ्याकुट्ट काळखंडांत आपलें नीज राखून दवरपाखातीर तांणी जें सोंसलें आनी भोगलें तें आतांच्या अुजवाडांत पारखून पळोवचें आनी आपले भाशेंत आपलो पुरुषार्थ घडोवचो. तातूंनच तांचें आनी सगळ्यांचें बरेंपण आसा.

(कोंकणी वर्सुकी अंक १९८४-८५)

— ❀ —

### पांचवे सावन फुडलो अभ्यासक्रम सुदारपाक जाय

नामनेचे शिक्षणतज्ञ भौ. सुरेश ज. बोरकार हाणी आमचेकडे उलयताना सांगलें, 'कोंकणी भाशेतल्यान मुळावें शिक्षण भुरगी बरेतरेन शिकतली हातूंत दुबावूच ना आनी ते विशी चिन्ता करपाचें कारणूय ना पूण पांचवे यत्ते फुडलो अभ्यासक्रम जो आतां इंग्लेज भाशेतल्यान आसा तो सुदारपाक जाय आनी हे गजालाकडे कोणूच लक्ष दिना. पांचवे यत्तेतल्या भुरग्यांक वा त्या फुडल्या वर्गांतल्या भुरग्यांक जाय तशी पुस्तकां तयार करपाक जाय.'

(संपादकांकडल्यान)

# भौजन समाजाचींय भुरगीं फुलूं-परमळूं जाय

— रवींद्र नमशीकार

१. मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम आवयभास हो शिक्षणतज्ञानी मानून घेतिल्लो ससारिक सिद्धांत. पूण ह्या सिद्धांताकडेन काडिमोड घेतिल्ले भारत सोडून दुसरें खंयचेच राष्ट्र आसचें ना.

३. जेन्ना भारत गुलाम आशिल्लो तेन्ना महर्षी दयानंद, महात्मा गांधी सारख्या फुडाऱ्यांची स्वभाशेविशींवीं उतरां भौसाक उर्वा हाडी तेंन्नां अशें दिस, भारत गुलामगिरींतल्यान मुक्त जाल्याबराबर भाशेची गुलामीय संपतली. गांधीजींच्या मताप्रमाण भाशावार प्रांतरचना जावन त्या त्या प्रदेशांत प्रादेशिक भाशाच सावार कामकाजाची भाशा जावपाची. ताणीं खंय म्हणिलें स्वातंत्र्याच्या स म्हयन्या उपरांत संसदेंत जांव विधानसभेंत खंयचोय वांगडी जर इंग्लीश उलयत जाल्यार आपूण ताका अटक करूंक लायतलों. आयज गांधीजी आसता जाल्यार तांचेर ही पाळी खिणा खिणाक येवपाची. स म्हयने जावचे पैलीच गांधीजीक मुक्ती मेयळी तें एक बरें जालें. नाजाल्यार एक सोडून दोन गुणे आपल्या हड्डचार घेवन तें वचपाचे एक फाळणीचो आनी दुसरी इंग्रजी राज्याभिशेकाचो. गोडसेच्यो गुळयो आयज थंड पडल्यात पूण गांधीजींच्या परमप्रिय सरकार पक्षीय खादीधारी शिष्यांनी घट्ट वेंगावन दवरलेले हे कोटी कोटी गरिब, दुबळे-पिडेस्त भारतीय समाजाची जीण कापी आसात.

आपली भास, आवयच्या दुधावांगडा रगतान भरसली भा घरान-दारान, खळार-मळार, पावला कगकणी कानार आदळ भास तीच आवयभास, तीच समाजभास, तीच संपर्कभाष- विस्कट यल्या बगर कळपी, गूढ अर्थ आपले आपूण समजून घेवंक तकेचालना दिवपी, शिटुकसाणीक शेगमाती सारे घालपी ही भ शिक्षणाक पुष्टीक हें कोणाक सांगपाची गरज ना. पूण बळयां नि संवंग घेतिल्या आनी काळखांत झळपेनल्या सरकारान आनी आद नाश ओडून घेवपी समाजाक कोण किदें करतलो ?

विस्वण, सान्न, घयरांव दिवली ह्या संवकळीच्या उन जाग्यार मुळाव्या शाळेंन सुरमय, झाडू, कोळीष्टक, समई ज किंगफिश, ब्रूम, कोबवेब, लॅम्प ही उतरां वापरली जाल्यार जिन दाखवन तांचो अर्थ सांगचो पडटा. ही उतरावळ तकलेंन दवड पाट करची आसता देखून विशय समजून घेवचे बदला धोकंप करून शिकप पेडुर जाता. हें आमी शिक्षक दीसपट्टे अगभवता अर्थात कांय विशिश्ट भुरगीं हाका आडवाद आसतात.

शिक्षग हें कोणाखातीर किदयाखातीर आनी ताजी आंख कोणे थारावपाची हें जर समजून घेत जाल्यार असल्या आडवाद थारो उरूं नये.

गोंय मेकळें जावंचे पैलीं जर पुर्तुगेज भास आनी पुर्तु माध्यम नाका म्हणिलें जाल्यार पोटाचो प्रश्न फुडें करून येंब्रेगा प्रोफसोर तांका विरोध करपाचे. कारण सरकार. पूण पोर्तुगेज म कार १९ देजेंब्राक देवलेबराबर वीस तारखेर रातयांत भौसाच गोमटेर इंग्लेज आनी मराटी बसलीं कारण सरकार. साडेचार वर्सांची पुर्तुगेज भास आंगोस्तर सोडचें तशें अवळप सोडून पुर्तु प्रोफसोर चोवीस वरां भितर मराठी मास्तर जाले.

म्हण्टकच सरकार मनांत हाडीना देखून चोवीस वरांच जाग्यार चोवीस वर्सां हुबलीं जाल्यारूय माध्यमाचो प्रश्न थंडगु जावन पडला फिनलँडान स्विडिश भास चलताली त्या सरकार एक दीस थारायलें की लोकभाशेन शिक्षग जावंक जाय आ दुसरे दिसा सावन पंय किनो भास माध्यम जाली. झार झुट आशिल्लो तेन्नां रशियेंत फ्रेंच भाशेचो थातोमातो जातालो पूग भौ शिकून सवरून उदरगतीक पांवचो म्हणून लेनिनान झुटयेर आयल्य बराबर रशियन ही लोकभास शिक्षगाचें माध्यम केलें. तांत्रानि लिखिया तांच्याच पावलार पावल दवरतात. आनी आमच्या स्व सरकारान भाशेच्या बाबतींत जी नीत आपणायल्या ती फ गुलाम लोकांकूच सोबसारखी अशें खंतीन म्हणचें पडटा.

राजीव गांधी पंतप्रधान जालो आनी ताणी नव शिक्षणीक धोरणाचो ढांचो लोकांमुखार मांडलो तांतूर मुळाव शिकपाचें माध्यम आवयभास आसचें आनी ताजेर भासाभा जांवचो अशें माण्लें. सगळ्या राज्यांतल्यान हाका येवकार भय मुळाव्याच न्हंय जाल्यार कोठारी कमिशनान सुचयल्ल्या प्रमा

चिल्या शिकपाचें माध्यमलेगीत तेंच आसचें अशो मागण्यो केल्ल्यो वरो वाचूंक मेळूक लागल्यो पूण शिमरें खंय शिकलें कळना. जेन्ना जीव गांधींचें राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण संसदेन मानून घेतलें तूर माध्यमाचो तो किस्त गांधी तोपयेवांगडा वाय्यार पडिल्लो. सलो.

लोकशाहींतलें सरकार–भौसाखातीर, सरकार कूळकायदो करता–भौसाखातीर, एक लाख नोकऱ्यांच्यो येवजण्यो–भौसाखातीर, गांवांगांवांनी उदक–वीज पावता कोणाखातीर ? भौसाखातीर मागीर शिक्षण कोणाखातीर आसचें पडलें ? देखून आमी शिक्षणाच्या बाबतींतूय सरकाराकूच दोश दिवंक जाय. शिक्षण हें खंय टक्के विशिष्ट लोकांखातीर आसूंक फावना. तें समस्त कोंकणी समाज, भौस, भोजन हांच्या खातीर– हें गोंय सरकारान चिंतपाक जाय.

आतां शिकप किदयाखातीर ? 'आमी गोंयकार' अशें हणपांत आमची संस्कृती आसपावता. आमच्या जाण्टेल्यांनी आचार विचारांतल्यान जें जें श्रेष्ठ म्हणून राखलां ती संस्कृती. ही संस्कृती ण त्या वाटाराच्या भाशेवांगडा जिती उरता. भास नष्ट जायत ाल्यार संस्कृती नष्ट जाता. गोंयकारपण गोंयची अस्मिता, संस्कृती ाखूक कोंकणी भास उरचीच पडटली. आनी ती उरूंक जाय ाल्यार कोंकणी हीच शिक्षणाचें माध्यम जांव जाय

दुसरें, शिक्षणान अज्ञान, काळोख पैस जालें ना. दुडू खर्च ाल्यान ताका अर्थ ना. इंग्लेज शिकून भुरगीं कितलीं नापास जालीं ाजी सरकारान विचार करूंक जाय. दोन पुलांचेर कि लो खर्च ालो हाचो आंकडो सांगचे परस ते मोडचे किदयाक हाजे विचार ांवक जाय. तशें १ ले ते धावे मेरेनच्या प्रवासांत ८० टक्के ुरगीं शिक्षणा भायर पडटात. ग्रंथ-पुस्तकां सोडात तांतल्या कितल्या ुरग्यांक पेपरावेली इंग्लीश हेडलायन वाचल्यार समजता. धा वर्सां राठी विशय शिकूनलेगीत गोंयचीं कितलीं भुरगीं S S C परीक्षेंत राठी विशयांत पत्र आनी निबंध लेखन करतात. ८) हीं भौजन समाजाचीं भुरगीं ज्यांच्या कानार इंग्लीश, मराठी भास केन्नाच ाडना, तांकां ह्या परकी भासांतल्यान विचार मांडूक कशे येतले ? हाका लागून ती अनाडी उरली जाल्यार अजाप कसलें ?

लोकसंख्येच्या चार पांच टक्के आशिल्या कांय थोडच्या समाजाचे लोक ६०/७० टक्के सुशिक्षित जातात. हाज्या उरफाटे लोकसंख्येच्या १०/९५ टक्के आशिल्लो भौजनसमाज ८/१० टक्के लेगीत शिक्षित जांवक पावूंक ना. हाचे कारण तांची शिक्षणिक बुन्याद घट जाली ना. ४१ टक्के भुरगीं चौथी मेरेन मूळावें शिकप करूंक पावनात हाजें मखेल कारण परकी माध्यम.

प्रत्येक गजालीक बुन्याद बरी जांवक जाय देखून शिक्षणांत मूळावें शिकप–बुन्यादीचा फातोर कशें घट जांवक जायत. थंय पाठांतर, घोकंपट्टीक वाव आसूंक फावना. अभिव्यक्ति, भावना, उत्फर्ष, अभिनय, शैली, व्यक्तिविकास आदि गुणांक वाव मेळपाक जाय जाल्यार तांणें भायर पळेलें, अणभवलेलें, आयकलें, वाचिलें हाका सदळ जिवेन सांगूक येवंक जाय. आयकल्यो धालो, शिगम्याच्यो जोतीं, होवयो, माडो, धुलपद, देखणी, कातारां तांकां संवगडयां वांगडा मेकळ्या ताळ्यान गावक मेळूक जाय.

गोंयच्या ह्या मातयेंतलीं भुरगीं काणी सांगूंक सोदतलीं. तांकां मराठीत वा इंग्लेजीन मांग अशें म्हणून मोनीं दवरूंक उपकरता. भोजन समाजाचीं भुरगीं फुलूं–परमळूं नाय. जालाल्ल गोंयचा भौजन समाजूय सुशिक्षित जालो.

वाड्या वाड्यार भौसाची भुरगीं शाळानीं वतात. भायर चुरूचूरू उलोवपी भुरगी थंय भेरीं मोनीं कशीं बसतात. वर्गांत शिक्षकांपरस भुरगींच चड उलवक जाय हें शास्त्र. पूण माध्यम परकी जाल्ल्यान भुरगीं कांवरेतात. तुकूतुकू करून बाईक पळेतात. तकलेंत कांयच रिगना. किदयाक तीं तशीं बसचीं ? तांकां उलंवक येना ? तांकां कळना ? तांकां शिकपाची आवड नासतां ? तांकां आवड आसता पूण इंग्लेज–मराठी चुकतलीं, शिक्षक हांसतलो, मागीर संवगडी हांसतले ह्या लजेन तांकां उलंवक येता आसून तीं मोनीं रावप पसंत करतात. परिणामी तांची व्यक्त करपी तांक उणी उणी जायत वता.

शिकवपाचे पांच पांवडे मान्यना पावल्यात. भाशेंत पयल्या पांवडचार शिक्षकान मोठ्यान वाचप आनी अश्शें भुरग्यांक मोन्यांनीं वाचूंक सांगप. लिपी मुळाक्षरां शिकिल्लीं आशिल्ल्यान शब्दांवेल्यान नदर भोंवता उच्चार, स्पेलिंग शुद्धलेखन पळंवक शिक्षकाक वेळ नासता.

दुसऱ्या पांवडचार वाचिल्ल्यांतलें सोदून प्रश्नाच्यो सोंप्यो जापो सांगप पूण इंग्लीश वाचिल्लेंच कळना जालल्यान भुरगीं बोग्गी रावतात. तिसऱ्या पांवडचार विस्कटावन शिकवप, कठीण शब्दांचे अर्थ सांगप आनी ल्हान व्हड प्रस्नोत्तरांतल्यान धडो कविता समजप–शिकप. परतून तीच रड. शिक्षक प्रश्न विचारता, भुरगीं बोग्गी रावतात. चुकून कोणूय प्रश्नांतलो शब्द धरून धडचांतले वाचता पूण सांगीना, चौथ्या पांवडचार सगळो युनिट शिकयतकच कयळो काय ना हें दाखंवक पुस्तक धांपून जापो दिवप. भुरगीं बोग्गी राविल्यान सिद्ध जाता कीं तांकां कळूंक ना. हाका लागून निदान धडो–कविता किदें तें समजूंचें म्हणून शिक्षक कोंकणींतल्यान, अर्थ काणी सांगतात आनी दुर्दैवान भुरग्यांनी इंग्लीशींतल्यान जापो बरवच्यो असो निमाण्या पांवडचार आग्रो धरतात.

शाळेंत किदें, एक भाशा विशयूच नासता. हेर विशय आसतात. भुरग्यांक विशय समजूंक भाशेची आडखळ जाता परकी भाशेंतलें उतरान उतर आनी ताचो अर्थ समजलें बगर विशय समजना. शिक्षक कोंकणीचो उपेग करून विज्ञान–भूगोल शिकयतात. कोंकणींत शिकयल्यार इंग्लीशीन जापो दिवप कठीण जाता. देखून शिक्षण खातें तांकां दटायता. इंग्लीश जापो मेळूक जाय. म्हणून उतरांचो अर्थ, व्याकरण करतां करतां विशय थंयच झक मारता अशा कात्रींत शिक्षक सांपडला. तो खर्शेंत, निर्शेंत आनी मागीर 'शिकतलीं जाल्यार शिकात' अशें सांगून मेकळो जाता.

विज्ञान हाजें दुसरें नांव प्रयोग. प्रयोग बरवचे आसतात. प्रयोग

कसो केलो तें बरवंक येना देखून शिक्षकूच तें फळचार बरवन दिता. मागीर तोच जर्नल भुरग्यांनीं बरयल्लें आपणें तपासलां अशी फटीची समजूत करून घेवन निशाण ठोकता.

असल्या इंग्लीश शिक्षणाक लागून समाज शिकूंक पावना. आमच्या कोंकणी समाजाचीं भुरगीं अबुद्ध पालकांक लागून सोपेपणी कळपी कोंकणी शिकनांत आनी जी परकी भास तांच्या जिबेर घोळना, कानार पडना तीवूय कळनाशिल्यान तीं शिकनात हाका लागून समाज फाटीं पडला, काळखांत झळपेता ताका वयर काडची चाबी म्हळचार आपलो भास. घरांतली, खेळामळावेली, पसऱ्या तिटचावेली भास शाळेचें माध्यम जावंक जाय.

देखून, परकी भास शिकपांत कितलोशींच शिक्षणिक वर्सां पेडुर करचे बदला आपल्या स्वभाशेंतल्यान पैलीं विशय शिकप आनी सज्ञान जावप भौ बरें. गोंयच्या लाखानीं भुरग्यांक परकी भास शिकपाची कसली गरज? वर्सांतल्यान अशीं कितलीं भुरगीं विदेशांत वचून ज्ञानाचो सोद घेतात? फुडले शिकप करतात? वचप तें किदें इग्लंड अमेरिकेकूच, आनी तें सुर्वेकूच थारावप? ज्ञान दुसऱ्या देशांनीं ना? थंय इग्लीश आसा? देखून कांय एक दोन विशिष्ट भुरग्यांच्या सोयीखातीर लाखानीं कोंकणी भुरग्यांच्या मानगुटेर परकी भास लादपाची कांयच गरज ना.

परकी भास शिकूंक येदें भोल फारीक करचे परस हांगावें शिकप पुराय करून विदेशांत वचाखातीर त्या त्या देशाची भास शिकपाक वर्स स म्हयनें पुरो. पुण्याची मॅक्समूलर संस्था तीन म्हयन्यां भितर बरेतरेच जर्मन भास शिकयता. पांच स म्हयन्यांत रशियन शिकूं येता. ह्या खातीर थोड्या वेळांत शिकपाक रातीचो दीस करून शिकचें आसता हें वेगळें सांगची गरज ना.

मुळावें शिकप कोंकणींत कस्त इंग्लिश सोडची अशे आज कोण म्हणना. पांचवे सावन इंग्लीश सोपी पडची म्हणून तिसरे यते सावन इंग्लिश लिपी आनी शिकप सुरू करूं येता अशें सरकारी फर्मान आसा. तूर्त दुसरी यत्ता मेरेन कोंकणी मागीर तिसरेक सावन कोंकणी वांगडा इंग्लीश आनी पांचवेसावन इंग्लीश अशें सरकारी धोरण. मुळावें शिकप कोंकणींत केलें म्हणून आतां जाता त्या परस चड नुकसान जांवचें ना. उलट फायदोच जातलो.

गोंयकार भारतीय जालल्यान लिपी वांगडा तांकां राष्ट्रभाशेचीय बुन्याद वांगडाच घालची संद मेळटा. तशेंच कोंकणीची लिपी देवनागरी जाल्ल्यान हिंदी, मराठी, संस्कृत आदी भासो लागीं करूंक सोपें जाता. देवनागरी सरळ, सोपी आनी शास्त्रशुद्ध लिपी हांतूत इल्लोय दुबाव ना.

आयज मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम कोंकणी आपची अशें मान्य करतात. पूण कांय जाण आपलो हट चलंवक प्रशिक्षित शिक्षक आनी पटेपुस्तकांची ढाल फुडें दवरतात. गोंयचे सगळे शिक्षक प्रशिक्षित आसात. विदेशी भाशा शिकत जाल्यार संसारांतल्या खंयच्याय त्या विदेशांतल्या शाळेंत शिकवपा इतलो तो खांपो आसा. प्रत्येक शाळेंत हिंदी शिकवपी गोंयकार शिक्षक आसात.

**राज्य शिक्षणशास्त्र संस्थेन कोंकणी यत्ता पयली खातीर शिक्षक मार्गदर्शक चक्रमुद्रीत पुस्तक तयार केलां तांतूतलें–**

## लेखकांचे मनोगत

कोंकणी भाशेंतल्यान मुळावें शिक्षण घेवची भुरग्यांखातीर भाशेंचीं पुस्तकां बरयिल्ली आसात पूण ती खूव पयलीं बरयिल्ली आसात. आतां काळ बदल्ला, शिकपीय बदल्ल्यात देखून शिक्षणाचें तत्र नव्या शास्त्राक धरून बदलूंक जाय, हें मतीत घेवन भुरग्यांखातीर नवी पुस्तकां तयार करपाचें थारायलें आनी त्याप्रमाण गोमंतभारती–कोंकणी पुस्तक पयलें हें पाठ्यपुस्तक तयार केलां. हें पुस्तक कशें शिकोवचें हें शिक्षकांक वाचपाक दिलें जाल्यार आपल्या वर्गांत शिकयतासताना तांकां फावो तें मार्गदर्शन जातलें. ह्या खातीर हो शिक्षक–मार्गदर्शक आमी तयार केला.

गोमंतभारती-कोंकणी हें पाठ्यपुस्तक कशें तयार केलां, तातुंतले पाठ कशें शिकोवंक जाय, वर्सुकी कामाचें नियोजन कशें करूं येता, पाठ्यपुस्तकाच्या अध्यापनाखेरीत खंयच्यो तोंडी कार्यावळी घेवपाक जाय, भाशिक गिन्यानाच्या घटायेखातीर खंयचे भाशिक उपक्रम घव येतात हें वगवेगळ्या प्रकरणांनीं तपशीलान सांगिल्लें आसा. खेरीत, शाळेच्या आरंभाकूच आठ सप्तकी कार्यावळ ' कशी आनीक कित्याक घेवची हाचीय माइती दिल्या. निमाणें भुरग्यांचें मूल्यमापन कशें करूं येता ताची येवजणय दिल्या.

शिक्षकांक दिसपट्टे शिकयतासताना ह्या पुस्तकाचो उपेग जातलो आनी तांचे अध्यापन सुदारतलें अशी आस्त आमी बाळगितां

**प्रिया फडके**
निमंत्रक
कोंकणी समिती

कां लिपी येता. नासत जाल्यार गोंयकार शिक्षकान ती लिपी च स दिसां भितर शिकूंक जाता. म्हयन्या भितर पयलेतल्या वडघा भुरग्यान लिपी शिकूंक जाय अशें आमकां दिसना ? मागीर णटचा शिक्षकाक तें कठीण कशें जायत ? केवळ विरोध करूं य म्हणून केरळच्या शिक्षिकाक लिपी शिकून कोंकणी शिकंवक व नजो इतलें समजल्यार पुरो. इतल्यान शिक्षकाचो प्रस्न सुटूं ना.

कोंकणी मुळाव्या पटे पुस्तकांचो प्रस्न परवरीच्या राज्य क्षण संस्थेन सोडयला शिक्षकांखातीर मार्गदर्शक पुस्तकांय पल्यांत. प्रकल्प संघटक सौ. प्रिया फडके कोंकणी पुस्तकां भरीन णी आसूं नये हाजी जतनाय घेतात. शिक्षण आनी भाषाशास्त्र व प्रयोग, भुरग्यांचो वयोगट, कुवत, फाटभूंय लक्षांन दवरून रबूम गोडी लागसारखें बरवन घेंवन पुस्तकांनी घालतात. शियांतल्या पुस्तकां भशेंन पुस्तकाची बांदावळ आकर्शक नासत ण गुणान/गिन्यानांन तीं मान्नूय फाटीं नात. पुस्तकांचें मोल चड मा हें खरें खय वाडत जाल्यार मोल देवूं येता. वखदांचेंय मोल ड आमा म्हणून काय कोण वखदां घेनासतनां रावता ?

हजारानीं भुरग्यांकडसून कोंकणी पटेपुस्तकांक मागणी यली तशेंच शिक्षणाचें म्हत्व वळखूपी सरकार जर आमकां गावलें ल्यार पांच नखेत्री हाटेलां/उद्योगांक २६ टक्के भरपाय Subsidy दितां तशी Subsidy जर पुस्तकाक दीत जाल्यार पुस्तकांचो बांदावळ, चित्रां-छापणावळ तशेंच मोलूय सुदारूं येता. जाय ती फक्त इत्सा. कोंकणी शिक्षणाची भूक लागुंदो, तरातराच्या पंचपक्वान्नाची पटेपुस्तकांपान मुखार येतले. गुरुनाथबाब केळेकारान चित्रबोध काडलो. चंद्रकांतबाबान उतरावळ छापली. मुळाक्षरां, अक्षर, रचना, विज्ञान, भूगोल, हांचे तकटे तयार जातात. भुरग्या-खातीर पदां-कवितांच्यो कॅसेटी तयार जाता. यत्तावार व्याकरणां तयार आसात. इंग्लीश-कोंकणी-हिंदी शब्दकोश त्याभायर रामायण महाभारत-काणयो-कविता-नाटकुली आसात. हुस्क्याचें कारण ना.

पूण माध्यमाचो विशय पालकांचेर सोडून उपकरना. भुरगीं राष्ट्राची संपत्ती भुरग्यांक शिक्षण खंयच्या भाशेंन दिल्यार राष्ट्राच्या उदरगतीक पालव जांव येता हा जो विचार फकत राष्ट्रान हागां गोंय राज्य सरकारान करपाची गरज आसा.

ह्या खातीर गोंयची गरज लक्षांत घेवन कोंकणी माध्यम सुरू करचें पावल उडयल्याखातीर हांव डायोसेझन सोसायटी हांची तोखणाय करतां आनी पात्रियार्क राऊल गोंसाल्वीस हांकां परबीं दितां. तेच परी गोंयच्या शिक्षणिक मळार वावुरपी पूण ह्या प्रस्नार हात पांगरून बशिल्ल्या संघटित शिक्षणिक कर्मचारी संस्थांक उलो मारतां कीं ताणींय डायोसेजन संस्थेक जाहीर परबीं दिवन गोंयच्या भोजन समाज आनी सरकाराक वाट दाखंवची

-■-


GOA MARCHES AHEAD

PROGRAMMES UNDER THE NEW EDUCATION POLICY

1. Universalisation of Elementary Education.
2. ' Operation Blackboard ' Movement.
3. Revitalising Adult Education Programme.
4. Emphasis on Vocational and Technical Education.
5. Establishment of a Cell for Text Book Production.
6. Emphasis on Teacher Training Programmes at different levels.
7. Upgradation of State Institute of Education into State Council of Education Research and Training.

Directorate of Education

PANAJI - GOA.

# मुळाव्या शिक्षकांक प्रशिक्षणाची गरज

– श्रीमती लीला गायतो

'कोंकणी शिक्षकांक प्रशिक्षणाची गरज' हाजो विचार करचेपैलीं 'शिक्षकांक प्रशिक्षणाचो गरज' असो विचार केल्यारय वायट जावचो ना, अशें म्हाका दिसता. ताजेयपरस 'मुळाव्या शिक्षकांक प्रशिक्षणाची गरज' म्हळ्यारय विशय बेस बरो मांडू येता.

मुळावें शिक्षण हें मूलभूत शिक्षण आसा. ताजे यशाचेर फुडल्या शिक्षणाचो विकास अवलंबून आसता. म्हणटकर औपचारिक भौशिक शिक्षणाचो हो एक सुर्वेचो कार्यक्रम. भौशिक शिक्षणाचो हो मुळावो अंश. हें शिक्षण मूलभूत आसता. कारण हे शिक्षणांत श्रवण, भाशण, लेखन आनी गणित हीं शिकपाक म्हळ्यार अध्ययनाक गरजेचीं अशी मूलभूत कौशल्यां मेळटात. ही कौशल्यां आपणायलेबगर फुडलें शिक्षण घेवप शक्यूच ना. हे पांवड्याचेर भाशाशिक्षण हें म्हत्त्वाचें. तातूंतय चड म्हत्त्वाची म्हळ्यार माध्यमाची मुखेल भास. मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमाची भास म्हळ्यार भुरग्यांची आवयभास आसची हे विशीं आतां दुमत ना.

खंयचोय विशय शिकयतनां पैलीं ताजें उद्दिष्ट थारायतात. त्याप्रमाण मागीर अभ्यासक्रम तयार करतात. भाषाशिक्षणाचो उद्देश्य आसा– भाशा कौशल्यांचो विकास. तीं कौशल्यां म्हळ्यार– श्रवण, भाशण, पठण आनी लेखन. हांकांच भाशांच्यो क्षमता म्हणटात. म्हणजे विद्यार्थ्याभितर भाशाविशयक क्षमतांचो विकास करप हो भाशाशिक्षणाचो उद्देश्य : हे क्षमतांच्या विकासाखातीर भाशेच्या पाठ्यक्रमाचें उद्दिष्टांप्रमाण नियोजन करप गरजेचें.

भाशेचें शिक्षण म्हळ्यार एकातरेन संवय लावपाची क्रिया. असो नियम आसा कीं जी गजाल आमी परत परत करतात, ती बऱ्याच तेपान संवयेंत बदलता. तातूंत अपूर्व कौशल्य मेळटा. भाशांच्यो क्षमता परत परत विकसित करपाची संद जर विद्यार्थ्याक मेळत, तर ते तांतूंत प्रवीण जावंक शकतात. पूण हेंच आमकां शास्त्रोक्त पद्धतीन करपाक जाय.

भाशाविशयाच्या क्षेत्रांत मोलादीक संशोधन करपी विद्वानांनी कांय तत्त्वां मूलभूत तत्त्वां म्हणून मांडल्यांत. ते तत्त्वांचेरच भाशेच्या शिकोवपाची वा अध्यापनाची दिशा थारावप गरजेचें. तीं तत्त्वां म्हळ्यार– १) पूर्व तयारी २) योग्य संवयो ३) अचूकपण ४) अनुक्रम ५) प्रमाण बद्धता ६) समूर्तता ७) रसपूर्णता आनी ८) मार्गाणां अनेकता.

अशे संपन्न आनी प्रयोगजन्य अणभवांचें फाटबळ मेळोवन भाशेचें अध्यापन करप सदांच उपकारक जातलें. भाशेंच्या अध्यापनाची ही शास्त्रीय बैठक सारकी आकलन केल्याउपरांतच आमभाशेचें अध्यापन यशस्वी जातलें. पूण ते खातीर योग्य अशे शिक्षक आमकां मेळूंक जाय.

शिक्षकाची योग्यताय म्हळ्यार ज्ञाननिष्ठा आनी श्रमनिष्ठ हांचो योग्य समन्वय शिक्षकान घालूंक जाय. सतत ज्ञानप्राप्ती मनन, चिंतन हाची संवय लावन घेवप हें शिक्षकान पाळूंकच जा. थोडे भीतर शिक्षक हो 'मित्र, तत्त्वज्ञ आनी मार्गदर्शक आसच ताणे आपल्या अध्यापनांत इतलें तत्पर आसचें कीं आप शिकोवपान ताकाय आनंद जावचो आनी भुरग्यांकय खास भोगच.

शिक्षकाच्या दर्जाचेर शिक्षणाचो दर्जो अवलंबून आसत शिक्षक हो पुराय शिक्षण पद्धतीचो 'कणो' जावन आसा. शिक्ष पुरोगामी आसत, गतिमान आसत, तर शिक्षण पद्धत फुडें फु वचत रावतली. शिक्षणाचो गुणवत्ता वाडोंवक जाय जाल्या शिक्षकाची गुणवत्ता वाडोवप गरजेचें.

शिक्षण ही दुहेरी वा द्विकेंद्रात्मक वा जोड-प्रक्रिया आस शिकप ही भुरग्यांची कृती, तर शिकोवप ही शिक्षकाची कृती शिकोवप वा अध्यापन म्हळ्यार फकत वाचून दाखोवप न्हय शिक्षकान कितलें सांगलें हाजेपरस, विद्यार्थी कितें शिकलो हाचे म्हत्त्व आसा. भुरग्यांच्या तकलेंत व्हडली व्हडली माहिती चेप म्हळ्यार अध्यापन न्हय. अध्यापन म्हळ्यार विद्यार्थ्यांच्या वर्तनांत बदल घडोवन हाडप. हो जाय तसो वर्तन बदल घडोवन हाडपाक आनी माहितीचें ज्ञानांत रूपांतर करपाक तातूंत बौद्धिक, भावनिक आनी स्नायविक कृतीचीं भर घालची पडटा. कित्याक ता आधुनिक शिक्षणांत ज्ञानात्मक, क्रियात्मक आनी भावात्मक अशा तीनूय पैलूंक म्हत्त्व दिला. भुरग्याचो सर्वांगीण विकास जांवक जाय जाल्यार शिक्षकान चड जापसालदारकेन तिनूय बाजूंचो विचार करूंक जाय.

अध्यापन ही एक 'कला' आसा. चडशा शिक्षकांक ही कला संपादन करून घेवपी पडटा. अध्यापन हें उत्स्फूर्त आसता आनी शिक्षक हो अभिजात आसता, अशें जरी म्हळें, तरी अशे अभिजात शिक्षक भोव थोडे 'हांवय अभिजात शिक्षिकाभितल्लो' एक असो गैरसमज शिक्षकान करून घेंवक जायना. दुसरी गजाल म्हळ्यार अध्यापन जरी उत्स्फूर्त आसलें तरी तंत्र खबर आसप गरजेचें. शिक्षकाक अध्यापन पद्धत खबर आसूंकच जाय आनी प्रशिक्षण घेतकीर अध्यापन पद्धतींचे ज्ञान मेळटा.

अध्यापन पद्धती म्हळ्यार कितें ? तर भुरग्यांचे शिकप सोपें आनी परिणामकारक कशें जातलें. तांकां विशयाचे अवधान तिगोवन

च्यांत वर्तनबदल कसो घडोवन हाडचो, ते खातीर कसलीं शल्यां, युक्त्यो-प्रयुक्त्यो वापरल्यो. मुरग्यांलो पाठांत सहभाग तल्यो घेवचो हे सगळ्या येवजणीचें निमणें रूप म्हळ्यार ध्यापन पद्धत. वेगवेगळ्या शिक्षणसंस्थांच्या शिक्षणाविशींच्या चारांचें फळ म्हळ्यार अध्यापन पद्धत वस्तुनिष्ठ ज्ञान दिवपा-तीर शिक्षकाक जीं आयतीं साधना वावरची पडटात, जे सूत्रांचो लंब करचो पडटा, तांचो आस्राव अध्यापन पद्धतीतच जाता.

अध्यापन पद्धतीक लागून वर्गशिक्षणाचें काम सहजच घडटा. पद्धत ज्ञान घेवपाक पूरक थारता. तरेकवार अध्यापन पद्धती ळ्यार विशिष्ट तरेचो शैक्षणिक दृष्टिकोन व्यवहाराच्या च्यांत) ओतपाचो केलो यत्न. शिक्षकान उपेग केल्या ध्यापन पद्धतीक लागून विद्यार्थ्यांच्या विविध ज्ञानेंद्रियांक चेतना ळटा. तांच्यो संवेदना जागृत जातात. ज्ञान ही इंद्रियजन्य गजाल आशिल्यान, इंद्रियां जितल्लीं कार्यक्षम जातली, तितलो मनावेलो संस्कार चड स्पष्ट आनी अर्थयुक्त जातलो. देखूनच शिक्षणप्रधान अध्यापन पद्धतीन अध्यापन यशस्वी करूं येता.

अध्यापनाचें खंपचें तंत्र वा पद्धत शिकयतना उपेगी जातली, हें शिक्षकाक खबर आसूंक जाय. शिकोवचे पैलीं खंयच्या गजालींचो विचार करूंक जाय. हें शिक्षकान पळोंवक जाय.

विशय वस्तूची मांडणी कशी करचो, शिक्षणीक साहित्याचो वापर कसो करचो, विद्यार्थ्यांचें अवधान कशें तिगोवन धरचें, कसल्यो शिक्षणीक अनुभूती दिवच्यो अध्ययन प्रसंग कसले निर्माण करचे हांचो विचार अध्यापन पद्धतीन जालान अध्यापन सहज जाता. आनी अध्ययन सोपें जाता. आपलें शक्तिचो योग्य उपेग करून, मर्यादित वेळांत, जुस्ताक जुस्त शिकोवपा खातीर अध्यापन पद्धतीची गरज आसा.

मानसशास्त्रीय नदरेंतल्यान देखून भावनांचें आनी सहज प्रवृत्तींचें उदात्तीकरण वर्गांतल्यान सहजच शक्य आसता. व्यक्तिगत अध्यापनापरस शाळेंतलें शिकप वर्ग अध्यापनाभशेन आवप गरजेचें, मुरग्यांच्या आंगांत सुप्त स्वरुपांत आशिल्ल्यो तरेकवार शक्ति आनी क्षमता हांचो विकास करप म्हळ्यार अध्यापन. अध्यापन पद्धतीन बुद्धिमंथन जाता. जें ज्ञान विद्यार्थ्यांक दिवपाचें, तें चडांत चड वरे तरेन दिल्यार विद्यार्थी तिकडेत रमतात. हेच खातीर शिक्षकाचो अध्यापन पद्धत रोचक, रंजक आसूंक जाय.

अध्यापन पद्धतीची गरज दिसपाचें दुसरें कारण म्हळ्यार, विशयाची गोडी वाडोवपाची तिजी तांक. विशय कसो शिकयतात, हाजेरत तीजी अ वड-निवड अवलंबून आसता. अध्यापन पद्धतीक लागून अभ्यासाचो वेळार पूर्ण जाता. विशिष्ट दिशेन उद्दिष्टांकडेन वाटचाल करूं येता. फाव्या त्या शैक्षणीक साहित्याचो जाय तसो उपेग करूं येता. विद्यार्थ्यांभितर जाय तसो (अपेक्षित) बदल घडोवं येता. शिक्षकांच्या प्रयत्नाक यश येवपाक आनी विशयविवेचन परिणामकारक जावपाच्या नदरेन अध्यापनपद्धतीची गरज आसा. अध्यापनाची कांय तत्त्वां आसात, तांचो उपेग केल्यार विद्यार्थ्यांची आकलनशक्त वाडटा.

अध्यापनाची कांय कौशल्यांय शिक्षकान जाणा जावन घेवंक जाय. शिकयतना शिक्षकाचें जावपी समर्पक वर्तन म्हळ्यार अध्यापन कौशल्य. अध्यापनांत तरेकवार कृतींचो आरपाव आसता. हे सगळेगळ्या कृतींचें सुंदर गुंफण म्हळ्यारच यशस्वी अध्यापन. पंखासारखे ज्ञानना आसतना वेगाधिक विकासाखातीर शिक्षकान नैपुण्य आपगावप, अध्यापनांत सहजताय हाडप, इतलेंच न्हय तर अध्यापनांतलो भोंगळपण, मोघमपण, उथळपण ना करून सूक्ष्म अध्यापन करचें आसा तर अध्यापन- कौशल्यांचो वापर करूंकच जाय आनी हें ज्ञान प्रशिक्षण घेतल्याबगर कशें मळटलें ?

आमी पळेलें की शिक्षण म्हळ्यार वर्तनबदल. मुरग्यांच्या वर्तनांत बदल करचो आसा, जाल्यार शिक्षकान मुरग्यांचें मानस-

New Projects, Diversification or Expansion
Before you decide on a course of action
spend a little time with EDC.
We have professionals with personal touch
We offer you everything from Project
Identification, Plant location to finance.
Please call on us for more details

Projects Business Division

**Economic Development Corporation of Goa, Daman & Diu Limited,**

EDC House, 4th Floor,
Dr. Atmaram Borkar Road,
P. B. No. 316,
Panaji-Goa-403 001.
Bombay Office :
40-, Regent Chambers,
208, Nariman Point,
Bombay-400 021
Tel 2352 9, 242380

EDC

Development is our
middle name

शास्त्र जाणा जावंकच जाय. ल्हान मुरग्यांच्या वागपांतलो तरेकवारपणा आनी ताची फोडणिशी शिक्षकाक करूंक येवंक जाय. मुरगीं हांसतात, खेळटात, रागार जातात हाजें मूळ कित्यांत आसा, हें शिक्षकाक वळखूंक येवंक जाय. हे सगळ्यांचें मूळ म्हळ्यार बालमानसशास्त्र शिक्षकान जाणा जावंक जाय. मन हें अतिशय सूक्ष्म यंत्र आसा. वर्तनाची चिकित्सा मानस शास्त्रावरवीं करतात. मागीरच मुरग्यांच्या विकासाक पोशक अशें वातावरण निर्माण करूं येता. बालमानसशास्त्राक लागून शिक्षकाक अध्ययन-अध्यापन परिणामकारक कशें करचें हें कळटा. मुरग्यांच्यो गरजो, प्रस्न, बागणूक, सहज प्रवृत्ती जाणा जावन घेवपाक बालमानशास्त्राचें ज्ञान आसप म्हत्त्वाचें. मुरग्यांलें व्यक्तिमत्व तातूंतल्यान घडोंव येता. हें बालमानसशास्त्र शिकोवपाचो आस्पाव शिक्षक-प्रशिक्षणांत केला देखून प्रशिक्षण हें गरजेचें.

हे सगळ्या विवेचना वेल्यान प्रत्येक शिक्षकाक प्रशिक्षण दिवपाची गरज आसा हातूंत इल्लोय दुबाव ना. आतां आमी पळोवपाचें की शिक्षकांक नोकरेक लागचे पयलीं एकदाच प्रशिक्षण दिल्यार ताजो उपेग ताच्यान जिवीतभर करूं येता काय कितें ? हाजी जाप आमकां ना अशीच मेळटली. कारण-

शिक्षक हो गतिशील आसचो. परिस्थिती बदलली कीं ते बदलाक फावो तें शिक्षणीक कार्य करपाचें कौशल्य ताचेकडेन आसचें नवे परिस्थितीचें मर्म जाणा जावन घेवन नवे पद्धतीन शिक्षणीक नियोजन आनी संयोजन ताका करचें पडटा. कांय बदलाक लागून शिक्षकाक सतत गतिमान रावचें पडटा. ते बदल म्हळ्यार १) सामाजिक परिस्थितीक जदल २) अभ्यासक्रमात बदल ३) शिक्षणांतले नवे विचार प्रवाह ४) अध्यापनपद्धतीतले बदल ५) अध्यापन साधनांतले बदल.

स्वातंत्र्यापयलीं शिक्षकांक पारतंत्र्याच्या एका विशिष्ठ परिस्थितींत काम करचें पडटालें. पुणून स्वातंत्र्या उपरांतचे काळांत भारतीय समाजांत बरेच बदल जाल्यात. भारत स्वतंत्र जालो ताणें आपली स्वतंत्र घटना तयार केली. घटनेंतलीं मूल्या आनी ध्येयां हांकां अनुसरून वर्णभेद, जातिभेद, वर्गभेद, धर्मभेद वंशभेद अशे तरेचे भेद ना करून समता, बंधुता, न्याय स्वतंत्रताय अशा मूल्यांची जतनाय घेवपी समाज निर्माण करपाचे यत्न चलल्यात अशे परिस्थितींत शिक्षकाक बदलत्या समाजांतली आपली भमिका निश्चित करपाक येंवक जाय. अशे वेळार पोरन्या पद्धतीचें प्रशिक्षण ताका सहायक जावचें ना. देखून ताका निमणेमेरेन खंयच्या ना खंयच्या रूपान निरंतर शिक्षक-प्रशिक्षण घेवपाची गरज आसा. ही गरज सदांच बदलत आसतली. समाजाचें राजकीय, सामाजिक, सांस्कृतिक रूप बदललें कीं ताका फावो तशें नवें शिक्षक प्रशिक्षण सेवांतर्गत प्रशिक्षणाच्या रूपान शिक्षकांक दिवचें पडटलें.

आतां मुळाव्या शिक्षणाचो नवो अभ्यासक्रम तयार जाता. माध्यमिक शिक्षणाचे अभ्यासक्रमांतय बदल जाता. शिक्षक-प्रशिक्षणाचे क्षेत्रांतय नव्यो नव्यो गजाली घडटात. अभ्यासक्रम बदललो कीं नवीन विशयांचो आनी अध्यापनाच्या नव्या दृष्टिकोनाचो पुरस्कार करतात. मुळावे शिक्षणाचो जो नवो अभ्यासक्रम आतां लागू करतले, तो क्षमताधिष्ठित आसा. बालक केंद्रित आसा. म्हणजे अध्ययन-अध्यापनाचो दृष्टिकोन बदलला. हे बदलिल्या दृष्टिकोनाप्रमाण शिक्षकांनी वचचें पडटलें.

शिक्षणाचे क्षेत्रांत नित्य नवे विचार येतात. अनौपचारिक शिक्षण, अंशकालिक शिक्षण, विशयाचें आनी पद्धतीचें एकात्मीकरण आत्मप्राप्तीखातीर शिक्षण अशे नवे नवे प्रवाह येतात. शिक्षण मानसशास्त्र दीसानदीस प्रगत जाता. आतां पियाजे ब्रुनर, कोहलबर्ग मॅस्लो, रॉजर्स हांचे नवे विचार मानसशास्त्रांत घेतल्यात. शिक्षक हे सगळ्या विचारप्रवाहांचे ज्ञान जांवक जाय नाजाल्यार पोरन्या विचारांचेंव अनुसरण करतलो.

अध्यापनाच्या क्षेत्रांतय नवी तंत्रां, नवी साधनां, पद्धती येतात. टेपरिकॉर्डर, दूरदर्शन, ओव्हरहेड प्रोजेक्टर आनी हे प्रकारचे दृक्श्रवण साहित्य आतां मेळटा. अध्यापनाच्यो नव्यो नव्या पद्धती येतात. सूक्ष्म अध्यापन पद्धती, अनिर्देशित अध्यापन पद्धती बालकेंद्रित पद्धती अशा नव्या पद्धतींचो अवलंब करप आ गरजेचें.

म्हणटकर समाज सतत बदलत आसतलो. अभ्यासक्रम बदलचो पडटलो. नवे विचार आपणावचे पडटले. नव्यो अध्ययन अध्यापन-पद्धती आत्मसात करच्यो पडटल्यो. मूल्यमापनाची नव्यो तंत्रां मेळूंक शकतलीं. शिक्षणिक प्रयोग जायत रावतले. अशे स्थितींत शिक्षकाक फकत एक वा दोन वर्सांचें दिल्ले प्रशिक्षण कालबाह्य थारतलें. शिक्षक हो केन्नांच कालबाह्य निरर्थक आ स्थितिप्रिय आसचो न्हंय. शिक्षकाक शिक्षणकार्य चडांत च सामर्थ्यान करपाची व्यवस्था करची पडटलो. देखून दर तीन पांच वर्सांनी तांणीं कांय दिसावें प्रशिक्षण घेवचें पडटलें.

हें जालें सगळ्या शिक्षकांविशीं. कोंकणी शिक्षकांक प्रशिक्षण दितना कोंकणी-भाशेचें योग्य शिक्षण दिवचें पडटलें. कारण सध्यातरी जे शिक्षक कोंकणी शिकयतात. तांतल्या जायते जाणा आपलें शिक्षण हेर माध्यमांतल्यान घेतलां. ताका लागून तांकडच्यान भाशेचें प्रमाण रूप, शुद्धलेखन हांचेबाबतींत जायत्यो चुका जातात आनी तांचे विद्यार्थी चुकीची भाशा शिकतात. हें आळाबंद हाडूंकच जाय.

तात्पर्य सगळ्या शिक्षकांक प्रशिक्षणाची गरज आसाच. पुणून कोंकणी शिक्षकांक शुद्ध कोंकणी जाणा जावपाचीय गरज आसा.

-

# हायब्रीड न जावपाखातीर आनी संस्कृतीखातीर कोंकणीतल्यान शिक्षण

— डॉ. विली द सिल्व

•••कारंयान आपल्या भुरग्यांक शाळेतले मुळावे शिक्षण दिलेंच ना. तर अकरा बारा वर्सांमेरेन ताची भुरगीं खेळूनूच ल्ली... घरामायर घराभितरले सगळें सगळें केलें. एक केले ना ताची भुरगी शाळेंत पावली ना. आयज ताची म्हालगडी धूव न्युमॉन्स स्टीटयूटांत सायकॉलॉजीत एम. ए. जावन पी. एच. डी. केल्ल्या सायकॉलॉजीस्टावांगडा लग्न जावन संशोधन करता. ताच्या नंतरची क धूव भरतनाटयांत प्रवीणपण जोडून नाटयांत आनी नाटयाच्या शास्त्रांत प्रवीणपण जोडलां... आमकां दिसता जर आमचो भुरगो तीन वर्सांमेरेन केजीत गेलोना तर संसारुच बुडलो

अणभवानी शिकनाशिल्ली भुरगी आतां किरांची पाख ल्यांत. ताळयांतल्यान येता. अणभवातल्यान येना. आनी देखून यरवयर पावतासतानाच तांची मेमोरायजेशनूच तांची मॅथेड ता. समजणीनी आनी क्रियेव्हीटीनी जायना. हें आमच्या शिक्षाचे दुर्दैव. ही सगळ्या भारताकूच लागलेली कीड. कोंकणी पुरती री ही कीड काडची कशी या खातीर आमकां एक नदर जाय... कोंकणी भाशेतल्यान शिक्षण शिकप आनी शिकोवचे म्हण जायना, ताका भितरल्यान एक कॅन्टेंट जाय.

तीन ते णव पिरायपासून भुरग्यांचे मन, वाडावळ सन्मथ ली बदलता तशेच संसार पळोवपाची ताची दिश्ट बदलता... ताका एक समजणी जाय, ती समजणी कोंकणीतल्यान दिल्यार ती क बुन्याद जातली आनी मागीर ताका खांड्यो, पानां, फुलां फळां शाडोवन येतली. ... भारतीय भासो हेर भासांपरस चड फानेटीक. आवाज आनी बरपाक जो संबंद आसा तो रोमी लिपयेक आनी युरोपी भासाक ना.– भारतीय भासांक स्पेलींग ना. भारतांतलो मनीस आपली भास शिकल्यानंतर भारताभायली खंयचीय भास तीन ते चार म्हयन्यांनी इतली बरी शिकता, भायलो मनीस भारतातली भास तितलीच बरी तितल्याच काळांत शिकना, हें सगळ्या संसारांत सिद्ध जालां. हांवें बी हें म्हज्याच जिवितांत पळयलां.

...घरांत आनी भोवतणी कोंकणीच्या आवाजाचो एक्स्पोजर आसा. जर भुरग्याक हायब्रीड इंग्लीश आवाजाचो म्हणजेच इंडियनायज्ड इंग्लीश आवाजाचो शिकप दिले तर तोवूय ना आनी होवूय आवाज ना ती भास ना आनी होवूय भास ना. ती संस्कृती ना आनी होवूय संस्कृती ना. ताका आमी म्हुण्टात आमची भुरगी आयज हायब्रीड जाता. हें चुकोवपाक आमकां मुळावें शिक्षण कोंकणीतल्यान जाय ...

धा-अकरा पिरायेच्या भुरग्यांक आनीक एक भास, परकेपण दिले–तर ताका एक धाडस मेळ्ळे म्हणजे तो ती भास बरी शिकतलो. हाका लागोन हांव म्हण्टा आमकां इंग्लीश भास परको जावन येवची. आमची जावन येवची नाका... आयज आमी शिकयतात ती इंग्लीश बरी शिकयना. शास्त्रीय नदरेत केल्ली कॅसेट आयकोन आनी पळोवन भुरगी इंग्लीशीत प्रवीणपण जोडटला.

कोंकणी भाशेत शिकोवपाचे विशय आमात ते जायतें वेगळे पयली ते चवथी मेरेन भुरग्याक आमी बालसाहीत्य म्हण साहीत्य शिकोवपाचे न्हय, तर ते पिरायेर ताका अणभवात किदें दिसता ताचे प्रयोग करून, संशोधन करून ताका कोंकणीतल्यान किदें दिना ते कोकणीचे शिक्षण.

(परिसंवादातल्या उलोवपांतलो एक ल्हान वांटो)

—※—

# विद्याभुवनांतले अणभव

— प्रमिला बोरकार

विद्याभुवनातले अणभव सांगप खूब कठीण आसा अशें म्हाका दिसता. हांव ह्या शाळेंत शिकोवंक लागल्यार हें तिसरेंच वर्स. म्हाका जे कितें चड–थोडे अशे अणभव आयल्यात ते हांव तुमकां सांगतां.

विद्याभुवन कोंकणी के. जी. आनी मुळावी शाळा ही शाळा कोंकणी भाशा मंडळ चलयता. ह्या शाळेंत सुर्वेक एकच शिक्षीका भुरग्यांक घेवन बसताली. मागीर दोन वर्सांनी थंय दूसरी शिक्षीका आयली. भुरगीं सकयल बसतालीं तीं बांकार बसून शिकूंक लागलीं. शिकणाऱ्या भुरग्यांचो आंकडो खूब उणो आसलो.

इल्ली–इल्ली करून भुरग्यांची संख्या वाडली पूण ती तशी पळोवंक गेल्यार चड वाडूंक ना. हाजें कारण कितें तें मात समजूंक शकना घडये,

१) पालकांक मुळावें शिक्षण आवयभाशेंतल्यान दिवपाक नाका आसून जायत वा.

२, आमच्या शाळेची इमारत तशी पळोवंक गेल्यार दोळ्यांत भर सारकी नाशिल्ल्यान जायत.

ह्या शाळेंत जरी थोडो भुरगीं शिकतात तरी सगलीं भुरगीं अभ्यासातच न्हय तर हेर गजालीतय हुशार आसात.

शाळेंत वीस भुरग्यांक एक शिक्षक ह्या प्रमाणान पांच शिक्षक शिकयतात. खेरीज शाळेंत ३ आया आनी येरादारीखातीर दोन टेम्पो चलतात. महत्वाचो निर्णय घेतना दर फावटीं शाळासमिती, पालक समिती आनी शिक्षकांची बसका जाता. भुरग्यांची मानसीक आनी शाररीक वाड करचे हेतून अभ्यासक्रमाची आंखणी केल्या. शिक्षक भुरग्यांच्या उदरगतिचेर बारकायेन लक्ष दवरतात.

हे शाळेंतलीं भुरगीं घराब्या आनी मेकळ्या वातावरणांत वाडल्या कारणान अभ्यास धरून सगळ्या कार्यावळींनी तीं उमेदीन वांटो घेतात.

चित्रकलेची सर्त जावं वा पदांची सर्त आसू तीं सर्तीत वांटो घेवपाक मुखार आसतात, गेल्या वर्सा 'इंटेकची' चित्रकलेची सर्त जाली तातूंत आमच्या शाळेंतल्या एका सान चलयेक ३ रें इनाम आनी दोन भुरग्यांक प्रशस्ती पत्रकां मेळ्ळ्यां. अंदूय आमच्या शाळेंतलीं भुरगीं त्या सर्तीत वांटो घेवपाचीं आसात.

गेल्ल्या वर्सा ६ भुरगीं ह्या सर्तीत वांटो घेवपाक म्हण लो इश्कोलांत गेल्लीं थंय सगलीं इंग्लीश शाळेंतलीं भुरगींच आस आनी कोंकणी मुळाव्या शाळेंतलीं भुरगीं फकत विद्याभुवनात आशिल्लीं.

सगळीं भुरगीं आनी थंयच शिक्षक इंग्लीश उलोवंक लागत आमच्या शाळेंतलीं भुरगीं पयलीं मात्शीं कांववेलीं पूण मागीर थंय कोंकणींतल्यान उलोवंक लागलीं पूण भिलीं मात नात.

आमच्या शाळेंत एक काणयांचीच सर्त घेयात, हांव–तूं क सगळींच भुरगीं काणी सांगपाक मुखार येतात आनी आमी शिक्ष प्रोत्साहन दितात. निर्भीडपणान सगळ्यांमुखार येवन तीं का सांगतात.

तांका सगळ्योच काणयो वा दिसाळ्यांनी येतात त्यो खब पाठ आसतात.

नविदाद म्हणून जर आमी शिक्षक तांका काणी सांगून व तर फुडली काणी तीं आमकां सांगून मेकळीं जातात.

कितलीं भोळी हीं भुरगी, आमच्याकडेन मेकळेपणान वागतां तांचें शिक्षण आवयभाशेंतल्यान जाल्ल्यानच तीं आमचेकडेन इतल मेकळेकायेन उलयतात.

भुरग्यांक भारतीय संस्कृतायेची आनी व्हड मनशांची वळ जांवची तांचे मनार देशप्रेमाचे संस्कार जावंचे म्हण शाळेंत स राष्ट्रीय सण मनयतात.

गेल्ल्या वर्सा २६ जानेवारीक झेंडो बो उबोवन जातकी मुखेल सोयऱ्यान भुरग्यांक चार शब्द सांगले आनी अपुर्बायेन तांक फुडें येवन काणी सांगपाक सांगली.

त्या कार्यावळीक कांय पालकय हाजीर आसले एक म (के. जी. चें) चली मुखार आयलें आनी तांगे एक काणी सांगत तांगेली काणी आयकून ताज्या बापायक अजाप जालें. पालक कल्पनाच नाशिल्ली की आपलें चली अशें सगल्यां मुखार ये काणी सांगत म्हण. त्या पालकान रोकडीच ताजी तुळा आपल व्हडल्या चलयेलागीं केली जें इंग्लीश मुळाव्या शाळेंत शिकत ताणे म्हळें आपल्या व्हडल्या चलयेक जर ही काणी सांगपा लायिल्ली जाल्यार तें इंग्लीशींत काणीच सांगूंक शकचें नास खरेंच हाजेवेल्यान दिसून येता मुळावें शिकप आवयभाशेतल्य शिकप खूब गरजेचें आसा.

आमच्या शाळेंत शिकून गेल्ल्या भुरग्यांक शाळेचो खूब मो थोडी भुरगीं ५ वेंत पावतकीर सुद्धां मदीं मदीं शाळेंत येता शिक्षकांची खबर घेतात, वर्गांत भोंवतात थोडच्या भुरग्यांक त आमच्या बरोबर सहलोक येवपाची उमळशीक आसता.

म्हाका सांगूप भोव खोस जाता ती आमच्या शाळेंत ४ शिकून जातकीच मडगांवच्या मॉडेल इंग्लीश हायस्कुलांत आमच्य भुरग्यांक सहजतायेन प्रवेश दितात.

आमच्या शाळेंत शिकून गेल्लीं भुरगीं आपले पाढे तोंडपा

शिल्ल्यान गणितांत आमकां केन्नाच त्रास पडनात अशें सांगतात.

दुसऱ्या शाळांनी ५ वेंत घेवंक प्रवेश परिक्षा घेतात तातूंत आमच्या भुरग्यांची प्रगती उत्तम आसता.

अंदू तर एक भुरगो ५ व्या यत्तेत लॉयेला हायस्कुलांत शकता. प्रवेश घेवंचे पयलीं ताका परिक्षा दिवंची पडली. कोंकणी माध्यमातल्यान शिकिल्ल्यान ताका १ कोंकणी (भाशेचो) आनी गणिताचो पेपर बरोवंचो पडलो. आनी तातूंत समादानकारक ण मेळोवन ताणे लॉयलात प्रवेश मेळयलो. ताज्या आवयकडेन ज्या प्रगती विशीं आयकून खूब खोस जाता.

आवयभाशेंतल्यान शिक्षण जाल्ल्यान भुरग्यांक आमचें विशीं ोड अशी उरना, तीं मेकळेपणान वागतात.

आमच्या शाळेंत शिकून गेल्लीं भुरगीं फुडें कांयच त्रास ायनास्तना शिकूंक शकतात हाजो आमकां अभिमान दिसता.

-※-

## भुरग्यांखातीर
## बालगीतांच्यो कॅसेटी

बालगीत निकेतनान भुरग्यांखातीर आयकोपाच्यो बालगीतांच्यो खास कॅसेटी तयार केल्यात. त्यो अश्यो आसात.

१) **गोंयची बालगीतां,** नाचगीतां, खेळगीतां (भ.ग-१)

२) **कोंकणी बालगीतां**

ह्यो कॅसेटी के. जी. वर्गांत आनी मुळ व्या शाळांत शिकतल्या भुरग्यांखातीर तयार केल्यात. ह्यो भुरग्यांक तश्योच शिक्षिकांकय खूब उपेगी आसात. भुरग्यांखातीर आनी शिक्षकांखातीर सवलत दर ३५/- रु. येतो जून सोपमेरेन आसतलो कोणाक विकत जाय ताणी सकयल्या पत्त्यार कळवचें.

**हिरा तुकाराम शेट**
बालगीत निकेतन
बेतो, बार्देश गोंय ४०३१०१

बालगीत निकेतनान तयार केल्ल्या अभ्यासक्रमाचे प्रशिक्षण आयजमेरेन एक हजारावयर आंगणवाडी शिक्षिकांक लाभलां. तशेच हेर शिक्षिकांकय हाचो लाभ जाला.

बालगीत निकेतनाचे संकल्पक तुकाराम शेट हाणी संकलन केल्ली बालांगण ही केजी खातीरची पुस्तकां रोकडीच उजवाडाक येवपाची आसात.


Tourism fosters national integration and international understanding leading to World peace.

It is our endeavour to develop tourism in Goa on a sound, firm footing and well planned for the benefit of all peoples and prosperity of the local populace.

Issued by :

**Directorate of Tourism**

Government of Goa,
Tourist Home, Patto,
PANAJI-GOA 403 001.

# मुळाव्या शाळांनी कोंकणी माध्यम

– डॉ फा मॅथ्यू आल्मेद

## १. मर्याद वांचली.

'जर कोंकणी भास मुळाव्या शाळांनी पावना तर कोंकणी भाशेक व्हडलसो फुडार ना.' अशें आमी तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्रांत म्हणत आयल्यांव. कित्याक, जर आमचे तरने पिळगेक कोंकणी भास वेवस्थीत तरेन शिकयलीं ना, तर ही पिळगी इल्ली इल्ली करून आपली भास विसरतली. इंग्लेज आपणायतली आनी खाशेले आवयक घरांतली धांवडायतली. जें कितें फिरंगी भास करूंक सकली ना तें इंग्लेज भास करूंक सकतली. गोंयकाराक आपल्याच घरांत एक परकी मनीस करून उडयतली. देवा दयेन अशें घडचें ना : कांय क्रिस्तांव इस्कोलांनी तरी कोंकणी भास ह्याच जूग म्हयन्या थावन शिकौपाचें माध्यम जातलें. कांय दियोसेजान शाळांक हें पावल काडूंक आजून धैर पावनाशें दिसता. पूण कशेंय जांव आमची मर्याद वांचली.

## २. लोकाक जागयले

जेन्ना गोंय सरकारान कोंकणीक राजभाशेचो मान दिलो तेन्नाच्यान आमच्या लोकाक जागौंचें काम सुरू केलें. १९८ मार्स म्हयन्यांत जाणकारांची, पत्रकारांची आनी समाजसेवकांची एक जमात आपयली. हे जमातींत आमी हो मुद्दो मांडलो : कोंकणीचो फुडार घट करूंक कोंकणी माध्यम आमच्या मुळाव्या शाळांनी सुरू करूंकच जाय. ह्या कामांत आमच्या समाजाच्या फुडाऱ्यांनी कसो आदार दींत येता हाचेर वरीवशी चर्चा जाली. पूण जमाती उपरांत चडशें काम जांवक ना. १९८७ आब्रिलांत आमी सगळ्या काथोलीक शाळा अधिकाऱ्यांक सांगाता हाडून कोंकणी माध्यमांतल्यान मुळावें शिकप दिवपाविशीं खोलायेन चर्चा केली. चडशे अधिकारी हे जमातींत आपूण कोंकणी माध्यम सुरू करूंक तयार आसात म्हणताले. आमचे संस्थेक शिक्षणाच्या मळार कसलोच अधिकार नासलल्यान, कोंकणी माध्यमाखातीर वावरूंक आर्चडायोसिजन बोर्डाक आमी विनंती केली. १९८९ आनी १९९० वर्सा गोंय दियोसेजीन आपयल्या कांय जमातिनी आमकां कोंकणी भास आनी भास शिकौपाचेर उलौपाक आपयल्ले. कोंकणी माध्यमा विशीं आमच्या केंद्राच्या वांगड्यांनो भाशणां दिवन आनी कृतिसत्रांनी वांटो घेवन बरोवसो प्रचार केला. हो विशय आमकां इतलो म्हत्वाचो दिसलो देकून १९८९ वर्सा फा. आंतोन्यु पिरेर सन्मान कार्यावळींत ह्या विशयाक प्राधान्य दिल्लें फा. वास्कु दु रेग आपणें मडगांवच्या शाळानी पंचवीस वर्सां अदीं कशें कोंकणी माध्यम सुरू केलें आनी ताका कसलो प्रतिसाद मेळलो हाचेर उलयलो. अशें आमच्या लोकामदें कोंकणी माध्यमा विशीं जाणविकाय निर्माण करचें काम आमच्या वांट्याक आयलें.

## ३. कोंकणी शिकप आनी शिकौप.

कोंकणी माध्यम कार्यरुपाक हाडूंक बरिचशी तयारी करची आसली. मुरग्यांक शिकौपाचे आदींच व्हडांनी आनी चड करून शिकौप्यांनी कोकणी बरे भाशेन शिकूंक जाय. देकून कोंकणी उलौप्यां खातोर आमी चार क्रमीक कोर्स सुरू केले. कोंकणी साहित्य प्रवेस, दर्शन, निरिक्षण, आनी परिक्षण– हे चार कोर्स साहित्य आनी व्याकरण शिकौपा खातीर तयार केल्ले. पयल्या दोन कोर्साक बरो प्रतिसाद मेळलो तरी तिसऱ्या कोर्साक तितलो प्रतिसाद मेळलो ना. आमच्या तरनाट्यांक घाम काडून वावर करची संवय तितली चडशी ना तें पळौंक वायट दिसता.

कोंकणी कांयच येना तसल्या व्हडां खातीर एक मुळावो कोर्स बरौन काडलो. तो वावरून तीन गटांक कोंकणी उलौप, वावप आनी बरौप ह्या केंद्रांत शिकयलो. येत्या उबाळांत आनीक एक गट हो कोर्स घेतले. हे सगळे कोर्स नागरी लिपयेंत शिकयतांव. मुळावो कोर्स रोमी लिपयेंत शिकयल्यार व्हडांक आजून चड फायदो जातलोसो दिसता.

आमच्या जायत्या शिकौप्यांक कोंकणी व्याकरणाचें फावतें गिन्यान आजून ना. देकून निर्मला कोलेजिच्या सहकारान शिकौप्यांक दोन नातल्यार तीन दिसांचे उजळगी कोर्स दिल्यात. चड दिसांचे कोर्स करूंक चडशे शिकौपी तयार नासतात. ह्या कोर्सांनी शिकौप्यांच्या प्रस्तांकडे आनी कोंकणी व्याकरणाकडे चड लक्ष दितांव.

## ४. कोंकणी माध्यम.

जेन्ना हो विशय राजकारणांत मरसलो तेन्ना आमच्या कोंकणी फुडाऱ्यांनी आपलें धोरण स्पश्ट केलें ना. ह्या संदर्भार ताणी मराठीक कसो तेंको दिलो तें समजव ना. इंग्लेजिचो विरोद केल्यार पावना. मानसीक, समाजीक आनी शिक्षणीक तत्वांचेर आमचें धोरण बांदचे बदलाक भावनांचेंर आदारीत सुचोवग्यो करून आमचेंच मदें गोंदळ उबजयलो. उतरांचे सुवातेर करण्योच चड फळादीक म्हण समजून घेवन आमच्या केंद्रान हे सकयले उपाय काडले.

## ४. १. मुळाव्या कोंकणी शिकौप्यांक कोर्स.

शिकौपी तयार करचें काम चड गरजेचें अशें आमकां दिसलें. जायत्या शिकौप्यांक कोंकणी भाशेचें मुळावें गिन्यान परयान ना कोंकणीचें सोड, इंग्लेज, मराठी वा दुसरे खंयचेय भाशेचें व्याकरण चडश्यांक येच ना. कांय जणांक नागरी लिपी येना, आनी कांय जणांक कोंकणीच सारकी येना. थोडी तरी कोंकणी आनी नागरी लिपी येता तांकांच आमच्या कोर्साच्या पैल्या दोन गटांक आमी विचूंन घेतलीं. कोणाक कोंकणी आनी नागरी सारकी येना तांकां उवाळांत आमच्या मुळाव्या क्रॅश कोर्साक आपयल्यांत. तितले भितर आमचें मुळाव्या कोर्साचें पुस्तक छापून येतलें, आनी कोणाक हो कोर्स शिकोवंचो आसल्यार हें पुस्तक वापरूं येतलें.

मुळाव्या शिकौप्यांचो सर्टिफिकेट कोर्स आमी निर्मला कॉलेजिच्या पालवान चलयतांव. सुमार ८० वराचो हो कोर्स सनवारा आनी सुटयेच्या दिसांनी आसता. भास शिकपाचीं सुत्रां, भास शिकौपाचीं तत्वां, भास शिकौपाचे हेतू आनी प्रकार–असले साधारण विशय आसात. तशेंच कोंकणी भास आनी व्याकरण –ध्वनी, उच्चार, लिपी, वर्ण, अक्षरां, व्याकरणी रुपां, वाक्य रचना– हांचें मुळावें गिन्यान दितात. मुळाव्या वर्गांनी तोंडी भास पयलो, म्हणजे आयकप आनी उलौपाचेर चड भर घालूंक जाय. भुरग्यांचीं गितां, काणयो, तरेतरेचे खेळ, चितारप आदी ल्हान भुरग्यांक कशें शिकौंचे–असले विशय आमी हाताळतांव. उलौप शिकल्या उपरांत वाचप कशें शिकौपाचें तें शिकवें पडता. वाचप शिकतच बरौप शिकूंक सोंपें पडता. जे वर्ण आकारान लागशिले आसात ते सांगाता शिकोवंक जाय. असल्यो गजाली जायत्या आमच्या शिकौप्यांक एकदम नव्यो दिसतात. खंयचे तरेचे पाठ कशे शिकौपाचे, Pattern Practice कशें शिकौपाचें, शिकपाचें घोळौप केन्ना आनी कशें करूंक जाय, शिकपाचें परिक्षण कशे करचे– असले बरेचशे विशय ह्या कोर्सांत शिकयतात.

## ४.२. पाठ्यपुस्तकां.

कोंकणी माध्यमाचो विशय काडतांच कांय जण पठ्यपुस्तकांच नांत असा फटकिरो प्रचार करतात. कोंकणी भाशा मंडळान काडलेलो पुस्तकां कांय साळो वापरतात. म्हण हांवेच कितलेशा जणांक सांगचें पडलें. हीं पुस्तकां मुद्रांक जाय हें खरें. गोंय राज्य शिक्षण संशोधन संस्था नवीं पुस्तकां काडूंक सोदता म्हण आयकलां. पूण तीं गोंय सरकारान हालींच काडलल्या मराठी पुस्तकां सारकीं जाय नासल्यार बरें आसा. मुळावे शाळे आदल्या वर्गा खातीर सरकार पुस्तकां काडी ना देकून आमी एक बाळपुस्तक छापूंक धरलां. कोंकणी माध्यमाच्या ह्या पैल्या वर्सा हें पुस्तक पैल्या वर्गातूय वापरल्यार बरो फायदो जातलो.

बाजारांत एकदोन चित्रवर्णमाळो आसात, पूण त्यो शिक्षणाचे आनी भासविज्ञानाचे तदरेन कमी पडतात. हांसून खेळून शिकुंया हें मुळावें पुस्तक अफसॅट पद्दतीन छापतलें. तांतूं २५० बयर चार रंगांचीं चित्रां आसतलीं. कोंकणी भाशेचे ध्वनी आनी उच्चार सगळ्यांत पैलीं शिकोवपाक पाठ आसात. पैल्या भागांत आयकून समजून घेवप, उलौप आनी वाचप हांचेर चड भार घातला. तशेंच कुडिचे सांदे, पोशाक, रंगांचीं नांवां, मोनजाती, सुकणीं, फळां आनी भाजयो–ह्या सगळ्यांचीं नांवां आनी ओळक हांगा दिल्या. पुस्तकाच्या दुसऱ्या भागांत वाचप आनी बरौपाचेर भार घातला. हांगा नागरी लिपी बरौपाक गरज आसात ते आकार आनी नमुने, संबंदीत वर्ण कशे सांगता शिकौपाचे, वर्ण आनी तांचे उच्चार– असलें विशय हाताळ्यात. भुरग्यांचें चडशें बरौप तांच्या पठ्य-पुस्तकांतच जातलें. बरौपाची संब्रंय घट करूंक पाटी वापरची पडतली. ह्या पुस्तकाच्यो कितल्यो प्रती खपतल्यो तें आतां सांगूं नज, कित्याक आजून जायत्या शाळा अधिकाऱ्यांनी कोंकणी माध्यम सुरू करूंक ठरौपाचें आसा.

## ४.३. शिकौप्यां आनी आवयबापांय खातीर हातपुस्तक.

सगळ्याच शिकौप्यांक आमच्या कोर्साक येवंक जायना. हांसून खेळून शिकुंया हें पुस्तक फकत भुरग्यांखातीर आसलल्यान तांतूं शिकौप्यांक सुचोयण्यो दिवंक जायना. कांय आवयबापूय आपल्या भुरग्यांक घराच मार्गदर्शन दीवं सकतात. आमी काडूंक धरलां तें हातपुस्तक मुळाव्या पुस्तकाची पुरवणी आसतली, आनी शिकौप्यांक आनी आवयबापांयक मार्गदर्शन दिवंक चड उपकारतलें अशें आमकां दिसता. हाकाच लागून ह्या पुस्तकांत विवरण इंग्लेज भाशेंत दिलां. पैल्या भागांत पाठ कशे शिकोंक जाय, ते कशे गरजे प्रमाण बदलूंक जाय, पाठाचें घोळौप कशें करचें, असल्या विशयांचेर बरी वशी माहिती दिल्या. तशें दर पाठाक उपकारतात तसले ड्रील अभ्यास, बालगितां, काणयो, भाशेखेळ आदी दिल्यात. पुस्तकाच्या दुसऱ्या भागांत आनीक ४० बालगितां, सुमार २५ चडीत काणयो, आनी चाळीस एक भुरग्यांक उपकारतात ते खेळ दिल्यात. चडीत दिल्ल्यो ह्यो वस्तू शिकौप्याक चड उपकारतल्यो, आनी गरजे प्रमाण वापरूंक येतल्यो. सुमार ५०० जणांनी हें पुस्तक मागलां आनी तें छापून आयलें पळेतच आनी कांय जणां तें मागून घेतलीं अशें दिसता.

## ५. जावंक आसा तो वावर.

आमचे मदल्या सगळ्यांनीच आमी करूंक धरला तसलोच वावर करूंक जाय अशें हांव म्हणना. आमी सगळेच कोंकणी शिकौपी नव्हय. पूण आमकां सगळ्यांक कितें ना कितेंयतरी करूंक येता. बेस्टो बोवाळ उटयल्यार पावना. आमी कोणाचेच आड उलय नासतां, मायभाशेंत शिकप घेतल्यार कितें फायदो आसा तें लोकाक सांगूं येता. बरौप्यांनी आनी पत्रकारांनी असलो प्रचार करूं येता. कांय इंग्लेजवाद्यांनी नाका जाल्लो प्रचार करून आवयबापायच्या मनांत गोंदळ निर्माण केला. आमच्यान तसल्यांक शांतरणी खासकी उलौपांत कितें मत आनी कितें फट तें दाकोवन दींव येता. दर एकल्यान असलो बरो प्रचार करून आवयबापांयक पटोवन दिलें जाल्यार चड फायदो जातलो. गांवागांवानी ल्हान

( पान २८ पळयात)

# गोंयकारांनी आपलें राज्य आनी शिक्षण कोंकणी भाशेतल्यान करूंक जाय

खास मुलाखत घेवपी : **तुकाराम शेट** -- *सुरेश ज. बोरकार*

– ' कोंकणी व्याकरण ' या पुस्तकांतल्या मनोगतांत राज्य, शिक्षण, आनी साहीत्य या तीन सुत्रांत तुमी शिक्षणाविशी सिद्धान्त मांडला. ते विशी तुमी चड सुलेस्तार करून सांगशात ?

– पयली गजाल म्हळ्यार, आपणे राज्य करप. गोंयकारानी गोंय सुटकेमेरेन राज्य करूं ना. जो इतिहास आमकां खबर आसा तेप्रमाण गोंयकारांनी आदल्या तेंपार गोंयांत राज्य करूं ना. सदाच दुसऱ्यांनी केलां. तें राज्य आतां गोंयकार पयलेच फावट करता. राज्य करप म्हळ्यार आपणे धनीपण गाजोवप, तूं तर तुजे राज्य चलयतलो जायत. धनीपणान जर ते चलयतलो जायत, जाल्यार ते तुजे भाशेन जावचे पडटलें. हांगसर आपणे खंयचीच तडजोड करूंक फावना, कारण आपुण धनी. आपुण जर धनी आसा तर तें राज्य आपलेच भाशेतल्यान करपाक जाय. हो विशय गोंयकाराक पटोवंक बरोच कळाव लागतलो. कळना तांका. पटचेंय ना तांका. हाचे कारण अशें, आजमेरेन आमी राज्य चलोवना या कारणान हे धनीपण म्हळ्यार किदें आनी राज्य करप म्हणजे किदें हाचो आमकां कुस्कूट लेगीत अदमास ना. पुण आमी जर इतिहास पळयलो, चडशे करून युरोपियन लोकांचा इतिहास पळयलो जाल्यार आमकां अशें दिसतलें, तें लोक आपली राज्यां आपलेच भाशेन चलयतात, चलयत आयल्यात. देखीक पुर्तुगेज पुर्तुगेजीत चलयतात. स्पेन स्पॅनीश भाशेत चलयतात. फ्रान्स फ्रेंच भाशेत चलयतात. जर्मन जर्मनीत चलयतात. इंग्लंड इंग्लीशीत चलयतात हेर आपापल्या भाशांनी चलयात.

**– मदींच अेक आड प्रश्न करतां. इंग्लेज लोकांनी जांचेर राज्य केलां, त्या लोकांनी, इंग्लेजांची भास दवल्या कांय किदें ?**

– थोड्यानी दवरूंना आसतली. थोड्यांनी दवल्ल्या आसतली. पुण ही परक्यांची भास दवरप म्हळ्यार जें पयलेसाकूत वसणूकेची गुलामगिरी आमी घेवन आयल्या तीच फुडें व्हरप असोच ताचा अर्थ जालो. ताका मागीर आमी वेगवेगळ्या तरांनी कशें ते थंय ते सांगू. पुण जे अर्थी जे परके भाशेतल्यान, जे भाशेन वसणूके काळांत राज्य केलें, तेच भाशेतल्यान राज्य मुखार व्हरप, हाका अर्थ ना.

**– म्हणजेच परत वसणुकूच आमी चलोवप जा ी.**

– हय. हय परत वसणूकद चलोवप जाली पुण दुसरे तरेन. आमी जर खरे अर्थान स्वतंत्र जाले– अशे जर आमकां दिसता जाल्यार– आमची राज्यां आमकां आमचेच भाशेतल्यान चलोवची पडटलीं आमचें राज्य. म्हुणटां तें ल्हान न्हय. आमचे राज्य खूब व्हड. कोटी कोटी लोकांचे राज्य. तांतूत गोंय ल्हान आसत पुण भारतांतलीं राज्यां आसात ती कोटी कोटी लोकांचीं आसात. तांच्या भाशांचो परंपरा आसात. इंग्लीशीपरसूय पोन्नी. अश्यो परंपरेच्यो आमच्यो भासो आसताना ती राज्यां इंग्लीशीतल्यान कित्याक चलचीं ? चलोवंक फावना. आनी तेच पद्धतीन गोंयचें राज्य हेर खंयचेच भाशेतल्यान चलोवंक फावना. तें आमचेच भाशेतल्यान चलोवंक जाय. आतां आमची भास खंयची हे तूं म्हाका विचारशीत. पुण सुदैवान ह्या प्रस्नाचो निर्णय लागलो. पंचवीस वर्सांनी आयज कोंकणी राज्यभास जाली. सुदैवान हो जो निर्णय लागलो ताचो आमी चडांत चड फायदो घेवप. आता आमी आमचें राज्य आमचे भाशेनल्यान चलोवकूच जाय. कारण तांतूतच आमचें धनीपण आसा. आमचे राज्य आमी आमचे भाशेतल्यान चलोवपाचो हो सिद्धान्त अेकदां मान्य केलो, तर आमचें राज्य आमी आमचे भाशेतल्यानूच चलोवंक जाय. भारत देश हो अनेक राज्यांचो आनी अनेक भाशांचो देश जाल्यान आनी ही राज्यां खूब व्हड जाल्यान तें तें राज्य तें तें भाशेतल्यान चलप हें योग्य आनी भाशावर प्रांतरचना जाली हें ताकाच लागोन.

– आमीं राज्य चलोवप हातुत शिक्षण खंय बसता ? राज्य चलोवपाक आमी शिक्षण बी घेवंक जाय ?

– अेकदा आमी थारायलें, आमचे राज्य आमचे भाशेतल्यान चलोवंक जाय म्हुटकच शिक्षण आमचें कशें जावचें ? शिक्षणाचे माध्यम किदें आसचें हें सगळे प्रस्न आमकां समजूपाक बरे जालले. शिक्षण हे राज्य, राज्याच्या प्रशासनाक पूरक. शिक्षण हे राज्यापरस वेगळे कांय न्हय. जे जें किदें राज्याच्या जाय. जे जें किदें राज्याच्या प्रशासनाक जाय तें तें सगळें शिक्षणातल्यान ताका मेळूंक जाय.

– हय हय. तुमी म्हुणटा ते बरोबर, जशें इंग्लेजांनी भारतांत सत्ता हातासली मागीर शिक्षण सुरू केलें कारण आपली सत्ता आपल्या हातांन उरची आनी मागीर राज्य चलोवचें या खातीर.

– म्हुणटकच खंयचे भाशेतल्यान हे शिक्षण जावचें पडटलें ?

– आमचे भाशेतल्यान.

– हय स्वभाविक. गोंयांत हें शिक्षण कोंकणीतूच जावचें पडलें.

– गोंयांत कोंकणी भाशेतल्यान शिक्षण– मुळाच्या शाळांपासून

– जावचे कां फकत विद्यापीठ पावड्यांमेरेन आसा ?

– गोंयांत शिक्षण विद्यापीठ पावड्यांमेरेन आसा म्हुणटकूच थंय मेरेन हें कोंकणी माध्यमांतल्यान शिक्षण आसचें पडलें. हाका दुवावूचना. जितलें चडांत चड शिक्षण तुज्या राज्यांत तूं दिवपाक शकता तितलें मेरेन हें कोंकणी माध्यमांतल्यान शिक्षण आसूंक जाय. म्हुणटकूच गोंय विद्यापीठाचें माध्यम इंग्लीश कित्याक आसूंक जाय ? म्हाका कळना. ताचें माध्यम कोंकणीच आसूक जाय. ताचें माध्यम जर कोंकणी आसलें तर गोंय विद्यापीठाक संलग्न जी कॉलेजां आसात तांचें माध्यम कोंकणींच जावचें पडलें. तांचें माध्यम कोंकणी जालें जाल्यार हायरसेंकडरीचें माध्यम किदें जावचें पडलें ? कोंकणींच जावचें पडलें. हायर सेकंडरीचें माध्यम कोंकणी जाल्यार सेकंडरी शाळांचें माध्यम कोंकणीच जावचें पडलें. ते जर कोंकणीं जालें तर मुळाव्या शाळांचें माध्यम किदें जावचें पडलें ?– कोंकणीच जावचें पडलें. तर ही खरी प्रक्रीया आतां चल्ल्या ती उरफाटी. गोंय विद्यापीठांचें माध्यम इंग्लीश म्हणून हायर सेकंडरीचें माध्यम इंग्लीश, हायर सेकंडरीचें माध्यम इंग्लीश म्हणून हायस्कूलाचें माध्यम इंग्लीश. हायस्कूलाचें माध्यम इंग्लीश म्हणून मुळाव्या शाळांचें माध्यम इंग्लीश. म्हणून केजींचें माध्यम इंग्लीश. आनी केजीन आपल्या भुरग्यांक बरें पडूंक जाय म्हणून आवयबापायचें माध्यम इंग्लीश. – कारण फुडें इंग्लीशींत शिकोवचें पडलें म्हणून. म्हुणटकूच व्हदळ जो सिद्धान्त आमी मांडलो, गोंयकारानी आपलें आपलें राज्य आपलें भाशेतल्यान करूंक जाय. या सिद्धांतात हो प्रक्रीया खंय बसता ? बसना. जर ही प्रक्रीया या सिद्धांतात बसना तर ती कुशीक काडून उडोवंक जाय. आमच्यो तात्कालीन गरजो किदेय आसूं. तांचो आमी मागीर विचार करपाचो. पुण अेकदां हो सिद्धांत आमी मान्य केलो म्हुणटकूच जी प्रक्रीया चालू आसा ती कुशीक काडून उडोवपाची.

– सध्या इंग्लीशीतल्यान शिकपाची पद्धत जी चल्ल्या ती आमी कुशीक उडोवंक शकता कांय किदें ?

– ती आमी कुशीक काडूंक शकनात. हाचें कारण गोंयकारांक शिक्षण म्हळ्यार किदें आनी ते आमी किदचाखातीर शिकोवंक जाय हाचें आजून बरें ज्ञान ना. गोंयकाराक शिकप म्हळ्यार पोट भरपाखातीर अेक साधन जोडप. हांव गोंयकारांचो अन्याय करीना, जर ताचो असो समज आसा तर. कारण आयज इतली वर्सा परकी सत्तेखाला तांका जियेवचें पडिल्ल्यान ताचें मुखार अेकूच प्रश्न पडलो आनी तो म्हळ्यार पोट कशें भरचें. म्हणून सरकारची जी भास ते भाशेतल्यान आपणें शिक्षण घेतल्यार आपणाक नोकरी मेळटली या हेतान तो सदाच **सरकारी भाशेतल्यान** शिकला. गोंयांत पुर्तुगेजांचें मुस्तीन दोन माध्यमातल्यान गोंयकार शिकताले अेक पुर्तुगेज– गोंयांत रावपाक आनी नोकऱ्यो करपाक आनी दुसरी इंग्लेंज, हिन्दुस्थानात वचून नोकऱ्यो करपाक. गोंयकारांचो सदांच हांवेस नोकरी करप. हाचें पयल्यान गोंयकार केन्नाच गेलो ना. गोंयकार संवसारभर पातळला पुण तो नोकर म्हुण पातळला, तो धनी म्हुण वचूना. मोठे मोठे पदांचेर गोंयकार पावला. पुण ही मोठी मोठी जाली तरी गोंयकार सदाच नोकरूच रावला, अेक लहानशीं देख दितां. घोड्याक कितलोय जरीं सजयलो तरी ताका आपलें फाटीर ते धनयाक, तो मागीर किदेंय न्हेसू वो कसोय आसूं. ताकां फाटीर बसोवचोच पडट्टा. अशे रितीन गोंयकार जंय जंय गेला थंय प्रामाणिकपणान आपल्या धनयाचें काम केलां. मागीर तो धनी कसोय आसू आनी कोणीय आसू. म्हणून गोंयकारांची अेकंदर चाल अशी जाल्या, नोकरेखातीर शिक्षण. आतां नोकरेखातीर शिक्षण आमी म्हळ्ळें जर जायत तर आमी परत आमचीं शिक्षणाकडे पळोवपाची नदर तपासून घेवची पडटली. कांय गजाली म्हाका हांगा सांगन दिसता त्यो अश्यो, – जी शंभर भुरगी पयलीत आसली ती १९८५ त एस. एस. सी. चे परीक्षेत १० टक्के पास जाली. अशेंच पद्धतीन ही भुरगी १९८. त १५ टक्के पास जालीं आनी अशेच तरेन १९ ७ त सरासरी ० टक्के पास जाली.

– म्हुणजे १० टक्के भुरग्यांकूच शिक्षण मेळटा असो जालो ना अर्थ !

– ताच्याकूय आमी फुडे या. बारावी पास जाल्या भुरग्याक नोकऱ्यो मेळटात कांय किदें ? बारावी पास जालो की. ताका नोकरी मेळटा, अशी आयज परिस्थिती आसा कांय किदें ? ना. आनी आसत जर १० भुरग्यांक मेळटा आनी ९० भुरग्यांक मेळना. अशी परिस्थिती नासत जर कितलें भुरग्यात मेळटा ताचो आमी ल्हानसो हिशेब करूं या. ह्या, पास जावपाच्या प्रमाणांत अेक तृतीयांशूच धल्लों जाल्यार पयलो वर्ग घेवन ३ टक्के भुरगी पास जातात. त्या ३ टक्के भुरग्यांक अेकादे वेळें नोकऱ्यो मेळटा अशें धरूं या. ही सगळी भुरगीं इंग्लीश माध्यमातूच आयल्यात. म्हुणटकच ९७ टक्के भुरग्यांक नोकऱ्यो मेळपाची शाश्वती ना. म्हुणटकच इंग्लीश माध्यमांतल्यान आमचो भुरग्यांक नोकऱ्यो मेळल्यो हो जो आमचो समज आसा तो आमी खरो कसो म्हुणू येता. हांव फट म्हुणीना. कित्याक तो लोकांचो समज. लोकांक अणभव आयल्याबगर शाणेय जायना आमी कितलेय आड्डलें. आमी कितलेंय सांगलें, जोमेरेन लोकांक अणभव येना तोमेरेन लोक शाणे जायना, पुण आमकां भितल्यान दिसना, जे किदें आयज चलता तें सारखे ना. हातूंन लोक फसता, फसवतात आनी जसो हुंवारांत आपूण व्हांवन वता तसो गोंयकार या हुंवारांत व्हांवन चल्ला. ताका आपूण खंय व्हांवन चल्लां, आपणें किदें करूंक जाय आपणें कसलें शिक्षण घेवक जाय तेच कळना.

– तुमी आता सांगलें तें बऱ्या खरें आसा. पुण कोंकणी माध्यमातल्यान भुरगीं शिकली तर तांका नोकऱ्यो मेळटल्यो कांय किदें ?

– हो फावा तो प्रश्न केला ताचो जाप अशी. शिक्षण नोकरेखातीर घेवप तेव पयली चुकीचें आनी ते नदरेन विचार करून आपल्या भुरग्याक शिकोवप हें सामके चुकीचें.

– शिक्षण हें कित्याखातीर हें मात्शें सांगश्यात ?

– आमी आमचें पयल्यां सिद्धान्ताकडे वचूंया. गोंयकाराक आपलें राज्य आपलें भाशेन करूंक जाय–किदचाखातीर करूंक जाय. कारण तो आपल्या राज्याचो धनी जाला. मागीर तो दुसऱ्याचें भाशेतल्यान

राज्य कित्याक करतलो आपली भास असताना. तो आपलेच भाशेतल्यांन करतालो. म्हुण्टकच तूं जेन्ना तुज्या राज्याचो धनी जाता. आनी शिक्षण हे राज्याच्या प्रशासनाक पूरक अशें म्हुण सांगलां. तेंन्ना शिक्षणातल्यान फकत नोकऱ्योच करप हो ताचो अर्थ जायना. जो जो मनीस हांगासर काम करतलो. शेतांत करतलो, कारखान्यानी करतलो, वो लोक आपल्या वेगवेगळ्या वेवसायांना करतले हे सगळे लोक या राज्याचें धनी. तांका नोकऱ्यो कित्याक करच्यो पडटल्यो ? आनी ताका नोकऱ्यो कित्याक करच्यो पडच्यो? करूंक पडूच फावाना, या पयली नोकऱ्यो करच्या पडटाल्यो कारण राज्य परक्यांचें आसतालें. आतां नोकऱ्यो करूंक पडू जायना कारण राज्य आपलें आसा आपूण धनी आसा. जेन्ना तूं धनी आसता तेन्ना तुकां नोकऱ्यो कित्याक करच्यो पडटलो ?

– म्हणजे लोकांनी आपापले उद्योगधंदे करप अशे तुमी म्हण्टा.

– हय, लोकांचे वेगवेगळे धंदे आसा, वेवसाय आसा, ते करूंक जाय. या वेवसायांत धंदचातूच स्वाभिमान आसा. धंदचातूच धनी पण आसा. नोकरेत धनीपण ना. नोकरी म्हुण्टा ती निमाणेकडे येतली. जेन्ना तुजेकडे करपासारके हातांत कायच ना तेन्ना तूं नोकरी करतालो. ताचे पयली तूं नोकरेच्या वाटेक वचचोचा. गोंयकाराक नोकरी करूंक आयज लज दिसपाक जाय, दिसूंक जाय. गोंयकाराक आयज संवय जाल्या, शिकतकूच नोकरेक धांवप हाची ताका लज दिसूंक जाय. नोकरी कोण करतालो ? ज्याका हेर कमलेच साधन ना. जो आपल्या हातांन कांयच करूंक शकना. जो दुसऱ्याचेर अवलंबून आसा. ताकाच नोकरी करची पडटली. म्हुण्टकच गोंयकारानी परावलंबी जांवचें अशें दिसता ? आनी तेंय आपल्या राज्यांत आपूण राज्याचो धनी आसतना ? कांय किदें ? हाचेर विचार करून ताणे थारावचें पडटलें. म्हुण्टकच नोकऱ्यो करूंया हो जो विचार आसा तो हांगा काटी पडचो अशें दिसता.

– हय नोकऱ्यो फक्त राज्याच्या प्रशासनांत उरतल्यो. आनी त्योय थोडचो.

– हय. त्योच गोंयकाराक मेळटल्यो हाचे खातीर शिक्षणाची जी सगळीच प्रक्रिया आसा ते व्होगडावपांत अर्थना.

– गोंयकार जे गोंयाभायर आनी जे देशाभायर वयता तांचे किदें ?

– सांगतां. परत आमच्या सिद्धांताकडे या. गोंयकार गोंयचो धनी जाला. आनी गोंयकार हांगासर राज्य करतलो आनी ताका जर हांगासर राज्य करूंक जाय तर ताका भायर किदयाक वयचे पडटले. हां, पुण अशेय आसताना अेखादेवेळे अशे धरूंया, कांय गोंयकाराक दिसता, हांगा साप्प बरें चलना आनी हांगा आमकां जे किदें मेळटा तांतूत हांगा रावपांत कांयच अर्थना. आमी भायर गेल्ले बरे. जें शिक्षण गोंयांत दिता, ते गोंयांत रावतले आनी फुडें राज्य चलयतले तांका. भायर वतल्याक न्हय. भायर वतल्याक भाशेचे जे ज्ञान आसा तें ताणी जोडपाचें. जशे समजा तूं जर्मनीक गेलो तुका जर्मन भास शिकची पडटलीं. तूं जपानाक गेलो जाल्यार जपानी शिकचो पडटली. तशेच तूं इंग्लंडाक गेलो जाल्यार तुका इंग्लीश शिकची पडटली. पुण तें माध्यम जावक शिकना. माध्यम आमचोच भास आसूंक जाय. आनी आमचेच भाशेत जांवक जाय. आयज जायना जाल्यार फाल्या जांवक जाय. फाल्यां जायना जाल्यार धा वर्सांनी. धा वर्सांनी जायना जाल्यार शंभर वर्सांनी. शंभर वर्सांनी जायना जाल्यार दोनशो वर्सांनी जांवक जाय. जांवक जाय म्हणजे जांवक जाय.

– इंग्लीश वो हिंदी ह्यो भासो माध्यम म्हुण घेवच्यो न्हय ?

– म्हज्या मतान घेवच्यो न्हय. कारण जर तूं तुजे राज्य तुजे भाशेतल्यान म्हळचार कोंकणीतल्यात चलयतलो जाल्यार इंग्लीश वो हिंदी ह्यो माध्यस जावपाचो प्रश्नूच येना. अशे जरी आपलें तरी ह्यो भासो आमकां पुरायेन येवपाक जाय. आमकां त्यो उलोवंक येवंक जाय. आमकां त्यो बरोवंक येवंक जाय. आनी तांतून बरयलेली पुस्तकां वाचून आमकां ताचो अर्थ कळपाक जाय.

– भास म्हणून शिकलो जाल्यार इंग्लीश वो हिंदी म्हुणूना यो भासो उलोवंक, बरोकूय येतल्यो ?

–येवंक जाय कारण आयज संवसारभर इंग्लीशींचें अध्ययन दुसरी दुसरी भास म्हुण जाता. इंग्लीश संवसारभर दुसरी भास म्हुण शिकतात. आनी संवसारभर लोक तिचो वापर करतात. उलोवन करतात. बरवन करतात. माध्यम म्हुण न्हय. ताणी आपापल्यो भासो माध्यम म्हुण राखून दवल्या. संवसारभर शिक्षण तांचे तांचे भाशेतल्यान चलता. पुण इंग्लीश आयचे परिस्थितीक लागून तांका जाय पडिल्ल्यान ते इंग्लीश दुसरी भास म्हुण शिकतात. अशे तरेच ते ती भास आयज शिकतात. ती भास तांका उलोवंक येता, बरोवंक येता आनिक तांतूत बरयलेली पुस्तकां वाचून तांका समजता. म्हुण्टकूच युरोपांतल्या दुसऱ्या देशांत जे घडूंक शकता ते आमकां शक्य जांवचेना अशे आमच्यानी कशें म्हणू येता. आमकांय तें शक्य जांवक जाय पुण हांगा अेक ल्हानसो प्रश्न आसा, धनीपणाचो विचार आमकां नाशिल्ल्यान आमी आमचे भाशेत आमचें राज्य चलूंक जाय हो विचारूच आमचे तकलेंत येनाशिल्ल्यान जें सोपेपणान चलता. जे आयजमेरेन हिंदुस्थानांत चलत आयलां ते तशेंच मुखार चलचें सोपेपणान चलचें अशें आमकां दिसता. म्हुण्टकूच इंग्लीश भाशेकडे तितले परकेपण नाशिल्ल्यान ते आमी माध्यम म्हुण घेवन आमी मुखार वता. आनो चलता तेन बरोबर तांतून किदें चूक आसा अशें आमकां दिसना.

– इंग्लीश भास ह्याचेय फुडे आसा तशीच उरतली अशें आसा.

– ना. जगाचो इतिहास पळयलो जाल्यार, भासो आयल्यो आनी गेल्यो. कांय इतिहासिक कारणाक लागोन कांय भासो वयर रसरतात कांय सकयल पडटात. म्हुण्टकच आमच्यानी सांगूक जांवचे ना. फुडल्या शंबर वर्सांक इंग्लीश उरतली म्हुण. अेखादी उरत. अेखादी खंयचीय भास येत. गोंयची देख आमकां सारखी बरी आसा. अेका काळार हांगा पुर्तुगेज चलताली. २५ वर्सांत इंग्लीश कशी जाली. इतिहासाक लागून जाली. अेका काळार आमकां दिसतालें, पुर्तुगेज शिकल्याबगर आमकां तरणोपाय ना. आतां आमकां दिसता इंग्लीश शिकल्याबगर आमकां तरणोपाय ना. म्हुण्टकच आमी अशेच हालत रावतले? अशें आमी बदलत रावतले ? संवसारात जसो जसो बदलत घडटा तसो तसो आमच्या माध्यमांत बदल घडयत वतले ? आनी

आमका तो शक्य जातलो ? आमी परत गुलामगिरीत पडटले. आमी गुलामगिरीत पडल्या ताचे कारण शिक्षणाचें माध्यम. **शिक्षणाचें माध्यम म्हळचार केंद्र. तें आमी घट्ट दवरीनासताना परिस्थितीक लागून बदलत वता. ताका लागून आमी धनीपण विसरता. आनी आमी सोपेपणान दुसऱ्याचे गुलाम जातात.** म्हण्टकच हो परिस्थिती आमी मुखार चलोवंक दितले कांय किदें ? कांय आमचें जें केंद्र आसा तें आमी घट्ट धरतले आनी ज्यो ज्यो भासो संवसारांचेर आमका गरज पडटा, ज्यो भायल्या आवाठांत गरज पडटा त्यो आमी बदलत रावतले आमी आमचें केंद्र घट्ट दवरून, आमी गोंयकारानी हाचेर विचार करचोच पडटलो. म्हण्टकच कोंकणीतल्यानूच सगळें शिक्षण करून हें केंद्र आमी घट्ट करचें पडटलें आनी जशे जशे भायर, संवसारांत भाश्यांच्या पांवडचार बदल घडत वता तशे तशे आमी शिकतले. आमी आमच्या भुरग्यांक शिकयतले· परिस्थिप्रमाण. समजा अशी परिस्थिती आयली, जपानी शिकल्याविगर उपाय ना तेन्ना किदें आमी जपानी माध्यम करतले ? ना, आमचे माध्यम इंग्लीश आनी जपानी करतले ? अशें जांवचें ना. आमचें माध्यम कोंकणीच उरतलें घट्ट बरें उरतलें आनी आमी ती परिस्थिती आयल्या उपरान्त जपानी शिकतले.

– शिक्षणाच्या मळार वेगवेगळे विशय आसात म्हुणूया, विज्ञान, इतिहास, भूगोल, अशे वेगवेगळे विशय आसात ते आमी कोंकणीतल्यान शिकतले कांय किदें ?

– अेकान अेक विशय आमी कोंकणीतल्यानूच शिकतले. हांगा अेक वेळ दुबाव येव येता. इतल्या वयल्या पांवडचार ती पांवू येता. तिका तितली घटसाण आसा ? आमी तिच्यान हे शिकोंव येता. आनी इतली पुस्तकां बरोवन, वाचून आमी मुखार वचूं येता ? हांगा हांव ह्हानसो दाखलो दितां. गोंयांत मेडिकल कॉलेजीत आमचे भुरगे पुर्तुगेजांचे मुस्तीत पुर्तुगेज माध्यमांतल्यान शिकोन दोतोर जाताले ताकां जर तुमी आयज विचारीत. बाबा तुमी पुस्तकात कशे शिकताले ? कसली पुस्तकां तुमी वाचताले ? जाल्यार ते तुमकां सांगतले–पुर्तुगेजीचे वांगडा–स्पॅनीश भाशेतलीच पुस्तकां, फ्रेंच भाशेतली पुस्तकां, इंग्लीश भाशेतली पुस्तकां आमी वाचताले आनी ती वाचून आमी दोतोर जाल्यात. म्हुण्टनच गोंयांत इतलो बरो दाखलो आसा, हाचेवयल्यान आमकां अशें कळटा, माध्यम म्हुण्टा ती गजाल वेगळी. आनी शिकपाची माधन म्हुण्टा ती गजाल वेगळी. कोंकणी माध्यम जेन्ना जाता तेन्ना, समजूया कोंकणीत तितली पुस्तकां नात. आनी खंयचे भाशेत जाय तितली आसात ? इंग्लीशीत आसात. आनी इंग्लीश आमची दुसरी भास म्हुण आसाच आनी ती शिकोवन तितली तयारी केल्याच तेन्ना इंग्लीशीतल्यान ही पुस्तकां वाचून आनी समजून घेवपाक आमकां कसलीच आडखळ येवची ना. तेन्नां ती पुस्तकां इंग्लीश भाशेंत बरयल्यां म्हुण इंग्लीश माध्यम आसूंक जाय अशें ना. जशें पुर्तुगेजांचे मुस्तीन ती पुस्तकां फ्रेंचीत बरयल्यांत म्हणून फ्रेंच माध्यम जायना आसलें आनी स्पॅनिश भाशेंत बरयल्यांत म्हुण स्पॅनिश माध्यम जाय नासलें. पुर्तुगेजूच माध्यम उरतालें. जशें ते पुर्तुगेजूच माध्यम उरून आमचे लोक दोतोर जाले, दुसरे माध्यमांतली पुस्तकां शिकून तेच पद्धतीन कोंकणी माध्यम दवरून जर तितली पुस्तकां तुजे भाशेतल्यान रचपाक शक्य जायना जाल्यार दुसऱ्या भाशांनी पुस्तकां आसात ती शिकून, चड करून इंग्लीश भाशेतल्यान शिकून, किद्याक इंग्लीश भास म्हुण शिकताच. म्हण्टकूच इंग्लीश माध्यम जावपाची प्रस्न खंय आयलो वेगवेगळे विशय, घेवया, तत्वज्ञान, भूगोल कित्याक जांवचोना ? खंयचो विशय कित्याक जांवचोना ? जर त्या भाशांनी जाता तर आमचे भाशेतल्यान जांवकूच जाय. खंयचीच अशी वस्त आमची ना ती तुजें भाशेंतल्यान तुकां सांगूक जांवची ना. सांगूक जातलीच. फकत तुका इत्सा जाय फकत तुजो ल्हानसो यत्न जाय. आपलें जें आसा तें आपूण आपले भाशेतल्यान करतलो म्हुण. ही इतली इत्सा जर तुजे भितर उल्ली जर जायत जाल्यार खंयचीय गोश्ट तुकां तुजे भाशेतल्यान जाता आनी जावंक जाय. आनी दुसरें भाशेबगर आमकां तरणोपाय ना तेच दुसरें भाशेतल्यान जावंक जाय अशें ना. आनी तेच भाशेतल्यान जावंक जाय म्हुण्टा तेन्ना दुसऱ्याचे पांगेत रावप बरें दिसता आनी आयज मेरेन आमी दुसऱ्यांचेच पांगेंत रावल्यात म्हुण आमकां तशें दिसता.

– समजा, भारतांतल्या सगल्या राज्यांनी आपआपल्या भाशांतल्या माध्यमातल्यान शिक्षण दिलें तर भारताचो अेकचार आसा तो उरतलो कांय किदें ?

– उरतलो. याविशी म्हाका इल्लोय दुबाव दिमना. आनिक अशे पद्धतीन जर शिक्षण जालें, विद्यापीठ मेरेन. त्या त्या राज्यांत ते ते भाशेतल्यान जाल्यार हो अेकचार चड घडूंक पावतलो. कारण आमका समजूंया. महाराष्ट्रात वचूंक जाय आनी थंयच ताका रावपाचें आसा अशी कल्पना करुंया जाल्यार, तो मराठी शिकतलो आनी वतलो. मराठी लोकांक केन्नाव दिसचेना की, हो आमचेर अन्याय जाला म्हुण कारण तो मराठी शिकुनूच तो थंय गेला. तो थंय रावतलो आनी तो तांचेकडे, ते मातयेकडे अेकरुप जातलो. तेच पद्धतीन जेन्ना मल्याळी मनीस गोंयांत येता तेन्ना ताका हांगा कोंकणी शिकची पडटली आनी कोंकणी शिकून हांगासल्या लोकांकडे नाते दवल्या उपरांत ताका आपूण हे भूंयेचो कसो दिसतलो. आनी गोंयकाराकूय ता परकीसो दिसचोना. हाका लागून तो राज्यांत वता त्या राज्याची भास ताका शिकची पडटली आनी हातूंतल्यानूच अेकचार जातलो. आयज जे इंग्लीशी लागून ताका त्या राज्यांची भास ताका शिकची पडना हाका लागून राज्यातल्या लोकांक दिसता हो आमचे किदें पूण व्हरता. हाका लागून अेकचार जाता कांय अेकमेकाकडे वितुश्ट येता ? म्हजे नदरेन अेकमेकाकडे वितुश्ट येता. फाल्या जेन्ना ताका त्या राज्यांत त्या लोकांची भास शिकून ताका थंय रावचें पडटले आनी वयचें पडटलें तेन्ना वितूश्ट येवपाचें ना. कारण तो त्या राज्यांची भासूच शिकला.

– त्या भायर आमकां संपर्क भासो आसात न्हय.

– हय. आमी हिन्दी आनी इंग्लीश ह्यो संपर्क भासो म्हुण शिकिल्यान आमच्या भारत देशाच्या अेकचाराक खयच बाधिकाराक जायना, जावकच शकता,

– इंग्लीश माध्यमातल्यान जे शिक्षण चालू आसा ताचे परिणाम वायट जातले, कांय बरे जातले ?

– हाचे परिणाम सामके वायट जातले. कारण ते सैमाक धरून ना. ही भुरग्यांची भास न्हय. हांगा अट्टाहासान भुरग्यांची भासच करूंक सोदप म्हळ्यार भुरग्यांची हे भुंयेत, हे मातयेंत जी मुळां आसात ती कापून उडोवप आनी अेकदां ही मुळां कातरून उडयली म्हण्टकच ती परत घट्ट करपाक कळाव लागता. बरोच त्रास पडटलो.

– हाचो अर्थ गोंयांत जे केजोत फॅड आयलां तें धड न्हय तर.

– सामकें धड न्हय. म्हज्या मनांत सगळ्यांत व्हड गुन्हाव आमी चलयला, आतां केजीचे शिक्षण सुरू केलां ते जातां तितलें बंद करचें. कारण आनी कांय वर्सांनी हाचे वायट परिणाम तांकाच भोगचे पडटले. कारण अेक तर ताका सगळ्यांक नोकऱ्यो दवरूंना आनी सगळोच भुरगीं हांगा बरी इंग्लीश उलोवंक शिकली अशेंबी जालें जाल्यारूय तांका कोणे नोकऱ्यो दवरूं नात. त्याभायर मातयेकडे आपले भुंयकडे तांचे नाते आपले भाशे लागोन उरूंक नाशिल्ल्यान तेंवटेचेय न्हय आनी हेवटेचेय न्हय अशी मदली परिस्थिती तांची जातली.

– आपले भुंयेत परकी कशे जातले.

– हय आपले नीज म्हण्टा तें तांका मेळचेना. आनी आमी तांका किदें दिलेंना अशें जातलें. फकत भाशेक लागोन आमी तांचे अत्याचार केलो अशें जातलें. जी भास हरशी दुसरे उपाय वापरूं आयज जे जगभर वापरतात, ते वापरून आमचीं भुरगी इंग्लीश भास बरेभाशेन उलोवन आनी बरे भाशेन बरोवन, बरे भाशेन शिकून तयार जातली आमली आनी आपले भूंयकडे, आपले मातयेकडे नातें दवरतली आसली. तीच भुरगीं उबंत पडिल्लेच जातली. हाचे मानसिक परिणाम अशें जातले, भुरगी व्यसनाधीन जातलीं. आयजूच तें आमकां कळटा. आयज जी व्यसनां भोवतपं चल्ल्यां ताचे जे परिणाम आयज आमी पळयतात ताचे मूळ कारण माध्यम.

– आनिक संस्कृतींची वळखूय जांवचीना.

– जे शिक्षण आपले भाशेतल्यान जायना तें शिक्षण आसलें किं नासलें किदें अेकूच नाशिल्ले जाल्यार चड बरे. कारण अेक अनपढ उरिल्लो बरो पुण परकी माध्यमातल्यान शिक्षण घेवन आपूण मा अेक मोठो जालों या कल्पनेतूच रावप हावे इतलों आत्मवा आनिक दुसरो ना.

– गोंयांत गळटेचो प्रस्न बरोच आसा तेविशी तुमचे विचार किदें

– जेन्ना भुरग्यांक कळटा वा जेन्ना भुरग्यांच्या आवय-बापय कळटा, हातुंतल्यान आमी खंयच मुवार पावना तेन्ना जी भुरगी घराकडे रावतात शाळांनी येनात, ताका आमी गळटी म्हणतात.


# IRRIGATION DEPARTMENT

GOVERNMENT OF GOA.

PARTICIPATES IN THE DEVELOPMENT OF THE STATE BY EXECUTING THE DEVELOPMENTAL WORKS UNDER WATER RESOURCES

Through construction of :

1. **Salaulim Irrigation Project.**
2. **Tillari Irrigation Project.**
3. **Anjunem Irrigation Project.**
4. **Command Area Development works in both Anjunem & Salaulim Irrigation Projects.**
5. **Minor Irrigation Schemes such as Construction of Bandharas, Tanks and Lift Irrigation.**
6. **Chapoli Irrigation Project.**

and

MANY OTHER SCHEMES UNDER WATER RESOURCES DEVELOPMENT.

Issued by :- **Irrigation Department**
PANAJI-GOA

कित्याक लागून जाता ? कारण अेक तर ह्या शिक्षणातल्यान वो, शिक्षणातल्यान नोकरी मेळटा हो भ्रम देंवता, आमकां र कळून येता, शिक्षणातल्यान नोकऱ्यो मेळनात आनी हें आमकां कळूंक लागले, आमकां अशे दिसता, ही भुरगी नी वतात आनी शिकतात त्यापरस बरांनी उल्ली तर खंय पयशे जोडून आमकां आदार दितली आसली. गरीब दुबळ्याक दिसता. आनी हाका लागून तो तांका शाळेत धाडीना आनी घराकडे उरता.

कोंकणी माध्यम जालें तर ही गळटी कमी जातली कांय उरची

कोंकणी माध्यम जालें तर शिक्षणाकडे पळोवपाची नदरच वेगळी ली. हें शिक्षण नोकरेखातीर न्हय हे सुर्वेकूच अवयबापायक जटलें. पुण भुरग्याचेर बरे संस्कार जावंक जाय, भुरग्याक जगाचे येवंक जाय, भुरग्याक आपूण कोण हें कळूंक जाय, हें जातले भुरग्यान आपल्या शाळेंत वचूंक जाय हें ताका कळटलें आनी च तो ताका शाळेंत धाडटलो. भुरगे नापास जावपाचे प्रमाण व कमी जातलें. कारण गोंयकार भुरगो हुशार, माध्यमाकच न तो फाटी पडटा. हो मुळाकूच हुशार आशिल्यान नापास पाचें प्रमाण कमी जातलें आनी मुखार चलत वतलो.

नी शिक्षण हे भुरग्याच्या भाशेतल्यान जातले.

य आनी नोकरी हो उद्देश नाशिल्यान तांच्यात निर्शेवगी येवची समजा फाल्या तो बि. ए., बी-कॉम जालो आनी ताका नोकरी ना. आयज ताका निर्शेगी येता. फाल्या ताका निर्शेगी येवची कारण तो बि अे. आनी बीकॉम शिकला तो नोकरी करपा-ीर शिकूं ना. ही भूमिका जेन्ना ताची जातली, जेन्ना तो आपले च्या माध्यमातल्यान शिकतलो. सगळे संस्कार ताचेर ताचे च्या माध्यमातल्यान जातले. तेन्ना ताका शेतांत देवपाक लज पाची ना. ताका नांगर हातांत धरपाची लज दिसपाची ना. आनी ह्यां पी.एच.डी. लेगीन जालो तरी ह्या भुरग्यांक शेताचे विखलात दवरपाक ताका कसलीच लज दिसची ना. उरफाटे जाल्यार ा अशें दिसतलें, आपूण करता तें सारकें. आयज ताका लज ता, आयज ताका इंग्लीश माध्यमांतल्यान शिक्षण घेतिल्या रणान अशें दिसता आपुण शेतांत देवप न्हय.

म्हुणजे तो भुंयेकूच परको जाला.

हय. आयजच्या शिक्षणातल्यान तो भुंयेकूच परको जाला. ती तो भुंयेक परको जाल्यान समाजांत जें आयज अस्वास्थ ा ते निर्माण जालां आनी हेच रितीन हें मुखार उरत जाल्यार अस्वास्थ्य कशेंच बंद जावचे ना ते आनिकय वाढतले. आनी यवशीन तें सगळ्या समाजाक व्यापतलें. गोंयकारानी आयज बरें जूंक जाय. व्हांवते हुंवार तशें आपणे व्हांवप कांय आमी मात्सो थांमप आनी विचार करप आमी खंय वता कित्याखातीर वता. मकां किदें जाय. हे पळोवप, गोंयकारानी हाचेर बरेतरेन विचार क जाय. थांबूक जाय मात्सो वेळ. राज्य जालें, तुमी धनी

जालें म्हणटकच थाबोंक जाय थोडो वेळ. आडावो घेवंक जाय. मुखार आमी कशे वतले, आमकां किदें साधपाचें आसा. तुका जर सगळ्यांत चड आनी बरें किदें साधपाचें आसात जाल्यार तुजी मुळां घट्ट जावप, तुजी संस्कृती जी आयज जे गढतीन आयल्या ती घट्ट करप, भुरग्यांक तुजे भूंयेविशीं प्रेम निर्माण जावप, ताचेर बरे संस्कार जावप, कोंकणी माध्यम जालें जाल्यार आयज इंग्लीश माध्यमाखातीर जो मानसिक ताण सोसचो पडट तो तांचेर अजिबान सोसचो पडचोना, कारण तांच्याच माध्यमातल्यान तो शिकता. आनी हाका लागोन संबंद समाजाचे स्वास्थ बरें उरूंक पावतलें. गोंयची भुरगीं, मुखावयल्यो आमच्यो पिळग्यो बऱ्यो उरतल्यो. तांची समतोल वाड जातली आनी आयज शिकल्या उपरान्त काम करपाक जी लज दिसता ती फाल्या ताका लज दिसचीवना, वयल्यान काम करपाक तांका भूशण दिसतलें.

— ❀ —

---

## मुळाव्या शाळांनी कोंकणी माध्यम

( पान २२ वेल्यान )

ल्हान जमाती आपौन लोकाच्या मनांत आसात ते दुबाव पैस केल्यार चड बरें जायत.

क्रिस्तांव इस्कोलांनी इल्ली इल्ली करून कोंकणी भितर सरतली, पूण हेरांचें कशें ? मराठीक म्हजा विरोद ना, पूण कोंकणी मायभास आसलल्या भुरग्यांक मराठी इंग्लेजी इतलीच परकी. देकून दर गांवच्या आवयबापांयक आमी जागोवंक जाय : धा–पंदरा आवयबापूय आपल्या भुरग्यांखातीर कोंकणी मागतात तर सरकारान हांकां शिकौमी दिवंकच जाय. कोंकणी भाषा मंडळाच्या वांगड्यांनी हो आवयबापांयक जागौमाचो वावर आतां केल्यार कोंकणी भाशेक नव्यान जीव येतलो हांतूं दुबावच ना.

— ❀ —



# शिक्षणांत कोंकणीची सुवात कितें आसा ? कितें आसची ?

— प्रा. कमलाकर द. म्हाळशी

कोंकणी भाशेक काय शेंकडे वर्सांचो इतिहास आसूनूय, १९७१ च्या जगणना–अहवालांत कोंकणीक स्वतंत्र भास म्हूण मान्यताय मेळूनूय आनी १९७५ त कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळूनूय कोंकणी ही भास काय बोली हांचेर वाद घालपाक आनी कोंकणी देवनागरींतल्यान काय रोमींतल्यान हाचो घोळ घालपाक कांयजाण आजूनुय आपली अक्कल व्हगडायतात ! खरें म्हळचार कोंकणी प्रजेच्या आवाजासकयल समस्त गोंयकारांनी ४ फेब्रुवारी १९८७ दिसा गोंय विधानसभेवरवीं राज्यभास विधेयक मंजूर करून घेतकूच आनी ३० मे १९८७ दिसा गोंयाक घटकराज्याचो दर्जो मेळटकूच कोंकणी सगल्या आंगांनी चंवरून येवपाक जाय आसली. मात्त कोंकणीची जलमकुंडलीच इतली, 'कर्मकट्टी' की आयजूय 'शिक्षणांत कोंकणी भाशेची सुवात कितें आसा ? कितें आसची ?' ह्या प्रस्नांची जाप सोदपाक आमकां धडपडचें पडटा. आतां हे धडपडीफाटल्यान इतिहासीक कारणां आसातच. देखूनच त्या कारणांची परिस्थितीसयत सोद घेतलेबगर आमच्यांनी फुडें वचूं नज. गोंयकार कोंकणी उलयतालो, पूण कोंकणी शिकनासलो, इतलेंच न्हय तर कोंकणी वाचनासलो, कोंकणी बरयनासलो, हो इतिहास. कोंकणी संबंदान तांका व्हडलोसो अभिमानूय दिसनासलो हें कडू सत्य. परकी सत्तेवांगडा गोंयच्या ख्रिश्चनधर्मियांक ते वेळार मेळिल्ली पुर्तुगेज, इंग्लेज भास आनी चडशा हिंदुधर्मियांक मेळिल्ली मराठी, कानडी भास हें ताचें एक इतिहासीक कारण. ताका लागून आरंबाच्या काळांत तरी गोंयकार स्वभाशेसंबंदान उदासीन आशिल्लो. ख्रिस्तपुराण रचपी फादर स्टीफन हो कोंकणी साहित्याचो आदयपुरुस जावनूय गोंयकारांमदलो भाशेसंबंदाची अस्मिताय जागोवपाचें क्रांतीकारी काम पयले सुवातेर केले ते पुर्तुगेज राजवटीचे जनरल सेक्रेटरी आनी भाशाप्रेमी अधिकारी कुन्य रिव्हार हाणी हें मान्य करूकच जाय. हरशीं १७ व्या शेंकडचात पुर्तुगेज सरकारान कोंकणीचेर बंदी हाडिल्याचे दिसता. देखीक, धर्मोपदेशक आर्चबिशप लाव्हारीशांचो 'पाद्रींनी पुर्तुगेजींतूच उलोवक जाय' हो हुकूम. पूण ताचोच परिणाम म्हूण, प्रतिक्रिया म्हूण श्री. मार्केझ द पोंबाल हांणी कोंकणीचे उदरगतीखातीर कॉलेज दुम नातुराईस (स्थाइकांचे कॉलेज) स्थापन केलें. आनी हे कॉलेजींत कोंकणीचें शिक्षण घेवन परिक्षा पास जाल्याकूच पाद्री म्हूण नेमपाची मागणी करून ती मान्यय करून घेतली.

श्री. कुन्य रिव्हार हांणी सरकाराक केल्ले विनंतीक मान दिवन सरकारान एक कमिटीची स्थापना केली. डॉ. फ्रांसिश्कु लुईश द गोमीश आनी श्री. बी. सी. सांतान पाशेकु ह्या दोगांची सभासद म्हूण जाल्यार कमिटीचे अध्यक्ष म्हूण कुन्य रिव्हार हांची नेमणूक केली.

२८ ऑक्टोंबर १८५९ त प्रसिद्द जाल्ले ब्रोंलतीं ऑफिशियालप्रमाण मुळाव्या शाळांतल्या शिक्षणाचो आरंब कोंकणीतल्यानूच जावपाक जाय असो हुकूम गव्हर्नरान काडिल्लो आनी दर एक प्रोफसराक शिक्षणविशयक धोरणाची २५ नेमाची एक नेमावळूय दिल्ली. पूण ताचो उपेग मात काय एक जालो ना. उपरांत ३० नोव्हेंबर १८६९ च्या शिक्षण कायदयाप्रमाण मुळावे शिक्षण सक्तीचें जालें. त्या कायदयाप्रमाण एक थळावे पळोवणी मंडळ स्थापन जालें ह्या मंडळान शिक्षणीक प्रगतीसंबंदान सादर केल्ल्या अहवालात दिल्ल्या गजालींतली एक म्हत्वाची गजाल 'मुळाव्या भाशेंतल्यान शिक्षण न दिल्ल्यान भुरग्यांचे लुकसाण जाता' ही आशिल्ली. पुर्तुगेज भाशेचें गिन्यान स्थानिक भाशेतल्यान दिवपाक जाय अशें अहवालात म्हणिल्लें. ते प्रमाण उपरांत १०–७–१८७१ त एक कायदो जालो. मात्त ताचो फायदो कोंकणीक मेळ्ळो ना. उरफाटें, मराठी–पुर्तुगेज मिश्र शाळा सुरू जाल्यो.

एकोणिसाव्या शेंकडयाच्या निमाण्या काळांत आनीक एक नामनेचो विद्वान गिरेस्त श्री. बार्राव द कुंभारजुवें हांणी कोंकणीसबंदान खूब बरें काम केलें. उपरांत श्री. जी. ओ. पिरीश, श्री. जनी रांजेल, श्री. ज्युलियु द मेल् बी लोकांनी कोंकणीतल्यान पुस्तकां काडलीं. पूण ताचोय व्हडलोसो उपेग जालो ना.

उपरांत १९०५ च्या अडमासाक पुर्तुगालांत इस्कॉल कॉलोनियाल द लिस्बोअ हे शिक्षणसंस्थेत कोंकणी भाशेचे शिक्षण दिवपाचे वर्ग सुरु केले. गोंयांतूय पणजेच्या लिसेवांत मराठी, कोंकणी भाशांचें शिक्षण दितालेच. लोकभाशांच्या बऱ्या अभ्यासाखातीर संस्कृत भाशेची गरज तेवेळावयले उच्च न्यायाधीश आनी खासदार डॉ. कायतानु गोंसालवीश हांणी पुर्तुगालचे लोकसभेंत नेटान मांडली आनी पणजे लिसेवार संस्कृत विशय चालू करून घेतलो.

पाद्री आपुलेयु कुंज हांणी निवृत्त जाले उपरांत कोंकणी शिक्षण दिवपी एक खाजगी शाळा पेडण्यांत सुरू केली. तांणी स्वता

शिकयलें, पुस्तकांय बरोवन प्रसिद्द केलीं. पूण तांचें उपरांत तें काम बंद पडलें. १९१६ त मात्त एक बरी उत्तेजक घटना घडली. गोवा कॉंग्रेस प्रोव्हिन्सियलाचें पयलें अधिवेशन १९१६ त गोंयांत भरिलें, तेन्ना २४ व्या थारावाप्रमाण गोंयच्यो थळाव्यो पद्धती आनी गरजो लक्षांत घेवन गोंयच्या शाळांनी मुळावें शिक्षण कोंकणीतल्यानूच दिवचें अशी मागणी अधिवेशनान केली. सरकारान ह्या थारावाची दखल घेवन तेसंबंदीचो तपशील थारावपाखातीर आनी कार्यवाही, अंमलबजावणीचे नदरेन सुचोवण्यो करपाखातीर डॉ. जुझे मारीय दे कॉस्त आल्वारीस हांचे अध्यक्षतेखाला एके समिती नेमणूक केली. समितीन येवजण तयार करून सरकाराक सादर केली. पूण ताची अंमलबजावणी मात्त जावंक शकली ना. कारणां दोन. एक हें काम खूब खर्चाचें, दुसरें चडशा हिंदुंची भाशेविशींची गुलामगिरी.

१९३२ त 'प्रोव्हिन्सियल कॉंग्रेस' चें अधिवेशन गोंयांत भरिल्लेवेळार प्रोफेसोर मारियानु जुजे द साल्दांज हांणी 'गोंयात कोंकणी शिक्षण' ह्या विशयाचेर प्रबंध सादर करून कोंकणी शिक्षणाची नेटाची गरज मांडली, ताचो परिणाम म्हूण गोंयांत रायतूरचे (राशोल) सेमिनारींत कोंकणी भाशेचे शिक्षण दिवपाक सुरवात जाली.

थोडचा तेंपान मुंबयत स्थापन जाल्ले 'गोअन एमिग्रॅंस फंड' हे संस्थेन थंय एक शिक्षणाची शाळा सुरु केली. वाचपाच्या ल्हान ल्हान पुस्तकांवागडा मुळाक्षरां तयार करपाखातीर एक सबकमिटी काडली. त्या कामाखातीर एक भाषातज्ञ प्रो. साल्दांज हांकां पॅरीस आनी लंडनाकूय धाडिल्ल्याचो उल्लेख मेळटा.

उपरांत कोंकणीखातीर साहित्य परिशद घडोवपी कोंकणीचे एक महर्षी भो. माधव मंजुनाथ शणै शानभाग' आनी स्वयंभू व्यक्तिमत्वाचे दुसरे वुदवंत जनक, महर्षी शणै गोंयबाब हांणीय शिक्षणाच्या मळार व्हडलो वावर केलो. अशें आसुनूय मिशनरी पाद्री लोकांच्या रोमींतल्या कोंकणीन ख्रिश्चनांच्या धर्मीक शिक्षणात जेदो व्हडली सुवात हातासली, तितली सुवात देवनागरी कोंकणी पयलींय आनी उपरांतूय मेळोवंक शकली ना, हो एक इतिहास ! मात्त मुंबयकार कोंकण्याच्या चळवळीन फेब्रुवारी १९५२ त मुंबयत भरिल्ल्या कोंकणी भाशा मंडळाच्या अधिवेशनान धाव्या थारावाप्रमाण पुर्तुगज सरकाराकडेन मागणी केली की कोंकणीक गोंय सरकाराची सरकारी भास म्हूण मान्यताय दिवची आनी मुळावे धरून मध्यमीक मेरेनच्या पांवडचाचेर कोंकणी शिक्षणाची सोय शाळांनी करची.

गोंय मेकळें जावन कोंकणी–मराठी वादाक उग्र रूप येवचे-पयलीं १० वर्सांआदीं कोंकणी शिक्षणासंबंदान घेतिल्लो हो थाराव म्हूण हाका विशेश म्हत्व आसा. अशें आसुनूय कोंकणी गोंयची राज्यभास करपाक ते उपरांत पसतीस वर्सां लागलीं आनी आजुनूय मायभाशेसंबंदान आमची भूमिका 'आग्रही' ना, ही गजाल विचार करपासारकी आसा.

१९६१–६२ चे आंकडेवारी प्रमाणूय गोंयांत पुर्तुगेजी वांगडा


**हुतात्मे आणि स्वातंत्र्यसैनिकांना**
**गोव्याची विनम्र आदरांजली !**

निसर्गाचा वरदहस्त आणि त्यास मिळालेल्या जनतेच्या अविरत प्रयत्नांची साथ यांच्या बळावर गोव्याने मुक्तीनंतरच्या काळात साक्षरता, वैद्यकीय सेवा सुविधा, कृषी, उद्योग, दळणवळण आदी क्षेत्रात लक्षणीय यश प्राप्त केले आहे.

ग्रामपंचायती आणि गट सल्लागार समित्याद्वारे गोव्याने केलेले कठीण परिश्रम यामुळे लोकशाहीवरील लोकांचा विश्वास अधिक पक्का झालेला आहे.

दुर्बल घटकांच्या दृष्टीने आपले स्वातंत्र्य अधिक अर्थपूर्ण करण्यासाठी राष्ट्रबांधणीच्या कार्यास वाहून घेण्याची प्रजासत्ताकदिनी नव्याने प्रतिज्ञा करुया.

**माहिती आणि प्रसिद्धी संचालनालय,**
**गोवा सरकारतर्फे प्रसृत.**

इंग्लेज, मराठी, उर्दू आनी गुजराथी भाशेच्यो शाळा दिसतात, पूण कोंकणीची मात्र एकय शाळा दिसना. पूण उपरांत शिक्षणा-संबंदान पळोवणी करपाक एप्रिल १९६२ त नेमिल्ल्या ह्या कमिशनाच्या शिफारशीक धरून गोंयांत ज्या सात माध्यमांतल्यान ( मराठी, कोंकणी, उर्दू, गुजराती, कानडी, इंग्लेज, हिंदी ) शाळा सुरू जाल्यो, तातूंत कोंकणीचो आसपाव जाल्लो दिसता.

१९६८-६९ ची शिक्षणीक आंकडेवारी तर कोंकणीच्या संदर्भात उमेद वाडोवपासारकी दिसता. ३२५६ भुरगीं ते वेळार कोंकणीतल्यान १ ली ते ४ थी मेरेनचें शिक्षण घेतालीं. दुसरें म्हळचार कोंकणी राजभाशेचो आनी नव्या शिक्षणीक धोरणाचो आकांतावो बोवाळ जाले उपरांत १९९०-९१ वर्सा कोंकणीत नोंद जाल्ली १३०० ही विद्यार्थी -संख्या ह्या ३२५६ मुखार 'नगण्य' दिसता ! इतिहासीक कारणांप्रमाणूच राजकीय कारणांक लागून आनी इंग्लेजीच्या वाडटच्या प्रभावावांगडाच अस्मितायेपरस पोटापाण्याचो प्रस्न लोकांनी म्हत्वाचो मानिल्ल्यान गोंयांत आयजूय शिक्षणात कोंकणीक फावो ती सुवात मेळिल्ली दिसना. अर्थात मदल्या काळांत आतां कांय कोंकणी शाळा कोंकणी भक्तांनी स्वखर्चान काडल्यो, हें मान्यूच करूंक जाय. निर्शेणेउपरांत पटारी अवस्तेउपरांत परतून एक फावट कोंकणी शिक्षणात घट मुळावण घालपाक पळयता ही जमेची गजाल.

इतिहासीक, राजकीय, समाजिक आनी सुवार्थी हेतूंच्या कारणाक लागून गोंय मुक्तीउपरांत कोंकणी माध्यमाच्यो मुळाव्यो शाळा जरी गोंयांत वाडल्यो नात तरी कोंकणी एक विशय म्हुण माध्यमीक पांवडचापसून विश्वविद्यालयामेरेन पावलो ही कितें उणीं गजाल न्हय ! कोंकणीसंबंदान निर्माण जाल्ल्या प्रेमाचें हें प्रतीक.

शिक्षणात कोंकणी भाशेचें स्थान कितें आशिल्लें हाची थोडी-भोव चर्चा आतामेरेन जाली. आतां कोंकणीखातीर स्थापन जाल्ल्या आनी हेर कारगांखातीर स्थापन जावनूय कोंकणीचो थोडो-भोव वावर करपी वा वावराक कारण थरिल्ल्या संस्थांच्या कामां-संबंदान पळोवया. इतल्यान कोंकणीक खंय कशी, कसली आनी केदी सुवात फाव जाल्या तें स्पश्ट जातलें.

## १. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव

कोंकणी भास आनी साहित्याच्या वावराखातीर स्थापन जाल्ले हें संस्थेन आरंबाच्या काळांत कोंकणी पाठ्यपुस्तकांची निर्मणी व्हड प्रमाणांत करून शिक्षणीक मळार म्हत्वाचो वावर केलो. सदयाक मुळावे शाळेखातीरची कोंकणी पाठ्यपुस्तकां कोंकणी भाशा मंडळाबदला ओरियंट लॉंगमन्स छापता, जाल्यार मध्यमीक पांवडचावयलीं पुस्तकां मात्त भाशा मंडळ आनी फुडलीं पुस्तकां मध्यमीक, उच्चमध्यमीक शिक्षण मंडळ तयार करून उजवाडायता. भाशा मंडळान शाळांखातीर शुद्धलेखनाचे नेम, कोंकणी व्याकरणां, पुरवणी वाचन पुस्तकां प्रसिद्ध कल्यांत.

भाशा मंडळ, कोंकणी विद्यार्थ्यांक उत्तजन दिवपाखातीर धावेंत आनी बारावेंत कोंकणीत चड गुणांनी उत्तीर्ण जाल्ल्या भुरग्यांक बक्षिसां दिता, जाल्यार गेल्या वर्सावन भुरग्यांच्या कलागुणांक वाव दिवपाखातीर मंडळान समूहगीतगायन सर्त सुरू केल्या आनी मंडळ अंदूसावन मुळावो पांवडो धरून कॉलेजमेरेनच्या भुरग्यांखातीर कथाकथन सर्त घेता.

भाशा मंडळान १९ ८ सावन कोंकणी शिक्षकांखातीर 'कोंकणी शिक्षक सनद' वर्ग सुरू केला. आतामेरेन सादारणपणान ३५० जाणांनी हें शिक्षण पुराय केलां. सदया मडगांव, पणजी आनी म्हपसा हे वर्ग चलतात.

भाशा मंडळ स्वताची विद्याभुवन कोंकणी शाळा चलयता. नव्या शिक्षणीक धोरणाच्या कार्यवाहीच्या संदर्भात भाशा मंडळान अंदू बऱ्या वावराक आरंभ केल्लो, मात्त तो तितल्या नेटान फुडें गेलो ना, हेंवूय तितलेंच खरें. शिक्षकांच्या प्रशिक्षणाच्या संदर्भात मंडळाप्रमाणूच मडगांव भौ. चंद्रकांतबाब केणी आनी तांच्या सांगात्यांनी बरो उपेगी वावरा केला. मंडळ सद्या मुळाव्या पांवडचाबयल्या शिक्षकांखातीर प्रशिक्षण वर्ग सुरू करपाक पळयता.

## २. तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र मिरामार

भाशा, भाशाविज्ञानीक, साहित्यिक, शब्दकोश, पोरणें, कोंकणी साहित्य, लोकवेद अशा स येवजण्यांसकयल कोंकणीचो संशोधनाचो वावर मिशन पद्धतीन करपी मिरामारच्या तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्रान १९८७ सावन काय म्हत्वाचे अशे कोंकणी साहित्य आनी व्याकरणाचे अभ्यासक्रम चालीक लायल्यात. ताचो तपशील असो-

१. कोंकणी साहित्य प्रवेश-२४ जागे-६ म्हयने-२ प्रस्नपत्रिका.
२. कोंकणी साहित्य दर्शन-२० जागे-६ म्हयने-३ प्रस्नपत्रिका
३. कोंकणी साहित्य निरीक्षण-२४ जागे-१ वर्स-६ प्रस्नपत्रिका
४. कोंकणी साहित्य परीक्षण-१५ जागे-१ वर्स-८ प्रस्नपत्रिका

ह्या वर्गांचो लाब जायत्या कोंकणी अभ्यासकांनी घेतला. मात्त सद्याक ह वर्सा केंद्रान हे वर्ग बंद दवरल्यात. केंद्राचे संचालक ताचें एक म्हत्वाचें कारण दितात तें अशें-सद्याचें गोंय शासनाचें शिक्षणीक धोरण बरे तरेन चालीक लावपाखातीर आमकां कोंकणी-विशीचें प्रशिक्षण घेतिल्ले कोंकणी शिक्षक जाय आनी हें खरें जाल्यार आमीच तांकां प्रशिक्षण दिवन तयार करपाक जाय. होच उद्देश मनांत बाळगून केंद्रान पणजेच्या निर्मला इंस्टीटयूट हे संस्थेच्या पालवान तेच संस्थेंत कोंकणी शिक्षक प्रशिक्षण वर्ग सुरू केल्यात. ७० वरांचो हो प्रशिक्षण-वर्ग दर शेनवारा चलता. आतामेरेन ३७ शिक्षकांनो हें प्रशिक्षण पुराय केलां ह्याफुडें हो अभ्यासक्रम ८२ वरांचो जातलो आनी तसोच दर शेनवारा वर्ग आसतलो.

केंद्रान के. जी. वा बालशाळांखातीर आनीक एक भोव गरजेची येवजण हातांत घेतल्या. भुरग्यांचे संवकळीची चित्रां आनी मोठ्ठ्या अक्षरांत मुळाक्षरां आशिल्ली एक ५२ पानांची पुस्तिका केंद्र छापता. पयलेच फावट वेगळ्या रुपांत म्हळचारूच ४ रंगांत एक

बाळबोध भुरग्यांखातीर कोंकणीत येता आनी ताचीं आनीक कांय खाशेलींपणां म्हळ्यार उलोवपाक 'प ब म' आनी बरोवपाक 'ग म भ न' ह्या अक्षरांनी आरंभ जातलो. हे पुस्तिकेचें नांव 'हांसून खेळून शिकूंया' अशें आसतलें. हें पुस्तक भुरग्यांक शिकोवपाखातीर शिक्षकांक मार्गदर्शक जावपी १५० पानांची 'कोंकणी प्रशिक्षण पुस्तिका' केंद्र काडटा.

## ३. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी

गोवा कोंकणी अकादेमीच्या जाळवणदारांकडल्यान मेळिल्ले म्हायतेप्रमाण अकादेमीन शिक्षणीक मळाचेर चालीक घायिल्ल्यो येवजणी अशो–

१) १९८६ त 'गोंयची बालगीतां आनी खेळगीतां' हें तुकाराम शेट हांचे पुस्तक उजवाडा हाडलें.

२) गोंयांतल्या १९० बालशाळांमदल्या (के. जी.) ६८ शाळांतल्या १०४ शिक्षिकांक बालगितां, बालनाच, बालखेळ, बालनाट्य हांचें प्रशिक्षण दिलें.

३) बालशाळांतल्या भुरग्यांखातीर मुळाक्षरां, अक्षररचना, फळां, फुलां, जनावरां, नुस्तें, मनशाची शरीररचना आनी आंगां हांचे तकटे तयार करपाचें काम चालू आसा.

४) भुरग्यांखातीरच्या गितांच्यो कॅसेटी काडपाचो वावर हातांत घेतला.

(ह्या दोनय येवजण्यांचो लाव गोंयांतल्या १९० बालशाळांतल्या भुरग्यांप्रमाण ४९० आंगणवाड्यांतल्या भुरग्यांकूय जातलो असो अदमास आसा.)

५) अकादेमीन इंग्लेज-कोंकणी-हिंदी असो शब्दकोश उजवाडायला.

६) ते भायर १९८८ वरसा कोंकणी शुद्धलेखनाचे नेम उजवाडा हाडल्यात.

हीं आनीक हाचेपरस विशेश कामां करपाखातीर अकादेमीत शिक्षणविशयक खाशेलो विभाग आसपाक जाय, अशी एक सुचोवणी हांगा केन्यार समा जातलें, अशें दिसता.

ते भायर भुरग्यांखातीर गितांच्यो कॅसेटी काडटा मुळाव्या, थळाव्या लोकगितांचो लोककाणयांचो आनी लोकखेळांचो वापर व्हड प्रमाणात जावचो, अशें दिसता. देखीक कांय पुस्तकां आचार्य रामचंद्र शंकर नायक हांचे 'भुरग्यांलो वेद-पयलो वांटो'

सौ. कमलादेवी राव देशपांडे हांचें 'गोंयकाराले पडवेर'

भोव. लुझियो रोद्रीगशांचें Folk Tales वेलें पुस्तक

तुकाराम शेट (गोंयची बालगीतां आनी खेळगीतां)

डॉ. मनोहरराय सरदेसाय (भांगराची कुराड), विजयाबाय सरमळकार (गांठले), प्रा. श्याम वेरेंकार (कुंडेकुस्कूर), श्री पांडुरंग फळदेसाय (आटलांक पेटलांक) अशा पुस्तकांचांय वापर जावचो.

रमेश वेळुस्कार, भरत नायक, अभयकुमार वेलींगकार हांच्या गितांचोय विचार जावचो.

## ४. राज्य शिक्षण संस्था, पर्वरी

पर्वरीच्या राज्य शिक्षण संस्थेन, संस्थेत कोंकणी विशयाचे खाशेले जाणकार नासतनाय कोंकणी शिक्षणाक आदार करपाचो समादानकारक वावर नेटान चलयला. प्रकल्प संघटक सौ. प्रिया फडके प्रमाण आदले संघटक श्री. कालिदास मराठे हांच्या मार्गदर्शनासकयल राज्यशिक्षण संस्थेन जाणटचांच्या शिक्षणाखातीर नवी वाट, सोपें वाचन सारकी पुस्तकां लेखक-संपादकांच्या आदारान काडल्यांत, जाल्यार भुरग्यांखातीर पयली सावन तिसरी मेरेन 'गोमंतभारती' पाठ्यपुस्तकां आनी शिक्षकांखातीर मार्गदर्शक-पुस्तकां छापल्यांत. प्रायोगिक तत्वाचेर कांय वेंचीक शाळांनी तीं पुस्तकां संस्थेन अभ्यासक्रमांत लायल्यांत.

## ५. मध्यमीक आनी उच्चमध्यमीक शिक्षण मंडळ, पर्वरी

मंडळान धावी आनी बारावेच्या कोंकणी पाठ्यपुस्तकां प्रमाणूच मध्यमीक पांवड्यावयल्या पाठ्यस्पुतकांच्या वावराक हात घाला. मंडळाच्या धावेच्या आनी बारावेच्या परिक्षेचो मार्च/एप्रील १९९० ची विद्यार्थी संख्या अशी आसा

धावी– ५३९१, बारावी– २०९८.

## ६. गोंय विद्यापीठ, बांबोळी

१९८७–१९८८ सावन गोंयचे विद्यापिठान एम्. ए. खातीर दोन पेपर कोंकणीतल्यान सुरू केल्यात. तेप्रमाण एप्रील–मे १९९० त एम्. ए. त परिक्षेक बशिल्ले वट्ट विद्यार्थी ३२ आशिल्ले, जाल्यार तेच वर्सा बी. ए. क तीन कोंकणी पेपर घेवन बशिल्ले विद्यार्थी आशिल्ले १३. तेभायर, गोंयांत बी. ए. भाग १, २ ह्या वर्गांना कोंकणी शिकपी भुरगें आसात आनी विशेश म्हळ्यार ८ वी, ९ वेच्या वर्गांनी कोंकणी शिकपी भुरग्यांचो आंकडो कांय हजारांच्या घरांत आसा.

कोंकणीक भूशण थारपी असो नांव घेवपासारको एक कोंकणी विश्वकोश रोखडोच उजवाडा येवपाचे नदरेन गोंय विद्यापीठांत डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांच्या मुखेलपणाखाला आनी डॉ. तानाजी हळर्णकार हांच्या संपादनाखाला बरो वावर चल्ला.

## ७. प्रौढ शिक्षण आनी साक्षरताय मिशन, पणजी

ह्या नव्यानच स्थापन जाल्ल्या खात्यान नव्या शिक्षणीक तत्त्वांक धरून प्रौढांखातीर 'आमचें शिक्षण १, २, ३,' नांवाचें एक पुस्तक तयार केलां आनी बरेवशे प्रौढ आतां कोंकणीतल्यानूय शिक्षण घेवपाची इत्सा उकतायतना दिसतात.

## ८. दाल्गाद कोंकणी अकादेमी

कोंकणी साहित्य भांडारांत देवनागरी, रोमी, कन्नड, मल्याळी अशा ज्या वेगळ्या-वेगळ्या लिपींनी साहित्य आसा तानुतले आरंबाच्या काळांतलें तरी चडशें साहित्य आनी धर्मीक बरपावळ रोमी लिपींतल्यान आसा. साहित्य-निर्मणी कराची गरज दिशीं दिशीं उणी जायत चल्ल्या, ही गजाल सामको खरी अशें जरीं आसलें तरी

पोरणे रोमी लिपींतले साहित्य सांबाळून दवरपाची, ताचेर संशोधन करपाची आनी ताचें संवर्धन करपाची गरज कांयजाणांक दिसली आनी तांणी 'दालगाद कोंकणी अकादेमी' नांवाची एक संस्था स्थापन केली. मात हे संस्थेचे लक्षांत घेवपासारकें अशें कसलेंच काम आजून सुरू जावंक ना, अशें संस्थेच्या जाळवणदारांकडल्यान कळटा

## ९. कोंकणी राज्यभास आनी लोकगाराणीं विभाग

कॉंग्रेस सरकारच्या राजवटींत गोंयांत राज्यभास कायदो मंजूर जालेउपरांत 'कोंकणी राजभास आनी लोकगाराणीं' विभाग सुरू जालो. मात्त कांय वरसां तो विभाग कामांविरयत तस्सो उरलो. पुरोगामी लोकशाय आघाडेचे सरकार गोंयांत येतकूच पयलेच फावट मुख्यमंत्री डॉ. बार्बोझ आनी ह्या खात्याचे मंत्री चर्चील आलेमांवानी कोंकणी राज्यभास कायदो चालीक लावपाची उमेद दाखयली आनी गोंयचें खडेगांठ कोंकणी म्हालगडे, संपर्क-अधिकारी आंतोन पियेदाद मोराईश हांणी गोंयभर भोंवडी करून, जागृताय करून सरकारी अधिकाऱ्यांक आनी कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण दिवपाचा येवजण आंखून बरेतरेन चालीक लायली. आतांमेरेन १७ वर्गांतल्यान ७०० जाणांनी कोंकणी राजभाशेचें प्रशिक्षण घेतलां, जाल्यार सद्याक ९ वर्गांतल्यान ३०० जाण हें प्रशिक्षण घेतात. सद्या सुचोवण्यो दिवन मार्गदर्शन करपाक एका सल्लागार मंडळाची नेमणूक केल्या. भौ. मोराईश-बाबांनी ह्या कामाखातीर पुराय खात्याची मागणी केल्या. तेभायर पारिभाषिक शब्दकोशाचें काम चालू आसा. सद्या चंद्रकांत केणी हांचे इंग्लीश-कोंकणी-हिंदी उतरावळीवयले पुस्तक उजवाडा आयला.

## १०. आकाशवाणी

पणजी आकाशवाणी हीं गोंयची, गोंयकारांखातीरची आकाशवाणी म्हणटकूच ती समस्त कोंकण्यांखातीरची कोंकणी आकाशवाणी जावपाक जाय आसली अशें विधान कोणेंय केल्यार तें सभावीकच. मात्त, गोंयांत परंपरेन चलत आयिल्ले मराठीच्यो खूबशो कार्यावळी पणजे आकाशवाणीचेर जातात, हें मान्य करुनूय चडशो कोंकणी कार्यावळी बी चलतांतूच हेंवूय तितलेंच खरें. अर्थात्, हाचेपरस चड व्हड प्रमाणांत कोंकणी कार्यावळी हे आकाशवाणीचेर जावंक जाय.

अजाप म्हळ्यार १९४५ सावन गोंयचे आकाशवाणीचेर कोंकणी कार्यावळींची वितरावणी जावपाक लागिल्ल्याचो इतिहास आसुनय हातूंत आयज फावो तितलो वेग दिसना! इतलेंच न्हय तर लिज्बोआचे एमिसोस नास्योनालावयल्यान १९५५ सावन आनी मुंबय केंद्रावयल्यान १९५२ सावन कोंकणी कार्यावळींची वितरावणी चालू जाल्ली आसतनाय मेकळ्या गोंयांतले पणजी आकाशवाणीचेर फावो ते प्रमाणांतल्यो कोंकणी कार्यावळी फावो तो दर्जो (पांवडो) घेवन प्रसारित जायनात हाचीं कारणां सोदपाची गरज आसा. आकाशवाणीचे अधिकारीच हाका जापसालदार काय आमी कोंकणी लोकूय जापसालदार?

## ११. दूरदर्शन

गोंयांत पुरोगामी लोकशाय आघाडेचें सरकार आयले उपरांत २३ जून १९९० दिसा गोंयांत दूरदर्शनचो कार्यावळ निर्मगी विभाग सुरू जालो आनी दरदिसा अर्द वराच्यो कार्यावळी कोंकणीतल्यान वितरावपाक आरंभ जालो. पूण मुंबय दूरदर्शनाचेर सप्तकांतल्यान एक दीस कोंकणीक मेळटालें तें अर्दवर परवडलें, मात्त ही आमचीच कार्यावळ आमकां सद्या 'नाकापुरो' करपाक लागल्या, हें सामकें कडू सत्य! हो 'पाबंडो' सुदारपाची वा बदलपाचा जापसालदारकी आमी कितलो तेंपमेरेन कुशीक सारतले? गोंयचे सोडात, महाराष्ट्रातले मराठी लोक गोंयांत येवन पणजे दूरदर्शनाचेर कोंकणी कार्यावळी करपाक लागता म्हणसर?

वतां वतां कोंकणी शिक्षणांतले सद्याचे परिस्थितीचेर नजर मारप बऱ्याक पडटलें. शिक्षणखात्याचे १९८९-९० वर्सांचे आंकडेवारीप्रमाण गोंयांत फक्कत ८ कोंकणी मुळाव्यो शाळा चलतालो अशें दिसता. कुडवडचावेल्या फादर आग्नेल मुळावे शाळेचो उल्लेख तातूंत मेळटा, मात्त कोंकणी भाशा मंडळाच्या विद्याभुवन मुळाव्या शाळेचो नोंद खंयच मेळना. कारण ती हालींचे रजिस्टर जाल्या अशें कळटा. कुडवडचावेले शाळे भायर गंवळ-शेळडें आगाळी-सालसेत, खारबांदII, दिकरपाळी, फतेपूर-नुवें, काराळी आनी वेर्णा ह्या जाग्यांनो कोंकणी शाळा चलतात. ह्यो सगल्यो सरकारी शाळा आनी कांय आडवाद सोडून भोवतेक सगळ्या सालसेत तालुक्यांतल्यो.

आतां, १९९०-९१ शिक्षणीक वरसा गोंयच्या शिक्षणीक मळाचेर कितें घडलें, ताचो परवड हांगा म्हणपाची गरज ना. ती सगळे जाणातच. इंग्लेज माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांक अनुदान न दिवपाच्या शिक्षणीक धोरणाक लागून गोंयभर खवळ जालो. कोंकणीखातीर 'हुतात्मे' जावपाचो हावेस उक्तावपी कांय जाण कट्टर 'इंग्लेजवादी' जाले. विरोधी सभा, मोर्चे, उपोषणां जालीं. शिक्षणीक मळार उकतेपणान राजकारण आयलें! ताचो परिणाम मात्त वायटमो जालो ना. खरो कोंकणी मनीस अंतर्मुख जालो शिक्षणीक धोरणाचे मागणेक नेट आयलो, नव्या पुरोगामी लोकशाय आघाडेच्या सरकाराक आपले धोरण नेटान फुडें व्हरपाक नितीक धाडस मेळ्ळें. सरकारान कोंकणी शाळा उगडटल्यांक सगले तरेची मदत दिवपाचें आश्वासन दिलें. इतलेंच न्हय, तर 'एक भुरगो आसल्यारुय सरकार कोंकणी माध्यमाची शाळा उकती करतलें अशी घोशणा करुन, सरकारान तशें परिपत्रकूय शिक्षणखात्यावरवीं शाळांक धाडलें.

म्हणटकूच सगले तरेन अनुकूल अशें वातावरण पयलेच फावट गोंयांत निर्माण जालें. आतां गांवागांवानी कोंकणी शाळा उकल्यो जावपाक कोणाचीच कमलीच हरकत नासली. पूण ना म्हणपाक भुरग्यांची आवयभास थारावपाचो हक्क देवान आपल्याकूच दिला अशें मानपी पालकांनी मात्त कोंकणी माध्यमाचो अजिबात विचार केलो ना! परिणाम? गोंयांत कोंकणी मुळाव्यो शाळा व्हड प्रमाणांत सुरू जाल्यो नात. पूण ना म्हणपाक ज्या इंग्लेज माध्यमाच्या ८९ शाळांनी कोंकणी माध्यमावे पयलेचे वर्ग सुरू जाले, तांचो संख्या आनी तातुंतल्या भुरग्यांची १२०० ही संख्या वाढोन उमेद वाढा-

पासारकीच आसा. कारण, गोंयांत परतून एक फावट इतले व्हडा ख्येन भुरगे कोंकणी कडेन आयले. 'कोंकणी शिक्षक' नांवाच्या ण्याची संख्याय पयलेच फावट घसघशीतशी दिसपाक लागली. लशाळांच्या पांवडचार कांय शाळा सुरू जाल्यो त्यो अशो– ाडोळच्या कोंकणी सेवा केंद्राचें कोंकणी शिशुकेंद्र, श्रीस्थळ– णकोणच्या मल्लिकार्जुन सेवक भजनी मंडळाची कोंकणी–मराठी ांगणवाडी. अर्थात चडशा बालवाडयांनी आंगणवाडयांनी कोंकणी– राठी माध्यमच चलता. इंग्लेज मराठी शाळांनी हाचेपरस वेगळें त्र दिसना.

ह्या वर्सा गोंयांत ४३ कोंकणी पुस्तकां, १५ मराठी पुस्तकां नी ४ इंग्लेज पुस्तकां उजवाडा आयलीं, असो हिशोब कांय जाण तात. ताचो अर्थ साहित्यिक मळार कोंकणी हेर भाशांपरस मुखार वली, बरें आसा! पूण शिक्षणीक मळार कितें? थंय आयजूय लेज, मराठी–इतलेंय न्हय तर कानडीपरसूय कोंकणी कितलीशीच टीं आसा!!

देखीक, पुराय गोंयांत अंदू वर्सा नांवनोंदणी केल्ली सादारण २०० भुरगीं आनी हाचेपयलीं चवथे मेरेन पाविल्लीं सादारण १०० भुरगीं मेळून १३०० भुरगीं कोंकणीचें मुळावें शिक्षण घेतात, हें मान्य करूनय एका वास्कोंतच १३०० भुरगीं कन्नड माध्यमांतल्यान शिकतात, ही गजाल आमी कोंकणी लोकांनी देख घेवपासारकी आसा. पर्थून, १९९०–९१ चे आंकडेवारीवयल्यान कांय गजाली स्पश्ट जातात त्यो अशो– दक्षिण गोंयांत उत्तर गोंयापरस चड कोंकणी शाळा चलतात. (उ. गोंय–२४, द. गोंय–७३) जाल्यार दक्षिण गोंयांत आनी पुराय गोंयांत सालसेत तालुक्यांत सगल्यांत चड म्हळ्यार ४८ शाळा आहात; जाल्यार पेडणें, सांगे आनी फोंडें तालुक्यांत फकत एकेक शाळा चलता. दिवचल आनी सत्तरींत मात्त एकूय कोंकणी शाळा चलना.

शिक्षणीक मळाचेर आनी चडकरून मुळाव्या तेवपरी मध्यमीक शिक्षणाच्या पांवडयाचेर उमेद वाडोवपासारकी कांय पुस्तकां अुर्दू कोंकणीत आयल्यांत. एक, भौ. चंद्रकांतबाब केणी हांची इंग्लेज–कोंकणी मुळावी उतरावळ आनी दुसरें भौ. गुरुनाथबाब केळेकारांचें 'आमची अ आ इ ई' हो चित्रबोध. हाचेपयलीं १९४० त भौ. शणै गोंयबाबांचे 'कोंकणी मुळावें पुस्तक,' १९६० त भौ. रवींद्र केळेकारांचे 'कोंकणी लिपी बोध' अशीं कांय पुस्तकां


भारतीय प्रजासत्ताकाच्या ४१ व्या वर्धापन दिनानिमित्त राज्यातील दीन, दलित, आदिवासी, स्त्रिया आदी समाजातील दुर्बल आणि उपेक्षित घटकांना सामाजिक व आर्थिकन्याय प्राप्त करून देऊन त्यांच्या जीवनाला इतर जनता जनार्दनाबरोबर समृद्धीचा स्पर्श व्हावा या उद्दिष्टाने सतत निर्धारपूर्वक पाऊले टाकण्याचा महाराष्ट्र शासनाचा संकल्प आहे. या दिशेने साधलेल्या राज्याच्या सर्वांगीण प्रगतीची साक्ष देणारी काही ठळक वैशिष्टये–

लक्षावधी अल्प व अत्यल्प भूधारकांना त्यांच्यावरील एकूण रुपये ५०० कोटींच्या कर्जाभारातून मुक्ती.

गाव हाच विकासाचा घटक मानून रोजगार हमी योजनेचा श्रमशक्तींशी समन्वय.

राज्यातील लक्षावधी हेक्टर पडित जमीन फळांच्या लागवडीखाली आणून शेतकऱ्यांना अधिक उत्पन्न प्राप्त करुन देण्यासाठी १०० कोटी रुपयांचा फलोद्यान विकासाचा महत्वाकांक्षी कार्यक्रम.

आठव्या पंचवार्षिक योजनेत सहा लक्ष लोकांना रोजगार देण्याचा निर्धार. रोजगारात स्त्रिया व अनुसूचित जाती– जमातीच्या लोकांना अग्रक्रम.

ग्रामीण भागातील दैन्य दूर करण्यासाठी अविकसित भागात स्थापित करावयाची ६२ विकास केंद्रे आणि ९४ लघु औद्योगिक केंद्रे यांची निवड.

मागास भागात उद्योग सुरू करणाऱ्या उद्योजकांना विशेष सवलती आणि अनिवासी भारतीयांच्या संकल्पित ७५ औद्योगिक घटकांना मंजुरी.

गडचिरोली, चंद्रपूर आणि धुळे जिल्ह्यातील आदिवासींच्या जलद विकासासाठी कालबद्ध विशेष कृती कार्यक्रम.

कोकण रेल्वे प्रकल्पाच्या आर्थिक भाराचा मोठा वाटा उचलून त्यास गती देण्याचा संकल्प

राज्यभर साजऱ्या होत असलेल्या महात्मा फुले स्मृतीशताब्दी आणि डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जन्मशताब्दीनिमित्त या थोर विभुतींच्या समग्र साहित्याचे पुनर्मुद्रण करण्याचा निर्णय.

ज्ञानेश्वरी सप्तशताब्दीनिमित्त ग्रंथराज ज्ञानेश्वरीच्या स्वस्त आवृत्तीचे पुनर्मुद्रण. संत तुकाराम महाराजांच्या गाथेच्या पुनर्मुद्रणाचा संकल्प.

**कृतिशील शासन – – – महाराष्ट्र शासन**

**'लोकराज्य नियमित वाचा – – – – – वार्षिक वर्गणी २५ रुपये**
**एक प्रत दीड रुपया**

**महाराष्ट्र परिचय केंद्रातर्फे प्रसारित** **डीजीआयपीआर**

# कोंकणीतल्यान शिकपी भुरग्यांचो फुडार परजळीत करपाखातीर वावरूया

– उदय भेंब्रे

कोंकणीतल्यान मुळावें शिकप घेवपी भुरग्यांचो फुडार परजळीत जावचो, तांका कसलीच आडखळ येवची न्हय आनी तांच्या आंगातलें सगळे गुण उदरगतीक पावचे ह्या खातीर वावरूया, असो उलो कोंकणी चळवळीचें फुडारी भौ. उदयबाब भेंब्रे हांणी 'कोंकणी मुळावें शिक्षण' ह्या परिसंवादाच्या अध्यक्षपदावयल्यान उलयताना दिलो. तांणी आपल्या उलोवपांत मडगावच्या विद्याभुवन शाळेचो देखदिणो इतिहास सांगून सुशिक्षित पालक आपल्या भुरग्यांक कशें न्हडा संख्येन हें शाळेत धाडतात हे सांगले. शिक्षण सस्था बरोबर भौशीक मळारूय शिक्षणाचो विचार जाल्यार बऱ्याक पडटलो अशें तांणी सांगले

कोंकण टायम्स अंकाच्या वतीन ३१ जानेर दिसा घडोवन हाडलेल्या या परिसंवादाचे उक्तावण डायोसिजन सोसायटी ऑफ एज्युकेशनचे अध्यक्ष फा. निकलांव पेरेर हाणी दिवली पेटोवन केले. तांणी आपल्या उलोवपात भुरग्यांक कोंकणीतल्यान मुळावें शिक्षण दिवपाचें आनी थळावी संस्कृताय राखपाचे आवाहन केलें. विद्याभुवन शाळेच्यो मुख्याद्यापिका सौ प्रमिला बोरकार हाणी कोंकणी शिक्षणातले आपलें अणभव सांगुन भुरगी कशी मेकळेपणान शिकतात आनी जगतात ते देखी दिवन सांगले. डॉ. मॅथ्यू आल्मेद हांणी तोमास स्टिफन कोंकणी केंद्राचो मुळाव्या शिक्षणातलो वावर सांगलो आनी फुडे पत्रकारांनी आनी बरोवप्यानी जागृती करून कोंकणी माध्यमाचें म्हत्व पटोवन दिवंक जाय अशें तांणी मागले.

बरो आदर्श शिक्षक जावपाक कोंकणी शिक्षकाक प्रशिक्षणाची निव्वळ कोंकणी भास येवपाची, आनी तो गतीशील आसपाची गरज आसा अशें श्रीमती लिला गायतोंडे हांणी सांगले. भौ. रविंद्र नमशीकार हांणी सांगले, 'बहुजन समाजांतल्या पालकांत शिक्षणाविशीं जो दुबाव आसा तो पयस करून तांची भुरगी कोंकणी माध्यमातल्यान शिक्षण घेतली हांची जतनाय घेवक जाय ! माध्यमा बदलाखातीर डायोसिजन सोसायटीक सगळ्यांनी मेळून तेंको दिवचो अशें ताणी सागुन शिक्षण राज्यसंस्था कोंकणीची पाठपुस्तका बरी आनी शास्त्रशुद्ध करतात म्हुण खोस परगटायली.

डॉ. विली द सिल्व हांणी सांगले 'आमची भुरगी जी आयज दोन माध्यमातल्यान हायब्रिड जाल्यात ती जावक फावना. भुरग्यांक पयली कोंकणीचे पुराय ज्ञान दिवन मागीर वाडटच्या वयात वो तांच्या कोंकणीतल्यान हातासलेल्या उदरगतीतल्यान इंग्लीश भास उपरांत शिकोवची. समाजशास्त्र, कोंकणीपण भुरग्यांक पयली शिकोवचे. डॉ. तानाजी हळर्णकार हांणी सांगलें, 'सरकारचेर पातयेवनासतना पालकांनी आपल्या भुरग्यांचो फुडार येवजून कोंकणी माध्यम आपणावचें. कोंकणी शिक्षण दिवपा पासत फावं ती पाथावळ तयार करपाक जाय.

उलोवपानंतर जाल्या चर्चेत यशवंत पालेकार, नंदकुमार कामत, नारायण भेंब्रे हांणी वांटो घेतलो. कार्यावळीचे सूत्रसंचालन साहीत्य अकादमी पुरस्कार फावा जाल्ले भौ. रमेश वेळुस्कार हांणी केलें.

–✱–

उजवाडाक येवनूय नव्या पुस्तकांची गरज आसाच. तशें पळोवंक गेल्यार आदलें शब्दकोश, व्याकरणां धरून बाकीबाब बोरकार, सुरेश पै, सुरेश बोरकार हांची व्याकरणां, भौ. श्रीपाद देसाय हांचे शब्दकोश बी शिक्षणीक मळार गरजेचीं कांय पुस्तकांय उजवाडा आयल्यांत.

शिक्षणांत कोंकणी भाशेची सुवात कितें आसा ? हाची जाप सोदपाच्या यत्नाउपरांत 'शिक्षणांत तिची सुवात कितें आसची ?' म्हजी जाप. श्रावणकुमाराच्या आवयबापायवयल्या भक्तीवरी ती खर प्रितीची आसची आनी खर तपश्चर्येन अढळपद मेळोवपी ध्रुवताऱ्याच्या सासणाच्या उत्तुंगपदाची आसची.

म्हळ्यार मुळाव्याच पांवड्याचेर न्हय तर क्रमाक्रमान मध्यमीक, उच्चमध्यमीक आनी विश्वविद्यालयीन पांवड्याचेरूय शिक्षणाचें माध्यम जावपाइतली शक्त तिच्यांत येवन ती खऱ्या अर्थान गोंयचीच न्हय जाल्यार समस्त कोंकण्यांच्या कोंकणाची सम्राज्ञी जावची.

जय कोंकणमाता । जय हिंदमाता ॥

**संदर्भपुस्तकां–**


१) वज्रलिखणी – श्री. वर्दे वालावलीकार
२) शणै गोंयबाब – रा. ना. नायक
३) शिक्षणखाते, गोंय सरकारची शिक्षणीक आंकडेवारी
४) कोंकणी सरस्वतीचो इतिहास – डॉ. ऑलवीन गोनीश
५) गोमन्तकाची प्रतिमा– खंड १ – श्रीसरस्वती मंदिर, पणजी गोंय.
६) कोंकणी साहित्याचो इतिहास– डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांचो निबंध.


–✱–

# Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services, Panaji-Goa

**Offers Various Programmes for Eligible Farmers Like;**

1. DAIRY-FARMING
2. POULTRY FARMING
3. PIG - REARING
4. GOATERY
5. RABBIT AND DUCK FARMING ETC.

A) To improve farmers earnings and to increase production of Milk, Meat, Eggs, Fur and other Dairy Products.

B) Improve and augument Agricultural Products by providing Bullock for Draft Power and improve Soil Fertility by providing valuable manures from Cattle and other Livestock for their Crop Production.

Needful infrastructure is created in Goa State in the form of Veterinary Hospitals, Veterinary Dispensaries, Livestock Farms, Hatchery, Dairy Plants. Breeding Stations and Diagnostic Laboratories where Livestock Health Cover and Breeding Facilities and provided Cross Breed Calves/Heifers/Poultry by the General Public.

Avail of the facilities provided by the Department for creating Healthy and Productive Livestock for various Animal Husbandry Programmes, Technical Advice.

Contact the Director of

ANIMAL HUSBANDRY AND VETERINARY SERVICES.

Project Officer, Special Livestock Programmes and the Taluka Level Veterinary Officers for details of various Programmes to improve the lot of Weaker Sections, Scheduled Castes, etc.

ISSUED BY :-

**Directorate of Animal Husbandry & Veterinary Services**

GOVERNMENT OF GOA, PANAJI - GOA

K. Goluldas Prabhu
Corporation Bank
Regional office

# GROW MORE SUGARCANE

EARN NET PROFIT OF Rs. 15,000 PER HA. IN A YEAR

Avail Govt. incentive for maximising Sugarcane Production

i) 50% Subsidy on Battery Power Electric fencing maximum up to Rs. 7,500/-

ii) Demonstration on package of practices with free planting material worth Rs. 1,000/-

iii) Subsidy on transportation of planting material from out side State up to Rs. 1,000/- for one truck load.

iv) Many more facilities like Weedicide, intercropping, Soil Conditioners are given for demonstration.

For further detail please contact the respective zonal Agriculture Officer or Directorate of Agriculture.

ISSUED BY :

**Directorate of Agriculture**
GOVERNMENT OF GOA
PANAJI-GOA.